ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?

म्हाका कित्याक दिसाना?

2558
Do: Dev
PIN

ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್
पितांम देरेबैल

ದಿವೊ ಪ್ರಕಾಶನ್
ಮುಂಬಯ್
दिवो प्रकाशन
मुंबय

'ದಿವೊ' ಪ್ರಕಾಶನಾಚಿಂ ಎದೊಳ್ಚಿಂ ಪುಸ್ತಕಾಂ

'ಮುಖ್ಲಿಂ ಮೆಟಾಂ' *ಲೇಖಕ್*: ಬಿ. ಜೆ. ಅಜೆಕಾರ್
'ಅಮೃತ್' *ಲೇಖಕ್* : ವಿ. ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ
'ಗಾಣಾ' *ಲೇಖಕ್*: ನೆರಿ ನಜ್ರೆತ್
'ಲಿಪೊನ್ ದವರ್ಲೆಲೆಂ ಸತ್' *ಲೇಖಕ್*: ಅಶೊಕ್ ಡಾಯಸ್
ಕಾವ್ಯರಸ್' *ಲೇಖಕ್*: ವಿ. ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ
'ಸವಾಲಾಚೆರ್ ಉಜ್ವಾಡ್' *ಲೇಖಕ್*: ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾ (01-25)
'ಆಮ್ಚಿಂ ಆದ್ಲಿಂ ಕಾಜಾರಾಂ' ಲೇಖಕ್: ವಿ.ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ
'ಸವಾಲಾಚೆರ್ ಉಜ್ವಾಡ್' ಲೇಖಕ್ : ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾ (26-50)
'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ' ಲೇಖಕ್ : ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್
ಚಿರ್ಪುಟಾಂ ಲೇಖಕ್ : ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್
'ಸವಾಲಾಚೆರ್ ಉಜ್ವಾಡ್' ಲೇಖಕ್ : ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾ (51-75)

344 (KK-344)

BOOK DONATED TO:
★ VISHWA KONKANI KENDRA ★
BY: J. B. MORAES

ದಿವೊ ಪ್ರಕಾಶನಾಂಚೆಂ ನವ್‌ವೆಂ ಪುಸ್ತಕ್

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?

म्हाका कित्याक दिसाना ?

ಲೇಖಕ್ : ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್. लेखाक : पिंताम, देरेबैल

ಹೊ ನಾಟಕ್ ಜರ್ ತರ್ ಖಂಯ್‌ಚ್ಯೊ ವ್ಯಕ್ತಿ ವ ಸಂಸ್ಥೊ ಖೆಳೊನ್ ದಾಕೊಂವ್ಕ್ ಅಪೇಕ್ಷಿತಾ ತರ್ ದಯಾಕರ್ನ್ ಸಕಯ್ಲ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಳಾಸಾಚೆರ್ ಬರೊವ್ನ್ ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಬರ್ಪಿನಿಶಿಂ ಪರ್ವಣ್ಗಿ ಘೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ವಿನಂತಿ. ಕಸಲ್ಯಾಯ್ ರಿತಿಚ್ಯಾ ಸಂಭಾವನಾಚಿ ಹಾಂವ್ ಅಪೇಕ್ಷಾ ಕರಿನಾ.

हो नाटक जर तर खंयचोई व्यक्ति व संसथो खेळोन दाकोंवक अपेक्षीता तर दयाकर्न सकयल दिल्या विळासाचेर बरोवन म्हजे थावन वर्पीनीशीं परवणगी घेवंक जाय म्हळळी महजी विनंती. कसल्याय रितीचा संभावनाची हांव अपेक्षा करीना.

A, PIN

'ದಿವೊ' ಪ್ರಕಾಶನ್
ಮುಂಬಯ್.

दिवो प्रकाशान

मुंबई

'MHAKA KITEAK DISONA'

A Konkani Drama written and directed by
Pintam Derebail

Writer's Address:
PINTAM DEREBAIL
1/4, Gajanan Estate,
Saki Naka, Andheri (E),
Mumbai - 400072
✆: 8592068
MOBILE : 9821229331
E-mail: pintham@yahoo.co.in

© Pintam Derebail

Price : Rs. 50
Cover Designed by DIVO

2558
PIN

Printed and Published by

Divo Prakashan
99, Perin Nariman Street, 1st Floor,
Fort, Mumbai 400001

Tel: 2693578, 2654924
Fax: 2658685

Email: secular@vsnl.com
Website: http://www.secularcitizen.com

WORLD KONKANI CENTRE
1260

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?

ಹೊ ನಾಟಕ್ ಜರ್ ತರ್ ಖಂಚ್ಯೊ ವ್ಯಕ್ತಿ ವ ಸಂಸ್ಥೊ ಖೆಳೊನ್ ದಾಕೊಂವ್ಕ್ ಅಪೇಕ್ಷಿತಾ ತರ್ ದಯಾಕರ್ನ್ ಸಕಯ್ಲ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಳಾಸಾಚೆರ್ ಬರೊವ್ನ್ ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಬರ್ಪಿನಿಶಿಂ ಪರ್ವಣ್ಗಿ ಘೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ವಿನಂತಿ. ಕಸಲ್ಯಾಯ್ ರಿತಿಚ್ಯಾ ಸಂಭಾವನಾಚಿ ಹಾಂವ್ ಅಪೇಕ್ಷಾ ಕರಿನಾ.

महाका कित्याक दिसाना ?

हो नाटक जर तर खंयचोई व्यक्ति व संसथो खेळोन दाकोंवक अपेक्षीता तर दयाकर्न सकयल दिल्या विळासाचेर वरोवन म्हजे थावन बर्पीनीशीं परवणगी घेवंक जाय म्हळळी महजी विनंती. कसल्याय रितीचा संभावनाची हांव अपेक्षा करीना.

Writer's Address:

PINTAM DEREBAIL

1/4, Gajanan Estate,
Saki Naka, Andheri (E),
Mumbai - 400072

✆ **: 8592068**

MOBILE : 9821229331

E-mail: pintham@yahoo.co.in

ನಾಟಕ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಕ್ ಏಕ್ ಮಹತ್ವಾಚೆಂ ದೆಣೆಂ

ಸಾಟ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಹಾಂವ್ ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್ ವ್ಹೆತಾನಾ ಚಾರ್ ಖಾಂಬೆ ಪೂರ್ನ್ ಘಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ವ್ಯಾಂತ್, ಪಾಂಗರ್ರ್ಯಾ ವೊಲಿ ಪಡ್ದೆ ಮ್ಹಣ್ ವಾಪರ್ನ್ ಖೆಳ್ಲ್ಲೊ ನಾಟಕ್ ಪಳೆಲ್ಲೊ ಉಡಾಸ್ ಆಸಾ. ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಜೆದ್ನಾ ನಾಟಕ್ ಸಾಲಾಂ ನಾತ್ಲ್ಲಿಂ ತ್ಯಾ ತೆಂಪಾರ್ ಗಾದ್ಯಾಂನಿ ವ ಗ್ರೇಸ್ತಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ನಾಟಕ್ ಖೆಳ್ಟಾಲೆ ಮ್ಹಣ್ ಆಯ್ಕಾಲಾಂ. ಹಿ ಪರಂಪರಾ ಚಡ್ಡ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ದೊನ್ಶಿಂ ತಿನ್ಶಿಂ ವರ್ಸಾಂಚಿ ಆಸ್ಯೆತ್. ಅಸಲ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂಚಿ ಚರಿತ್ರಾ ಫಕತ್ ಜಿಬೆರ್ ಘೊಳೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ ಶಾವಾಯ್ ಲಿಖಿತ್ ದಾಖ್ಲೆನಾಂತ್. ಛಾಪ್ಲ್ಲೆ ನಾಟಕ್ ಭೋವ್ ವಿರಳ್ -ನಾಂತ್‌ಚ್ ಮ್ಹಣ್ಯೆತ್. ಹಾತ್ ಬರ್ಪಾಚೆ ನಾಟಕ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಡ್ಚೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಭಾತೆಣಾಚ್ಯಾ ಭೊರ್ಯಾಂತ್ ಸುವಿ ಸೊಧ್ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ. ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಅಸಿ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾನ್, ನಾಟಕಾಚಿ ಖರಿ ಅಭಿರೂಚ್ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಕ್ ವ ಸಂಶೋಧಕಾಕ್ ಅಡ್ಚಣ್ ಜಾತಾ. ಜಾವ್ಯೆತ್, ನಾಟಕ್ ವಾಚ್ಚೆ ವಾಚ್ಪಿ ಉಣೆ ಆಸಾತ್, ನಾಟಕ್ ಛಾಪ್ಚೊ ಖರ್ಚ್ ಚಡ್ ಆಸಾ ದೆಕುನ್ ನಾಟಕ್ ಬರಯ್ಣಾರ್ ವ ಪ್ರಕಾಶಕ್ ನಾಟಕ್ ಛಾಪುಂಕ್ ಪಾಟಿಂಸರ್ತಾ. ಪುಣ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ನಾಟಕ್ ಕಲೆಚಿ ವಳಕ್ ಕಶಿ ಮೆಳ್ಟೆಲಿ? ಹಾತ್ ಬರ್ಪಾಚೆ ಬರೆ ನಾಟಕ್ ಶಿಸ್ತಿ ಪ್ರಮಾಣೆ ಜಮೊ ಕರ್ನ್ ತೆ ಜೊಗಾಸಾಣೆನ್ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್ಚೆಂ ಕಾಮ್ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳ್, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಅಕಾದೆಮಿ, ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್ ಅಸಲ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾನಿ ಕರ್ಯೆತ್ ಆನಿ ಕರಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾ. ಆಯ್ಲೆವಾರ್ ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳಾನ್ 'ಜಿಎಂಬಿ ರೊಡ್ರಿಗ್ಸ್ ನಾಟಕ್ ಪ್ರಶಸ್ತಿ' ಸುರು ಕೆಲ್ಲಿ ನಾಟಕ್ ಬರಯ್ಣಾರಾಂಕ್ ಆಪ್ಲೆ ಪರ್ನೆ ವ ನವೆ ನಾಟಕ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂವ್ಕ್ ಏಕ್ ಪ್ರೇರಣ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಸಕಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಮ್ಹಜೊ ಭರ್ವಸೊ. ದೆಕುನ್, ಮ್ಹಜೊ ಮಿತ್ರ್ ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್ ಹಾಣೆ ಆಪ್ಲೊ ನಾಟಕ್ **'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?'** ನಾಟಕ್ ಪ್ರೇಮಿ ವಾಚ್ಪ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರುಂಕ್ ಸರ್ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ಅಭಿನಂದನ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಗೆಲೆತ್ಯಾ 50 ವರ್ಸಾಂನಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂನಿ ಚಿಂತುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ ತಿತ್ಲೆಂ ಸುಧಾರಣ್ ಜಾಲಾಂ ಹೆಂ ಕೊಣೆಂಯ್ ನೆಗಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಚಾಫ್ರಾಚೆ ನಾಟಕ್‌ಚ್ ಹಾಕಾ ಸಾಕ್ಸ್. ಹ್ಯಾ ಸುಧಾರಣ್ ಯುಗಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಅಮೃತ್-ಮಂಥನಾ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಏಕ್ ನಾಟಕ್‌ಕಾರ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ 'ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್' ಲೆಖ್ನೆ ನಾಂವಾಚೊ ಶ್ರೀ ವಲೇರಿಯನ್ ಪಿಂಟೊ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉಡಾಸಾ ಪರ್ಮಾಣೆ, ಮ್ಹಜಿ ಆನಿ ಪಿಂತಾಮಾಚಿ ಪಯ್ಲಿ ವಳಕ್ ಜಾಲ್ಲಿ 1993 ವರ್ಸಾಚ್ಯಾ ಸುರ್ವಿಲ್ಯಾ ಮ್ಹಯ್ನ್ಯಾಂನಿ ಜೆದ್ನಾಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳಾಚ್ಯಾ ಭಾಂಗಾರೋತ್ಸವಾಚಿ ತಯಾರಿ ಚಲ್ತಾಲಿ. ಶ್ರೀ ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ ಲಿಖಿತ್ ಆನಿ ಶ್ರೀ ಸನ್ನಿ ಡಿ'ಸೋಜಾ ದಿಗ್ದರ್ಶಿತ್ **'ಕೋಣ್ ಜಿಕ್ತಾ'** ನಾಟಕ್ ಭಾಂಗಾರೋತ್ಸವಾಂತ್ ಖೆಳೊಂವ್ಕ್ ಆಮಿ ಯೆವ್ಜಿಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂತುಂ ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್ ಮುಖೇಲ್ ಪಾತ್ರ್ ಖೆಳ್ಚೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ತ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ಆಮಿ ತವಳ್ ತವಳ್ ಮೆಳ್ಟೆಲ್ಯಾಂವ್. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಆನಿ ನಾಟಕಾಂ ವಯ್ರ್ ವಿಚಾರ್ ಅದಲ್-ಬದಲ್ ಕರ್ತಾಲ್ಯಾಂವ್. ಕೋಣ್ ಜಿಕ್ತಾ ನಾಟಕಾಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ತೀನ್ ಮುಖೇಲ್ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಮೆಳೊನ್ ತಾಂಚೆಲಾಗಿಂ ಏಕ್ ಲಾಂಬ್ ಸಂದರ್ಶನ್ ಘೆತ್ಲ್ಲೊ ಮ್ಹಾಕಾ ಉಡಾಸ್ ಆಸಾ. ಪಿಂತಾಮಾಚಿ ಆಸಕ್ತ್ ಫಕತ್ ನಾಟಕಾಂನಿ ಅಭಿನಯ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಮಾತ್ರ್ ಸೀಮಿತ್ ನಾಸ್ತಾಂ ನಾಟಕ್ ಬರಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್, ತೆ ದಿಗ್ದರ್ಸುಂಚ್ಯಾಂತ್, ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಆನಿ ನಾಟಕಾಚ್ಯಾ ಹೆರ್ ಫಾಂಟ್ಯಾನಿ ಫುಲೊನ್ ಯೆತಾಲಿ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸುಸ್ತಾಲೆಂ. ನಾಟಕ್ ಶೆತಾಂತ್ಲೊ ನಾಂವಾಡ್ದಿಕ್ ಕಲಾಕಾರ್ ಶ್ರೀ ಎಡ್ವರ್ಡ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾಚ್ಯಾ ಮಾರ್ಗ್‌ದರ್ಶನಾಖಾಲ್ ಸಾಧಾರ್ಣ್ 35

नाटक साहीत्याक एक महत्वाचें देणें

साट वर्सां आदीं हांव इस्कोलाक वेताना गाद्यांत चार खांबे पूर्न घाल्या माटवांत, पांगुरच्यो वोली पडदे म्हण वापार्न खेळल्लो नाटक पळेल्लो उडास आसा. मंगळूरांत जेद्ना नाटक सालां नातल्लीं त्या तेंपार गाद्यानीं व ग्रेस्तांगेलया हितलांत नाटक खेळटाले महण आयकालां. ही परंपरा चड म्हळयार दोनशीं तिनशीं वर्सांची आस्येत. असल्या नाटाकांची चरित्रा फकत जीवेर घोळोन आयील्ली शिवाय लिखित दाख्ले नांत. छापल्ले नाटाक भोव विरळ नांतच मुणयेत. हात बरपाचे नाटक सोधुन काडचें मुळयार भातेणाच्या भोरयांत सुवी सोधल्लयावरी. परीस्थिती अशी आसल्यान, नाटकाची खरी अभीरूच आसल्या व्यकतीक व संशोधकाक अड्चण जाता जाव्येत, नाटक वाचचे वाचपी उणे आसात, नाटक छापचो खर्च चड आसा देकुन नाटक बरयणार व प्रकशाक नाटक छापुंक पाटीं सरता. पुण आमच्या मुखल्या पिळगेक आमच्या नाटाक कलेची वळक कशी मेळटेली? हात बरपाचे बरे नाटक शिस्थी प्रमाणे जमो करून ते जोगासाणेन सांबाळुन दवरचें काम भाषा मांडळ, कोंकणी आकादेमी, मांड सोभाण असल्या संस्थ्यांनी करयेत आनी करिजय महण माका भोगता. आयलेवार मुंवईचा कोंकणी भाषा मंडळान 'जी.ए.बी. रोड्रीग्स नाटक प्रशस्थी' सुरु केली नाटक बरयणरांक आपले पोरने व नवे नाटक उजवाडांवक एक प्रेरण जांवक सकात मुणोन बरवसो. देकुन, मुजो मित्र पिंताम देरेवैल हाणे आपलो नाटक **'महाका कितयाक दिसाना'** नाटक प्रेमी वाचप्या मुखार दवरुंक मुखार सरल्याक हांव ताका अभीनंदन करतां.

गेलेत्या 50 वर्सांनी आमच्या नाटकांनी चितुंक जायना तित्लें सुधारण जालें हें कोणेंय नेगार करुंक जायना. चाफ्राचे नाटकच हाका साक्स. ह्या सुधारण युगात्लंया अम्रत-मंथनाथावन उदेवन आयील्लो एक नाटककार जावनसा पिंताम देरेवैल लेख्णे नांवाचो श्री वलेरीयान पिंटो. मुज्या उडासा प्रमाणे, म्हजी आनी पिंतामाची पयली वळक जाल्ली 1993 वर्साच्या सुर्वील्या महिन्यानी जेदनां कोंकणी भाषा मंडाळाच्या भांगारोत्सवाची तयारी चलताली. श्री हेन्री डी'सिल्वा लिखीत आनी श्री सन्नी डी'सोजा दीग्दर्शीत 'क्रोण जिकता' नाटक भांगारोत्सवाक खेळोंवक आमी येवजील्लें. हांतुं पिंताम देरेवैल मुखेल पात्र खेळचो आस्लो. त्या दिसांनी आमी तवळ तवळ मेळटाल्यांव. कोंकणीं साहित्या आनी नाटकां वयर विचार अदल बदल करताल्यांव. कोण जिकता नाटकाचा ह्या तीन मुखेल व्यकतींक मेळोन तांचेलागीं एक लांब संदर्शन घेतल्लो. महाका उडास आसा. पिंतामाची आसक्त फकत नाटकांनी अभीनय करचात मात्र सिमीत नासतां नाटक बरंवचांत, ते दिग्दर्सुचांत, रंगमंच सांबाळचांत आनी नाटाकाच्या हेर फांटयांनी फुलोन येताली महण म्हाका सुसतालें. नाटक शेतांत्लो नांवड्दीक कलाकार श्री एडवर्ड कोड्साचा मार्गदर्शनाखाल साधार्ण 35 वर्सां आदीं ताणे रंगमांचार एका नटा रुपार प्रवेस केल्लो आनी ताचे उप्रांत ताणे पाटीं पळेल्लेंना. मंगळुरांत आनी मुंबईत जायत्या

ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ತಾಣೆ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ಯಾಕ್ ಎಕಾ ನಟಾ ರುಪಾರ್ ಪ್ರವೇಸ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಆನಿ ತಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಾಣೆ ಪಾಟಿಂ ಪಳೆಲ್ಲೆಂನಾ. ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಆನಿ ಮುಂಬಯ್ತ್ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂನಿ ತಾಣೆ ಥರಾಥರಾಚೆ ಪಾತ್ರ್ ಖೆಳ್ಳ್ಯಾತ್. ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಆದ್ಲೆ ಪ್ರಸಿದ್ಧ್ ನಾಟಕ್‌ಕಾರ್ ಎಮ್.ಪಿ.ಡೆಸಾ, ಸಾಯ್ಮನ್ ರಾಸ್ಕಿಞ ತಸಲ್ಯಾ ಶ್ರೇಷ್ಟ್ ನಾಟಕ್‌ಕಾರಾಂಚಿಂ ಕಲಾತ್ಮಕ್ ದೆಣಿಂ ತಾಣೆ ಲಾಗ್ಸಿಲ್ಯಾನ್ ಪಳೆಲ್ಯಾಂತ್. ಗೆಲೆತ್ಯಾ ಧಾ ಬಾರಾ ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿರ್ ತವಳ್ ತವಳ್ ಆನಿ ಪ್ರತ್ಯೇಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಪರ್ಬೆಂ ವೆಳಿಂ ಸಂದರ್ಭೋಚಿತ್ ನಾಟ್ಕುಳಿ ತಾಣೆ ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಾರ್ಯಾಕ್ರಮಾಂ ದಿಲ್ಯಾಂತ್. ಗೊಂಯ್ಕಾರಾಂಚ್ಯಾ 'ಗ್ರಾಪ್' ಸಂಸ್ಥ್ಯಾನ್ ಚಲಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಏಕಾಂಕೀ ನಾಟಕ್ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ ತಾಣೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಇನಾಮ್ ಜೊಡ್ಲಾಂ.

ಪಾಂಚ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಜೆದ್ನಾಂ ಮ್ಹಜೊ ನಾಟಕ್ **'ಹಿ ವಾಟ್ ಯೆಮ್ಕೊಂಡಾಚಿ'** ತಾಚ್ಯಾ ದಿಗ್ದರ್ಶನಾಖಾಲ್ ಯಶಸ್ವಿ ಥರಾನ್ ಖೆಳೊವ್ನ್ ದಾಕಯ್ಲೊ, ತೆದ್ನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ಲೆಂ ಕಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಾಟಕಾಚೊ ಅತ್ಮೊ ತಾಣೆ ಪಾರ್ಕಿಲೊ. ನಾಟಕಾಚಿ ಪಾಟ್‌ಭುಂಯ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಜಾವ್ನ್ ಪನ್ನಾಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ಎಕಾ ಬೆಸಾಯ್ಗಾರ್ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಂತ್ಲಿ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ ಸಜಾವಟ್, ಪಾತ್ರಾಂಚೆಂ ನ್ಹೆಸಾಣ್ ಆನಿ ತಾಂಚ್ಯಾ ಉಲೊವ್ಣ್ಯಾಚಿ ರೀತ್, ಮ್ಹಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಝುಳಕ್ (ಗುಮ್ಟಾಂ ಪದಾಂ) ಹೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ವಾಸ್ತವಿಕ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಣೆ ದಾಕಯಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ಯಾರ್ ಹಳ್ಳೆಂತ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಘರ್ ಆನಿ ತಾಂತ್ಲಿಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಂ ರೂಪ್‌ರೂಪ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ದಿಸ್ಲಿಂ. ಹಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಎಕಾ ಬರ್‍ಯಾ ದಿಗ್ದರ್ಶಕಾಚಿ ಶಾಥಿ.

ಪ್ರಸ್ತುತ್ ನಾಟಕ್ **'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?'** ಪಾಂಚ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಬರವ್ನ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ಯಾರ್ ತಾಣೆ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೊ. ಆತಾಂ, ಪಾಂಚ್ ವರ್ಸಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತೊ ಪುಸ್ತಕಾ ರುಪಾರ್ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ಯೆತಾನಾ ತ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಪ್ರಸ್ತಾವನಾಚಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ ಬರಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ವಿನಂತೆಕ್ ಪಾಳೊ ದೀನಾಸ್ತಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಪರ್ಯಾಯ್ ನಾ ಜಾಲೊ. ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಸುವಾತೆರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ಯಾರ್ ನಾಟಕ್ ಸಭಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ತರಿ ತಾಂತುಂ ಪುಸ್ತಕಾಂ ರುಪಾರ್ ಆಯಿಲ್ಲೆ ಬೊಟಾಂನಿ ಮೆಜ್ಯೆತ್ ತಿತ್ಲೆ ಮ್ಹಣ್ಯೆತ್. ಹ್ಯಾ ದಿಶ್ಟಿನ್, ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಸ್ವಾಗತ್ ಫಾವೊ. ದುಸ್ರ್ಯಾ ಸುವಾತೆರ್ ದೋನ್ ತೀನ್ ಥರಾಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಹೊ ನಾಟಕ್ ಮಾತ್ಸೊ ವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಥರಾಚೊ ದಿಸ್ಲೊ. **'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?'** ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ನಾಟಕಾಚೆಂ ಶಿರೋನಾಂವ್ ಅರ್ಥಗರ್ಭಿತ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂನಿ ಕುಡ್ಡ್ಯಾ ವಿಷಾಂತ್ ಉಲೊಂವ್ಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆನಿ ದಾಕೊಂವ್ಚೆಂ ವರ್ತನ್ ದೊಳ್ಯಾಂಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಕ್ ಸಹಜ್‌ಲ್ಲಿಂ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ದಾಕಯ್ತಾ. ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯೆಚ್ಯಾ ದೀಷ್ಟ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾ ಮಾರ್ಟಿಸಾಚೊ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ರಚುನ್ ತಾಣೆ ಏಕ್ ನವಾಲ್ ಕೆಲಾಂ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಯ್, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಬಾಳ್ ನಟಿಂಕ್ ಏಕ್ ಪಂಥಾಹ್ವಾನ್ ದಿಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ಯೆತ್. ಕುಟ್ಮಾಂತ್ಲಿಂ ಸಮಸ್ಯಾಂ ಮೊಗಾನ್ ಆನಿ ತ್ಯಾಗಾನ್ ನಿವಾರ್‍ಯೆತ್ ಶಿವಾಯ್ ಹಗ್ಯಾನ್ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಲಿಸಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂತ್ ದಾಕಯ್ಲಾಂ.

ಜಶೆಂ ಹಾಂವೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಕೊಂಕ್ಣಿಂತ್ ನಾಟಕ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆಂ ಬೆಳೆಂ ಉಣೆಂ ಆಸಾ. ಏಕ್ ನಾಟಕ್ ಬರೊ ಮ್ಹಣಾಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತೊ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ಯಾರ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಕಿತ್ಲೊ ಪರಿಣಾಮ್‌ಕಾರಿಗಿ ತಿತ್ಲೊಚ್ ವಾಚುಂಕೀ ಬರೊ ಲಾಗಾಜಾಯ್. ಹ್ಯಾ ಪರೀಕ್ಷೆಂತ್ ಶ್ರೀ ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್ ಯಶಸ್ವಿ ಜಾತೊಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಪಾತ್ಯೆತಾಂ ಆನಿ ತಾಕಾ ಬರೆಂ ಮಾಗ್ತಾಂ.

ಚೆಂಬೂರ್, ಮುಂಬಯ್

ಜೆ.ಬಿ.ಮೊರಾಯಸ್

ಆಕ್ಟೋಬರ್ **27, 2002**

नाटांकांनी ताणे थराथरांचे पात्र खेळळयात. मंगळूरचे आदले प्रसीद्ध नाटककार एम.पि.डेसा, सायमान रसकिंज्ञा तसल्या श्रेष्ट नाटककारांचीं कलात्मक देणीं ताणे लाग्शील्यान पळेल्यांत. गेलेत्या धा बारा वर्सा थावन मुंबईचा आकाशवाणीर तवळ तवळ आनी प्रतेक जावन धार्मीक पर्भे वेळीं संदर्भोचीत नाटकुळे ताणे सादर केल्यात आनी हेर कार्यकृमा दिल्यांत. गोंयकारांच्या ग्राफ संस्थयान चलयील्या एकांकी नाटक स्पर्धयांत ताणे पयलें इनम जोडलां.

पांच वर्सा आदीं जेदनां म्हजो नाटक हि वाट येमकोंडाची ताच्या दिग्दर्शनाखाल यशसवी थरान खेळोवन दाकयलो. तेदना म्हांका भोग्लें की म्हजा नाटकाचो अत्मो ताणे पार्कीलो. नाटकाची पाट भुंय जावन पन्नास वर्सा आदल्या एका दुब्ळया बेसायगार कुटमाची जाव्नसल्यान तांल्ली रंगमंच सजावट, पात्रांचें न्हेसाण आनी तांच्या उलोव्णयाची रीत, म्हल्घडयांचा संस्कृतीची झळक (गुमटां पदां) हें सगळें वासतावीक जावन ताणे दाकयील्यान रंगमंच्यार हळ्ळेंत्लें एक घर आनी तांल्लीं मुनशां रूपरूप आमच्या दोळयां मुखार दिस्लीं. ही जावानासा एक बरया दिग्दर्शकाची शाथी.

प्रस्तुत नाटक **'महाका कित्याक दिसाना'** पांच वर्सा आदीं बरवन रंगमंच्यार ताणे हाडलो. आतां पांच वर्सा उप्रांत तो पुसतक रुपार उजवाडाक येताना त्या पुस्तकाक प्रस्तावणेचीं दोन उत्रां बरय महळया ताच्या विनंतेक पाळो दिनास्तां म्हाका पर्याय ना जालो. पयल्या सुवातेर कोंकणी रंगमंच्यार नाटक सभार जाल्यात तरी तांतु पुस्तका रुपार आयील्ले बोटांनी मेज्योत तित्ले महण्येत. ह्या दिस्टीन ह्या पुस्तकाक स्वागात फावो. दुसरया सुवतेर दोन तीन थरांनी म्हाका हो नाटक मात्सो वेग्ळया थराचो दिसला. **'महाका कितयाक दिसाना'** म्हळळे नाटकाचें शिरोनांव अर्थगर्भीत जावनसा. दोळयांक दिष्ट आस्लयांनी कुड्डयाविषंत उलोंवचीं उत्रां आनी दाकंवचें वर्तान दोळयांची दिष्ट आसल्या मनशांक सहजल्लीं नहीं महण तो दाकयता. आट वर्सा प्रायेच्या दीष्ट नातल्या विल्मा मार्टीसाचो प्रमुख पात्र रचुन ताणे एक नवाल केलां मात्र नहीं, आमचा बाळ नटींक एक पंथाह्वान दीलां मुणयेत. कुटमांल्लीं समस्यां मोगान आनी त्यागीन निवर्येत शिवाय हगयान नहीं महळळें लिसांव ह्या नाटकांत दाकयला.

जशें हांवें पयलें सांगलें कोंकाणींत नाटक साहीत्याचें वेळें उणें आसा. एक नाटक बरो मुणाजाय जाल्यार तो रंगमांचांर पळेंवक कित्लो परीणामकारीगी तितलोच वाचुंकी बरो लागाजाय. ह्या परीक्षेंत श्री पिंताम देरेवैल यशस्वी जातोलो मुण पात्येतां आनी ताका बरें मागतां

चेंबूर, मुंबय
आक्टोबर 27, 2002

बी मोरायस

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002558

ಲೇಖಕಾಚೆಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ..

ಮೊಗಾಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಾಚ್ಪ್ಯಾ, ಮ್ಹಜೆ ಪ್ರಣಾಮ್ ತುಕಾ.

1977 ಇಸ್ವೆಂತ್ ಸಾಕಿನಾಕಾ ಫಿರ್ಗಜೆಂತ್ಲ್ಯಾ 'ಕೊಂಕಣ್ ಕಾಳ್ಜಾಂ' ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಚಾ ವಾರ್ಷಿಕೋತ್ಸವಾಕ್ ಮ್ಹಜೊಚ್ ನಾಟಕ್ ಖೆಳವ್ನ್ ದಾಕೈಜೆ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಮ್ಹಜಾ ಮತಿಂತ್ ಆಯ್ಲೆಂ. ನಾಟಕ್ ಕಲೆಚಾ ಹರ್ಯೆಕಾ ಕ್ಷೇತ್ರಾಂತ್ ಪ್ರವಿಣಾತಾ ಆಪ್ಣಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ನಾಟಕ್ ಬೊರೊಂವ್ಚೆಂ ಚಡ್ ಕಷ್ಟಾಂಚೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಭೊಗುಂಕ್ ನಾ.

ಏಕ್ ನಾಟಕ್ ಬೊರೊಂವ್ಕ್ ಎಕಾ ಕಾಣ್ಯೆಚಿ ಗರ್ಜ್. ಕಿತೆಂ ತರೀ ನವೆಂಚ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪ್ರೇಮಿಂಕ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಅಪೇಕ್ಷಾ, ಕಾಣ್ಯೆಕ್ ಲಗ್ತಿ ಪಾತ್ರ್ ವರ್ಗ್. ಲೊಕಾಕ್ ಮೆಚ್ಚೊಂಚೆಂ ತಾಂಚಾ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ಲಾಗ್ಚೆಂ ಸಂಭಾಷಣ್, ತಾಂಚಾ ಉಗ್ಡಾಸಾಂತ್ ಉರ್ಚೆ ತಸಲೆಂ ಅಂತ್ಯ್.

ಮನಿಸ್ ಪಿಡೆಂತ್ ಪಡ್ಚೆಂ ಸಹಜ್, ತಾಂತುಂಯ್ ಭುಗ್ಯಾಂನಿ ಪಿಡೆಂತ್ ಪಡ್ಚೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಸೊಸುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ.

ಜಲ್ಮಾ ಥಾವ್ನ್ ಕುರ್ಡೆಂ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಚೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಆನಿ ಕಿಡ್ನೆಚಾ ಪಿಡೆಂತ್ ಮೊರ್ನಾ ತಣೆರ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ದೊಗಾಂ ಭುಗ್ಯಾಂಚಾ ಕಾಳಿಜ್ ಕಡಂವ್ಚ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯೆಕ್ ಹಾಂವೆಂ ನಾಟಕ್ ರೂಪ್ ದಿಲೆಂ. ಸುಮಾರ್ ಲೊಕಾನ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಮೆಚ್ಚ್ಯಾಲ್ಲೊ ಹೊ ನಾಟಕ್, ಮೊಗಾಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪ್ರೇಮಿ ತುಂ ಏಕ್ ನಾಟಕ್ ಮ್ಹಣ್ ವಾಚ್ ವ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಚಾ ಕುರ್ಡ್ಯಾ ಭುಗ್ಯಾಚಿ ಕಾಳಿಜ್ ಕಡಂವ್ಚಿಂ ಕಾಣಿ ಮ್ಹಣ್ ವಾಚ್.

ಪುಸ್ತಕಾ ರುಪಾರ್ ನಾಟಕ್ ಆಸ್ಚೊ ಭೋವ್ ವಿರಳ್. ಹೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ಭೋವ್ ಅಪುರ್ಭಾಯೆನ್ ಛಾಪುನ್ ಪ್ರಕಾಶಿತ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ 'ದಿವೊ' ಪ್ರಕಶಾನಾಕ್, ಪ್ರಕಾಶಾನಾಚೆ ಕಾರ್ಭಾರಿ ಶ್ರೀ ಲೊರೆನ್ಸ್ ಕುವೆಲ್ಲೊ, ಶ್ರೀಮತಿ ಸುಜಾನ್ ಕುವೆಲ್ಲೊ ಪುಸ್ತಕ್ ಕಾಡ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಧಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀ ಫ್ರಾನ್ಸಿಸ್ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್ ಕಾಸ್ಸಿಯಾ, ಮಾಲ್ಯೆಕಾ ಎಪ್ಲಾಯೆನ್ಸಾಚೊ ಮ್ಹಾಲಕ್ ಶ್ರೀ ಜೋನ್ ಬಾಪ್ಟಿಸ್ಟ್, ಮ್ಹಜೊ ನಾಟಕಿಸ್ತ್ ಮಿತ್ರ್ ಶ್ರೀ ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ ಆನಿ ಪ್ರತ್ಯೇಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಶ್ರೀ ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾಚೊ ತಶೆಂಚ್ ಶ್ರೀ ನವೀನ್ ಕುಲ್ಯೆಕರಾಚೊ ಆನಿ ದೇವ್ ನಾಗ್ರಿ ಲಿಪಿಂತ್ ಆನಿ ಕನ್ನಡ್ ಲಿಪಿಂತ್ ತಿದ್ವಣ್ ಕರುಂಕ್ ಸಹಕರ್ಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜೊ ಮಿತ್ರ್ ಎಮಿಯಾರ್ ಬೊಂಬೈಕ್ ಹಾಂವ್ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ಭಾವುಡ್ತಾಂ. ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜಾ ನಾಟಕಾಂತ್ ಅಭಿನಯನ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕಾ ಕಲಾಕರಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಋಣಿ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ. ಅಕೇರ್ ಕರ್ಚಾ ಆದಿಂ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ ಬರವ್ನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣೆಚಾ ವಾವ್ರಾಕ್ ಹೊಗೊಳ್ಸಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀ ಜೆ. ಬಿ ಮೊರಾಯೆಸಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಆಭಾರಿ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ.

ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ

ಮೊಗಾಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪ್ರೇಮಿ.

ಆಕ್ಟೋಬರ್ 27, 2002

ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್.

लेखकाचीं दोन उत्रां

मोगळ कोंकणी वाचप्या, म्हजे प्रणाम तुका.

1997 इसवेंत साकीनाका फिर्गेजेंतलया 'कोंकण काळजां' संसथ्याच्या वार्षीकोत्सावाक मुजोच नाटक खेळवन दाखयजय म्हळळें म्हज्या मतींत आयलें. नाटक कलेचा हर्येका क्षेत्रांत प्रवीणता आण्णायील्या वर्वी नाटाक वरोंवचें चड कष्टांचें मुळळें भोगुंक ना.

एक नाटक वोगेंवक एका काण्येचीं गर्ज कीतें तरी नवेंच आमच्या कोंकणी प्रेमींक दिंवचीं अपेक्षा, काण्येक लगती पात्र वर्ग. लोकाक मेचोंवचें, तांचा काळजाक लागचें संभापण, तांचा उगडासांत उरचें तसलें अंत्य.

मनीस पिडेंत पडचें सहज, तांतुंय भुर्गयांनीं पिडेंत पडचें महज्यान सोंसुंक जायना.

जल्मा थावन कुर्डे आट वर्सांचें भुर्गें आनी किडनेच्या पिडेंत मोर्णां ताणिर आसचा दोगां भुर्गयांचा काळीज कडवंचा काणयेक हांवें नाटाकाचें रूप दिलें. सुमार लोकान पळेवन मेचवाल्लो हो नाटाक, मोगाळ कोंकणी प्रेमी तूं एक नाटक म्हण वाच व आट वर्सांचा कुर्डया भुर्गयांची काळीज कडंवची काणी म्हण वाच.

पुस्तका रुपार नाटक आसचें भोव विगळ. हें पयलें पुसतक भोव आपुर्भायेन चापुन प्रकाशीत केल्लया दिवो प्रकाशानाक, प्रकाशानाचे कारभारी श्री लोरेन्स कुवेल्हो, श्रीमाती सुजान कुवेल्हो, पुसतक चापच्या खर्चाक म्हाका आधार दिल्या श्री फ्रान्सीस फेर्नांडीस, कार्गीया, मालाईका एपलाएनसाचो म्हालक श्री जोन वापटीस्ट, महजो नाटकीस्त मित्र श्री हेनरी डी'सीलवा आनी प्रत्येक जावन श्री हेनरी डी'पावलाचो, तशेच नवीन कुलशेकर,आनी देवनागरी आनी कन्नड लिपिंत तिद्वण करून दिल्ला श्री एमियार वोंवई, हांकां हांव काळजां थावन उपकार भावुडता. ह्या म्हज्या नाटकांत अभीनायन केल्या हर्येका कलाकरांक हांव ऋणी जावनासां. अखेर कर्चा आधीं ह्या पुस्तकाक प्रसतावन वरवन म्हज्या कोंकणेचा वाव्राक होगोळसील्या श्री जे.वी. मोरायेसाक हांव अभारीं जावनासां.

देव बरें करूं

मोगाळ कोंकणी प्रेमी

आक्टोबर 27, 2002 **पिंताम देरेबैल**

ಅರ್ಪಣ್

ಹೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಪುಸ್ತಕ್, ಮ್ಹಜೊ ಪಯ್ಲೊ ನಾಟಕ್, ಮ್ಹಜೊ ಬೋನ್ ಪರ್ನೊ ಆನಿ ಮೊಗಾಳ್ ಮಿತ್ರ್ ಶ್ರೀ ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾಚಿ ಧುವ್ ದೆವಾಧಿನ್ ಪ್ರಿಯಾ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾಕ್ ಅರ್ಪಣ್ ಕರ್ತಾಂ. ಬೋವ್ ಲ್ಹಾನ್ ಪ್ರಾಯೆರ್, ಕಿಡ್ನೆಚ್ಯಾ ಪಿಡೆನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ತಾಣೆಂ ಸಾಂಡ್ಲೆಂ.

ಹೊ ನಾಟಕ್ ಬರೈತಾನಾ ತಾಕಾಚ್ಚ್ ಮತಿಂತ್ ದವರ್ನ್ ಹಾಂವೆಂ ತೊ ಬರೈಲೊ. ಆಜ್ ತೆಂ ಆಮ್ಚೆ ಮದೆಂ ನಾ. ತಾಚ್ಯಾ ಅತ್ಮ್ಯಾಕ್ ಶಾಂತಿ ಮಾಗ್ತಾನಾ ಹೆಂ ಲ್ಹಾನ್ ಪುಸ್ತಕ್ ತಾಚೊ ಅಮರ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪುಸ್ತಕ್ ನಾಟಕ್ ಪ್ರೇಮಿಂಚಾ ಮತಿಂತ್ ಸದಾಂಚ್ ಉರೊಂ ಮ್ಹಣ್ ಮಾಗ್ತಾಂ.

ಹ್ಯಾ ನಾಟಕಾಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಪ್ರಯೋಗ್, ತಶೆಂಚ್ ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ದೆವಾಧಿನ್ ಪ್ರಿಯಾ ಪಾವ್ಲಾಚಾ ಅಮರ್ ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಅರ್ಪಣ್ ಕರುಂಕ್ ಪರ್ವಣ್ಗಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀ ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾಕ್ ಹಾಂವ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.

ಆಕ್ಟೋಬರ್ 27, 2002

ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್

अर्पण

हें म्हजें पयलें पस्तक, म्हजो पयलो नाटक, म्हजो भोव पर्नो आनी मोगाळ मित्र श्री हेनरी डी'पावलाची धुव देवाधीन प्रिया डी'पावलाक अर्पण करतां. भोव लहान प्रायेर, किडनेचा पिडेन आपल्या कुटमाक ताणें सांडलें.

हो नाटक वरयताना ताकाच मतींत दवर्न हांवें तो वरयलो. आज तें आमचें मधें ना. ताचा अत्मयाक शांती मागताना, हें लहान पुस्तक ताचो अमर उग्डास आमची कोंकणी पस्तक नाटक प्रेमींचा मतींत सदांच उरों महण मागतां.

ह्या नाटाकाचो पयलो प्रयोग तशेंच हें पुसतक देवाधीन प्रिया पावलाचा अमार उग्डसाक अर्पण करुंक पर्वणगी दिल्लया श्री हेनरी डी'पावलाक हांव देव बरें करुं म्हणतां.

आक्टोबर 27, 2002 **पिंताम, देरेबैल**

ಪ್ರಕಾಶಕಾಚಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ

ಶ್ರೀ ವಾಲೆರಿಯನ್ ಪಿಂಟೊ (ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್) ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಕಲಾರಂಗಾಕ್ ಕಾಂಯ್ ನವೊ ನಹಿಂ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರಾಂ, ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿ ಆನಿ ರಂಗ್ ಮಂಚಾರ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ 32 (1970) ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ವಾವುರ್ನ್ ಆಸಾ. ತಾಕಾ ವಳ್ಕಾನಾತ್ಲೊ ಕೊಣ್‌ಯಿ ಆಸ್ಚೊ ನಾ.

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ತೆರಾವ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್‌ಚ್ ತಾಣೆ ಕಥಾ ಬರಂವ್ಕ್ ಸುರ್ವಾತ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ತಾಚಿ ಪಯ್ಲಿ ಕಥಾ 'ರ್‍ಹಿಲೊ' ಪತ್ರಾರ್ ಸಂಪಾದಕ್ ಜೊ.ಸಾ. ಆಲ್ವಾರಿಸಾನ್ ಪ್ರಕಟ್ಲೆಲಿ. ಶ್ರೀ ಜೊ.ಸಾ ಆಲ್ವಾರಿಸಾಕ್ ತೊ ಆಪ್ಲೊ ಗುರು ಮ್ಹಣ್ ಮಾನ್ತಾ. ನಾಟಕಾಂನಿ ಪಾತ್ರ್ ಘೆಂವ್ಕ್‌ಯಿ ತೊ ಪಾಟಿಂ ನ್ಹಯ್. ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ಲೊ ಫಾಮಾದ್ ಕಲಾಕಾರ್ ದೆವಾದಿನ್ ಎಡ್ವರ್ಡ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಹಾಕಾ ನಾಟಕ್‌ರಂಗಾಂತ್ ಮುಕಾರ್ ಹಾಡ್ಲೊ ಮ್ಹಣ್ತಾ ತೊ. ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿರ್ ಸಬಾರ್ ನಾಟಕ್ ತಾಣೆ ಪ್ರದರ್ಶಿಲ್ಯಾತ್. ಸಬಾರ್ ಕವಿತಾಂಯಿ ರಚ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಆನಿ ಕವಿ ಸಮ್ಮೇಳನಾಂನಿ ವಾಚ್ಲ್ಯಾಂತ್. 'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ' ಆನಿ 'ಹಾಂವ್ ಮನಿಸ್ ಜಾಲೊಂ'. ಹೆ ತಾಣೆ ಬರಯಿಲ್ಲೆ ದೋನ್ ನಾಟಕ್ ಭೋವ್ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚೆ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್.

ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಸಾಂ ಲುವಿಸ್ ಕೊಲೆಜಿಂತ್ ಬಿ.ಎ ಪದ್ವಿ ಜೊಡ್ನ್ ಮುಂಬಯ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಶ್ರಿ ಪಿಂತಾಮ್ 'ಲಾರ್ಸನ್ ಎಂಡ್ ಟುಬ್ರೊ ಕಂಪೆನಿಂತ್' ಪರ್ಸನೆಲ್ ಕೊರ್ಪೊರೆಟ್ ಆನಿ ಹೆಚ್ ಆರ್ ಡಿಪಾರ್ಟ್‌ಮೆಂಟಾಂತ್ ಆಫಿಸರ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಪಿಂತಾಮ್ ಆತಾಂ ಸ್ವನಿವೃತ್ತಿ ಜೊಡುನ್ ಘರಾ ಆಸಾ ಆನಿ ಆಪ್ಲೊ ವೇಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಮಾಜಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂತ್ ಖರ್ಚಿತಾ. 'ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ' ಹೊ ನಾಟಕ್ ದಿವೊ ಪ್ರಕಶನಾ ತರ್ಫೆನ್ ಪ್ರಕಟ್ ಕರುಂಕ್ ಆಮಿಂ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವ್ತಾಂವ್.

ಹ್ಯಾ ಮುಕಾರ್‌ಯಿ ಶ್ರೀ ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲಾ ಥಾವ್ನ್ ವಿಂಚ್ಣಾರ್ ನಾಟಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕೃತಿಯೊ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ಯೆಂವ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಶೆತಾಂವ್.

ದಿವೊ ಪ್ರಕಶಾನ ತರ್ಫೆನ್
ಲೊರೆನ್ಸ್ ಕುವೆಲ್ಲೊ.

प्रकाशकाचीं दोन उत्रां

श्री वलेरीयान पिंटो (पिंताम देरेवैल) मुंवयच्या कलारंगाक कांय नवो नहीं. कोंकणी पत्रां, आकाशवाणी आनी रंगमंचार पाटल्या 32 (1970) वर्सां थावन वावुरन आसा. ताका वळकानातलो कोणई आसचो ना.

आपल्या तेराव्या प्रायेरच ताणे कथा बरंवक सुर्वात केल्ली. ताची पयली कथा 'झेलो' पत्रार संपादक जो.सा. आल्वारीसान प्रकट्लेली. श्री जो.सा. आल्वारीसाक तो आप्लो गुरु म्हण मानता. नाटकांनी पात्र घेंवकई तो पाटीं न्हंय. मंग्ळुरांतलो फामाद कलाकार देवादीन एडर्वड क्वड्रासान ताका नाटक रांगांत मुकार हाडलो म्हणता तो. आकाशवाणीर सबार नाटक ताणे प्रदार्शील्यात. सबार कवीतांई रच्लयांत आनी कवी सम्मेळनांनी वाचल्यांत. 'म्हाका कित्याक दिसाना' आनी 'हांव मुनीस जालों' हे ताणे वरयील्ले दोन नाटक भोव आपुर्बायेचे जाव्नासात.

मंग्ळुरच्या सां लुवीस कोलेजींत बी. ए. पदवी जोडन मुंवय आयील्लो श्रि पिंताम लार्सान एंड टुवरो कंपेनींत पर्सानेल कोर्पोरेट आनी हेच आर डीपार्टमेंटांत आफीसर झावन आस्लो पिंताम आतां स्वनिवृती झोडुन घरा आसा आनी आप्लो वेळ कोंकणी समाजीक कार्यांत खर्चीता. 'म्हाका कित्याक दिसाना?' हो नाटक दीवो प्रकशना तर्फेन प्रकट करुंक आमी संतोस पावतांव.

ह्या मुकारई श्रि पिंताम देरेवैला थावन विंच्णार नाटक आनी हेर कृतीयो उजवाडाक येंव म्हण आशेतांव.

दिवो प्राकशान तर्फेन
लोरेन्स कुवोल्हो

ಶ್ರೀ ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್ ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಪರಿಚಯ್ 37 ವರ್ಸಾಂಚಿ. ಸದಾಂ ಮೆಳಾನಾತ್ಲ್ಯಾರಿ ಮಿತ್ರುತ್ವ್ ಆಜೂನಿ ಅಖಂಡ್ ಆಸಾ. ಪಿಂತಾಮ್ ಏಕ್ ಉತ್ತೀಮ್ ಕಲಾಕಾರ್ ದಿಗ್ದರ್ಶಕ್ ನಾಟಕ್ ಬರಯ್ಣಾರ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಆಯ್ಲ್ಯಾವಾರ್ ಗೊಂಯ್ಕಾರ್ ಭಾವಾಂ ಮದೆಂಯಿ ತಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಫಾಮಾದ್ ಜಾಲಾಂ. ತಾಚ್ಯಾ ನಟನಾಂತ್ ವಿಭಿನ್ನತ ಆಸೊನ್ ಪ್ರೇಕ್ಷಕಾಂಕ್ ಆಪ್ಣಾ ಥಂಯ್ ವೊಡ್ಚಿ ಸಕತ್ ಆಸಾ. ತಾಚೊ ಹೊ ನಾಟಕ್ "ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ" ಏಕ್ ಉತ್ತೀಮ್ ನಾಟಕ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

ನವೀನ್, ಕುಲ್ಶೇಕರ್.

"ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?" ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲ್ - ಹಾಚೊ ಪ್ರಥಮ್ ನಾಟಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪ್ರದರ್ಶನಾಂತ್‌ಚ್ ಪ್ರೇಕ್ಷಕಾಂಚಿಂ ಮನಾಂ-ಕಾಳ್ಜಾಂ ಜಿಕ್ಲಾಂ. ಹೊ ನಾಟಕ್ ಪಳೆಲ್ಲೊ ಹರ್ಯೆಕ್ಲೊಯಿ ಅಸೆಂಯಿ ಫುಡ್ಲ್ಯಾ ನಹಿಂಗಿ ಮ್ಹಣ್ ಚುರ್ಚುರ್ಲ್ಲಾ. ಎಕ್ಯೆ ಕಿಡ್ನಿ ಪಿಡೆಚ್ಯಾ ಧಾಕ್ಟುಲ್ಯಾ ಚಲಿಯೆಚೆರ್ ಆನಿ ಎಕ್ಯೆ ಧಾಕ್ಟುಲ್ಯಾ ಅಂದ್ಯ್ಯಾ ಚಲಿಯೆಚೆರ್ ಹೊಂದ್ವೊನ್ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೊ ಹೊ ನಾಟಕ್ ಪಳೆತಾನಾ ನಿಜಾಕ್‌ಯಿ ಅಂಗಾಚಿ ಲೋಂವ್ ಉಭಿ ಜಾತಾ. ಎಕ್ಯೆ ದೀಷ್ಟ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಧಾಕ್ಟುಲ್ಲ್ಯಾ ಧುವೆಚೆರ್ ಆವಯ್ನ್ ದಾಕಂವ್ಚಿ ಕಠೊರತಾ ಆನಿ ಬಾಪಯ್ಚಿಂ ಭಿರ್ಮತೆಚಿಂ ಶಿಂತಿಮೆಂತಾಂ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಕ್ ಆದರ್ಶ್ ದೇಖ್ ದಿತಾತ್.

ಹೆನ್ರಿ ಡಿ'ಪಾವ್ಲಾ
ಅಧ್ಯಕ್ಷ್
ಕಲಾಪ್ರಿಯಾ, ಮುಂಬಯ್

"ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?" ಪಿಂತಾಮ್ ದೆರೆಬೈಲಾಚೊ ನಾಟಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ನಿಜಾಕ್‌ಯಿ ಚಕಿತ್ ಜಾಲೊಂ. ಉತ್ತೀಮ್ ಕಾಣಿ, ಉತ್ತೀಮ್ ಸಂವಾದ್ ಆನಿ ಉತ್ತೀಮ್ ನಟನ್, ಪಿಂತಾಮಾನ್ ಹ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂತ್‌ಚ್ ಭರ್ಪೂರ್ ಹೊಗ್ಳಿಕ್ ಆಪ್ಣಾಯ್ಲ್ಯಾ. ಕಠೋರತಾ, ಗಂಭೀರತಾ ಆನಿ ಭಿರ್ಮತೆಚಿಂ ಸಿಂತಿಮೆಂತಾಂ ಹ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂತ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾತ್. ಹಾಚಿಂ ಶೆಂಭರೊಂ ಪ್ರದರ್ಶನಾಂ ಜಾಂವ್ಚಿತ್ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಸರ್ವ್ ಸಂಘ್-ಸಂಸ್ಥೆ ಮುಖಾರ್ ಯೆಂವ್ಚಿತ್ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾಂ.

ಬರ್ನಾಡ್ ಲೊ, ಕಾಂಜೂರ್‌ಮಾರ್ಗ್.

श्री पिंताम देरेवैल आनी म्हजी परीचय 37 वर्साची. सदां मेळानात्लयारी मित्रत्व आजूनी अखंड आसा. पिंताम एक उत्तीम कलाकार दिग्दर्शक, नाटक, बरयणार जाव्नामा. आय्लयावार गोंयकार बावां मधेंई ताचें नांव फामाद जालां. ताच्या नटानांत विभिन्नता आसोन प्रेक्षकांक आपणा थंय वोडची सकत आसा. ताचो हो नाटक 'म्हाका कित्याक दिसाना?' एक उत्तीम नाटक जावनासा.

नवीन, कुल्शेकर

'म्हाका कित्याक दिसाना?' पिंताम देरेवैल-हाचो प्रथम नाटक ताच्या प्रदर्शनांतच प्रेक्षकांची मनां काळजां जिकला. हो नाटक पळेल्लो हरयेकलो अशेंई घडता नईंगी म्हण चुग्चुग्ला एक्ये किडनी पिडेच्या धाक्टुल्या चलियेचेर आनी ऐक धाक्टुल्या आंदळया चलियेचेर होंदवोन माडून हाडूल्लो हो नाटक पळेताना निजाकई आंगाची लोंव उर्बी जाता. एक दीष्ट नातल्या धुवेचेर आवयन दाकवंची कठोरता आनी वापायर्चीं भिरमोतेचीं शिंतीमेंतां आयच्या समाजेक आदर्श देख दितात.

हेनरी डी. पावला
अध्यक्ष
कलाप्रिया, मुंबई

म्हाका कित्याक दिसाना? पिंताम देरेवौलाचो नाटक पळेवन चहांव चनिजाकुई चुकित जाल्ला. उत्तीम संवाद आनि उत्तीम नटन, पिंतामान ह्या ताच्या पटल्या नाटकांतच भरपूर होगळिक आपणायल्या. कटोरता गंभिरता आनी भिरमोतेचीं सिंतीमेंतां ह्या नाटकांत उटोन दिसतात. हाची शेंवोर प्रदर्शनां जांवदीत आनी ह्या खातीर सार्व संघ संसछे मुकार येंवदीत म्हण हांव मागतां.

बर्नाड लो, कांजूरमार्ग

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ

ಬರೈಣಾರ್   ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್ (ವಲೇರಿಯನ್ ಪಿಂಟೊ).

ಪಾತ್ರ್ ವರ್ಗ್

ವಿಲ್ಮಾ ಮಾರ್ಟಿಸ್ - 8 ವರ್ಸಾಂ

ಸೆಲಿನ್ ಮಾರ್ಟಿಸ್ - 70 ವರ್ಸಾಂ

ಡಾ. ಆಲೆಕ್ಸ್ ಕೊರ್ಡೆರೊ - 50 ವರ್ಸಾಂ

ವಿವಿಯಾನ್ ಮಾರ್ಟಿಸ್ - 50 ವರ್ಸಾಂ

ಜೆಸಿಂತಾ ಮಾರ್ಟಿಸ್ - 45 ವರ್ಸಾಂ

ಐಡಾ ದಾಂತಿಸ್ - 45 ವರ್ಸಾಂ



ಪಯ್ಲೊ ಭಾಗ್

ದೃಶ್ಯ್ ಏಕ್

[ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಕುಟ್ಮಾಚೆಂ ಅಂತಸ್ತ್ ಪಾಚಾರ್ಚಿ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ ಸಜವ್ನಿ. ವೇಳ್ ಸಾಂಜೆಚೊ. ಸ್ಟಿರಿಯೊಚೆರ್ ಸಂಗೀತ್ ವಾಜ್ತಾ. ರಂಗ್‌ಮಂಚಾ ಮಧೆಂ ಉಬೆಂ ರಾವೊನ್ ವಿಲ್ಮಾ ತ್ಯಾ ಸಂಗೀತಾಕ್ ತಾಳ್ ಪೊಡ್ಚ್ಯಾ ಭಾಶೆನ್ ನಾಚೊನ್ ಆಸಾ. ಪೊದ್ ಸಂಪ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಆಂದಾಜಾರ್ ವೊಚೊನ್ ಸ್ಟಿರಿಯೊ ಬಂಧ್ ಕರ್ತಾ. ಪಾಟಿಂ ಯೇವ್ನ್ ಸೊಪಾಚೆರ್ ಬೊಸ್ತಾ ಆನಿ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾನ್]

ವಿಲ್ಮಾ : AJJI - ಅಜ್ಜಿ

AJJI - ಅಜ್ಜಿ

महाका कितयाक दिसाना

वरयणार पिंताम देरेवौल (वालेरियन पिंटो)

पात्र वर्ग

विल्मा मार्टीस - 8 वर्सां

सेलीन मार्टीस - 70 वर्सां

डा आलेक्स कोर्डेरो - 50 वर्सां

विवियन मार्टीस - 50वर्सां

जेसींता मार्टीस - 45 वर्सां

ऐडा दांतीस - 45 वर्सां



पयलो भाग

दृश्य एक

[ग्रेस्त कुटमाचें अंतस्त पाचारची रंगमंच सजवणी. वेळ सांजेचो. स्टिरीयोचेर संगीत वाजता. रंगमाचा मदें उभें रावोन विल्मा त्या संगीताक ताळ पांडच्या भाशेन नाचोन आसा. पोद संपल्या उप्रांत अंदाझार वचोन स्टिरीयो बंध करता. पाटीं येवन सोपाचेर बसता आनी वोडल्यान]

विल्मा : A J J I - आज्री
A J J I - आज्री

M A I - ಮಾಂಯ್

VODLI MAI - ವ್ಹೊಡ್ಲಿಮಾಂಯ್

ವ್ಹೊಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್...

ಸೆಲಿನ್ : (ಕುಜ್ನಾ ಥಾವ್ನ್ ಪ್ರವೇಶ್) ಕಿತೆಂ ದೋನ್ ಸಬ್ದ್ ಇಂಗ್ಲಿಷಾಂತ್ ಉಲೊಂವ್ಕ್ ಶಿಕ್ಲೆಂಯ್. ತೆಚ್ಚ್ ಪರ್ತುನ್ ಪರ್ತುನ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಝುರಯ್ತಾಯ್‌ಗೊ ಪುತಾ?

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾಂವ್ ಇಂಗ್ಲಿಷಾಂತ್ ಖಂಯ್ ಉಲ್ಯೆಲ್ಯಾಂ ವಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಹಾಂವ್ ಆಪುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಉಲ್ಯೆಲಿಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ಆತಾಂ ಪುರೊ ಭಿತರ್ ಡಾಯ್ನಿಂಗ್ ರೂಮಾಂತ್ ವೊಚೊನ್ ನಾಸ್ಟೊ ಕರ್. ಹಾಂವ್ ಹಾಡ್ನ್ ಯೆತಾಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾಂವ್ ಭಿತರ್ ನಾಸ್ಟೊ ಕರಿನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಹಾಂಗಾಚ್ಚ್ ಹಾಡ್.

ಸೆಲಿನ್ : ಅಳೆ ಪುತಾ ಸಳ್ ಕರಿನಾಕಾ. ಬೊರೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ತುಂ. ಹಾಂಗಾ ಶಿಂಪುನ್ ಕಾಂಯ್ ಖತ್ ಪುಣಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತುಜ್ಯಾ ಆವಯ್ ಮುಖಾರ್ ಉಭೆ ರಾಂವ್ಚೆಂ ತ್ರಾಣ್ ಹ್ಯಾ ಮಾತಾರ್‍ಯಾ ಹಾಡಾಂನಿಂ ನಾ ಪುತಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ ಹರ್ಯೆಕ್ ಪಾವ್ಪಿಂ ತುವೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಹಾವೆಂ ಆಯ್ಕಾಜೆ. ಆಜ್ ಹಾಂವೆ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ತುಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಯ್ಕಾನಾಂಯ್? ಮಮ್ಮಿ ತುವೆಂ ಬೊರೆಂ ಕೆಲ್ಯಾರಿ ದೆಂಕ್ಣಿಂ ಗಾಲ್ತಾ. ವಾಯ್ಟ್ ಕೆಲ್ಯಾರಿ ತಿ ದೆಂಕ್ಣಿಂ ಘಾಲ್ತಾ. ತೆಂ ತಿಚೆಂ ಸದಾಂಚೆಂ ರಜಾರ್. ತಿ ತಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕರ್ತಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್?

ಸೆಲಿನ್ : (ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ನ್) ತುಂ ವಿಚಾರ್‌ಲೆಂಚ್ಚ್ ಸವಾಲ್ ಪರ್ತುನ್ ಪರ್ತುನ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ವಿಚಾರ್ತಾಯ್ ಮ್ಹಜಾ ಬಾಳಾ. ತುಜ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಜವಾಬ್ ನಾಂ. (ರಡ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾಂ : ತುಂ ರಡ್ತಾಯ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್. ಸೊರ್‍ರಿ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ತೆಂ ಸವಾಲ್ ತುಜೆಲಾಗಿಂ ವಿಚಾರಿನಾ. ತುಂ ರಡ್ತಾನಾ ಕಶಿ ದಿಸ್ತಾಯ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್?

ಸೆಲಿನ್ : ಹಾಂವ್ ರಡ್ತಾನಾ ಕಶಿಂ ದಿಸ್ತಾಂ! ತುಜಿ ಆವಯ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ದರ್ಬಾರ್ ಚಲಯ್ತಾನಾ ಕಶಿ ದಿಸ್ತಾ? ತುಜ್ಯಾ ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ದೆಂಕ್ಣ್ಯಾಕ್ ಭಿಯೆವ್ನ್ ಕಾಂಪ್ಚೊ ತುಜೊ ಬಾಪಯ್ ಕಸೊ ದಿಸ್ತಾ! ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ಪಳೆಂವ್ಚೆಂ ಭಾಗ್ ತುವೆಂ ಜಲ್ಮಾ ಥಾವ್ನ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಘೆತ್ಲಾಂಯ್ ಪುತಾ. ತುಜೆಂ ಹೆಂ ಆಂದ್ಳೆಂಪಣ್ ದೆವಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಫಾವೊ ಕರುಂಕ್ ನಾ!

ವಿಲ್ಮಾ : ಆಂದ್ಳೆಂಪಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್?

ಸೆಲಿನ್ : ತುಕಾ ಪಳೆ ಹಾಂವ್ ದಿಸಾನಾ...ತಾಕಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಆಂದ್ಳೆಂಪಣ್!

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್?

ಸೆಲಿನ್ : ವಿಲ್ಮಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭಾಂಗಾರಾ ತುಜ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮನಿಸ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ ಹಾಂವ್ ಜಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾ. ಪುಣ್ ಫಕತ್ತ್ ಸರ್ಗಾ ಸಂಸಾರಾಚೊ ರಚ್ನಾರ್, ತೊ ಸರ್ವೆಸ್ಪರ್ ದೇವ್ ಮಾತ್ರ್ ಜಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕಾತ್. ತುಕಾ ತಾಣೆಂ ಹ್ಯಾ ಪರಿ ಜಲ್ಮಾಂತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಾಡ್ಲಾಂ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ. ಪುಣ್ ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಫುಡ್ತಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ

MAI -मांय

VODLIMAI - व्होडलीमांय

वोडलीमांय...

लीन : [कुझना थावन प्रवेश] कितें दोन सध्ध इंगलीशांत उलोंवक शिकलेंय. तेंच्च पोर्तुन पोर्तुन कितयाक झरयतायगो पुता?

वेल्मा : हांव इगलीशांत खंय उलयल्यां वोडलीमांय हांव आपुट कोंकणेंत उलयलीं.

लीन : आतां पुरो डायनींग रूमांत वोचोन नाश्टो कर. हांव हाडन येतां.

वेल्मा : हांव भितर नाश्टो करीना म्हाका हांगाच हाड.

लीन : आळ पुता मळ करीनाका. वारें भुरगें तूं. हांगा शिंपुन कांय खत पुणी जाल्यार तुज्या आवय मुखार उभें गंवचें त्राण ह्या मातारया हाडांनीं नां पुता.

वेल्मा : व्होडर्लीमांय हरयेक पावटीं तुवें मांगल्लें हांवे आयकाजे. आज हांवे सांगल्लें तूं कितयाक आयकांनांय? मम्मी, तुवें वरें केल्यारी देंकणें गालता, तें तिचें सदांचें रजार. ती तशें कितयाक कर्ता व्होडलीमांय?

र्लीन : (विल्माक पटलुन धर्न) तूं विचारलेंच सवाल परतून-परतून म्हजेंलागीं कितयाक विचारताय म्हज्या वाळा. तुज्या ह्या सवालांक मुजेलागीं जवाव नां (रडता)

विल्मां : तूं रडताय व्होडर्लीमांय. सोररी आनी हांव तें सवाल तुजेलागीं विचारीना. तूं रडताना कशी दिसताय व्होडलीमांय?

लीन : हांव रडताना कशीं दिसतां! तुजी आवय ह्या घरांत दर्वार चलयताना कशी दिसता? तुज्या आवईचा देंकण्याक भियेवन कांपचो तुजो वापय कसो दिसता! हें सर्व पळेंवचें भाग तुवें जल्मा थावन होगडावन घेल्लयांय पुता. हें तुजें आंदळेपण देवान म्हाका कितयाक फावो करुंक ना!

विल्मां : आंदळेपण म्हळयार कितें व्होडर्लीमांय?

ोर्लीन : तुका पळे हांव दिसाना, ताका म्हणतात आंदळेपण!

वेल्मां : म्हाका कितयाक दिसाना व्होडलीमांय?

लीन : विल्मां म्हज्या भांगारा तुज्या ह्या सवालांक मनीस जाल्लीं हांव जाप दिंवक सकाना. पुण फकत सर्गा सांसारचो रचनार, तो सर्वेसपोर देव मात्र जाप दिंवक सकात. तुका ताणें ह्या परीं जल्मांत कितयाक हाडलां तें हांव नेणां. पुण तें कितें घडता आमच्या

ಬೊರ್ಯಾಕ್‌ಚ್ಚ್ ಜಾಯ್ಜಾಯ್. ತುಕಾ ಕುಡ್ಡೆಂ ರಚುನ್ ತುಜೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಕಾಂಯ್ ತರಿ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಬೊರೆಂಪಣ್ ಹಾಡ್ಚೊ ತಾಚೊ ಉದ್ದೇಶ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರ್ ಹಾಂವ್ ಚೆಡುಂ ಮ್ಹುಣ್ ಗಾಳಿ-ಶಿರಾಪ್ ದೀನಾಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜ ಮಮ್ಮಿ ಮ್ಹಜೊ ಮೋಗ್ ಕರ್ತಿಗೀ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್? ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್... ತುಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಉಲೈನಾಂಯ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್? ತುಕಾ ಮ್ಹಜೊ ರಾಗ್ ಆಯ್ಲೊ?

ಸೆಲಿನ್ : ಮ್ಹಾಕಾ ತುಜೆರ್ ರಾಗ್ ಕಸೊ ಯೆತೊಲೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭಾಂಗಾರಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ವಿಚಾರ್ತಾಯ್ ತ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಜವಾಬ್ ನಾ ತರ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗುಂ? ಆಂಗೊಣ್ಯಾ-ಸಾಂಗೊಣ್ಯಾನಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತುಜ್ಯಾ ಆವಯ್-ಬಾಪಯ್ಕ್ ಪಂದ್ರಾಂ ವರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಜೀವನಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತುಂ ಜಲ್ಮಾಲೆಂಯ್ ಆನಿ ತುಜ್ಯಾ ಯೆಣ್ಯಾನ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಚಿ ಸ್ಥಿತಿ ಅಶಿ ಜಾಲಿ. ಪಯ್ಲೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಸ್ವಾಭಿಮಾನಿ ತುಜಾ ಆವಯ್ ಥೈಂ ಅಸಲೆಂ ಅರ್ಗಾಂಟ್ ಆನಿ ಮುಗ್ರುರ್‌ಪಣ್ ಕಶೆಂ ಆಯ್ಲೆಂ,ತಾಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂ ಪಾತ್ರೆಲೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾ. ಪಯ್ಲೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ವಿಶೇಷ್ ಮೋಗ್ ಕರ್ಚೊ ಮ್ಹಜೊ ಪುತ್, ತುಜೊ ಬಾಪಾಯ್ ಆತಾಂ ತಾಚೊ ಪುರ್ತೊ ಗುಲಾಮ್ ಕಸೊ ಜಾಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಸಕಾನಾ. ಊಟ್ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಊಟ್, ಬಸ್ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಬಸ್ ಮಣ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಥಿತೆಕ್ ಪಾವ್ಲಾ. ಏಕ್ ದಾದ್ಲೊ ಜಾವ್ನ್, ತಾಚಿ ಹಿ ಸ್ಥಿತಿ ದೆಕ್ತಾನಾ,ಮ್ಹಾಕಾ ರಡೊಂಕ್ ಯೆತಾ. ಮ್ಹಜೊ ಪುತ್ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಜ್ ದಿಸ್ತಾ. ಕಿತ್ಲೊ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚೊ ಮ್ಹಜೊ ಪುತ್... ಕಿತ್ಲೊ ಧೈರಾಧಿಕ್ ತೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಆನಿಂ ಅಜ್...(ರಡ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : (ಆಜೆಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ನ್ ಸಾಸ್ಪೊನ್ ತಿಚಿಂ ದುಃಖಾಂ ಪುಸ್ತಾ) ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ತುಂ ರಡಾನಾಕಾ. ಪಳೆ ತುಂ ರಡ್ತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ರಡೊಂಕ್ ಯೆತಾ. ತುಂ ಆನಿ ಅಮ್ಚೊ ದಾಕ್ತೆರ್ ಸೊಡ್ನ್ ಕೊಣೀ ಮ್ಹಜೊ ಮೋಗ್ ಕರಿನಾಂತ್. ಆತಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಭೊಗಾನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸಾನಾ ತರ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಗ್ಳೆಂ ಸಮ್ಜಾತಾ. ಕಾಲ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ಜಾಣಾಂಯ್? ಆಫಿಸಾ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯೊಚ್ಚ್ ಡ್ಯಾಡಿನ್ ಯೇವ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ಲೆಂ. ಭಾಯ್ರ್ ಮಮ್ಮಿಚಾ ಗಾಡ್ಯೆಚೊ ಆವಾಜ್ ಆಯ್ಕೊನ್, ಸೊಡ್ನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ದಾಂವ್ಲೊ.

ಸೆಲಿನ್ : ವ್ಹಯ್ ಪುತಾ, ತೆಂ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಇಲ್ಲೊಚೊ ತರೀ ಮೋಗ್ ಜಿವಾಳೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾ. ಪುಣ್ ತುಜಿ ತಿ ಆವಯ್ ತಾಕಾ ತುಜೆಲಾಗಿಂ ಯೆಂವ್ಕ್ ದಿಂವ್ಚಿ ನಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಅಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ವ್ಹಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್? ಚೆಡುಂ ಜಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಜಿ ಚೂಕ್‌ವೆ? ಜೆಜುನ್ ಕೊಣಾಚ್ಯಾ ಪಾತ್ಕಾಂಚಿ ಶಿಕ್ಷಾ ಜಾವ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕುರ್ಡೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮೈಲಾಂ. ಮ್ಹಜೊ ತಿಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮೋಗ್ ಕರಿನಾಂತ್?

ಸೆಲಿನ್ : ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಅಶೆಂಚ್ ಪುತಾ. ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಎಕ್ಲೊ ಚೆರ್ಕೊ ಭುರ್ಗೊ ಜಾಯ್ ಮ್ಹುಣ್ ಹರ್ಯೆಕ್ ಆವಯ್-ಬಾಪಯ್ ಆಶೆತಾತ್. ತ್ಯಾ

वांरयकच जायजाय. तुका कुड्डें रचून तुजें थावन कांय तरी ह्या संसारांत वरेंपण हाडचो ताचो उद्देश जांवक पुरो.

विल्मां : म्हाका दिस्लें तर हांव चेड्डुं म्हण गाळी-शिराफ दिनास्ताना म्हजी मम्मी म्हजो मोग कर्तागी व्होडलीमांय? व्होडलीमांय तूं कितयाक उलयनांय व्होडलीमांय? तुका म्हजो राग आयलो?

सेलीन : म्हाका तुजेर राग कसो येतालो म्हज्या भांगारा? पुण तूं विचारताय त्या सवालांक म्हजेलागीं जवाब ना तर हांव कितें करुं? हांव तुका कितें सांगूं? आंगोणी - सांगोण्यानीं भुरगीं नातल्या तुज्या आवय-बापायक पंद्रां वर्सांच्या काजारी जिवाना उप्रांत तूं जल्मालेंय आनी तुज्या येणयाक ह्या घराची स्थिती आशी जाली. पयलें थावन स्वाभीमानी तुज्या आवय थंय असले अर्गांट आनी मुग्रुरपण कशें आयले, ताचें काळीज असें कसें पात्रले हांव नेणा. पयलें थावन बापायचो मोग कर्चो म्हजो पूत, तुजो बापय आतां ताचो पुर्तो गुलाम कसो जालो म्हण हांव सांगोंक सकाना. ऊट म्हणताना ऊट, बस म्हणताना बस म्हणच्या स्थितेक पावला. एक दादलो जावन, ताची ही स्थिती देकताना म्हाका रडोंक येता. म्हजो पूत म्हण सांगोंक म्हाका लज दिसता. कितलो आपुर्भायेचो म्हजो पूत कितलो देगधीक तो आस्लो आनीं आज (रडता)

विल्मां : (आजेक पोटलुन धर्न सार्पोन तिचीं दुखां पुसता) व्हडलीमांय तूं रडानाका, पळे तूं रडताना म्हाकाय रडोंक येता. तूं आनी आमचो दाकतेर सोड्न सोडन कोणी म्हजो मोग करीनांत. आतां म्हाका कितेंच भोगाना. म्हाका दिसाना तर कितें झालें. म्हाका सगळें समझाना. काल कितें झालें जाणांय. आर्फीसा थावन आयील्लोच ड्याडीन येवन म्हाका पोटलुन धर्लें. भायर मम्मीचो गाडयेचो आवाज आयकोन सोडन आपल्या कुडाक दांवलो.

सेलीन : व्हय पुता, तें हांव झाणां. ताच्या काळजांत इल्लोसो तरी मोग जिवाळोंक लागला. पुण तुजी ती आवय ताका तुजेलागीं येंवक दिवची ना.

विल्मां : असें कितयाक व्होडलीमांय? चेड्डुं झावन जल्मालें म्हजी चूकवे? जेजुन कोणच्या पातकांची शिक्षा झावन म्हाका कुर्डे झावन जलमलां. म्हजो तीं कितयाक मोग करीनांत?

सेलीन : ह्या संसारांत असेंच पुता. आपल्याच कुटमाचें नांव सांगोंक एकलो चेर्को भुरगो झाय म्हण हर्येक आवय बापय आशेनात. त्या भुरग्याक जल्म दिल्ली आवय आपुण

ಭುಗ್ರ್ಯಾಕ್ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲ್ಲಿ ಆವಯ್...ಆಪುಣ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ಗರ್ಭಾಂತ್ ಚೆಡುಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸತ್ ತ್ಯಾ ಘುಡಿಯೆ ವಿಸರ್ತಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾಂವ್ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ತ್ರಾಸ್ ದೀನಾ...ಮ್ಹಜಿ ಕಾಮಾಂ ಹಾಂವ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಣಾಂ. ಕೊಣ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆಧಾರಾವಿಣೆಂ ಹಾಂವ್ ಘರಾಂತ್ ಬೊವೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾಂ ತರ್ ಹಾಂವ್ ತಾಂಕಾಂ ಜಡ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್?

ಸೆಲಿನ್ : ತಾಂಚಾ ಪಾಯಾಂಕ್ ತುಂ ಆಡ್ ವಚಾನಾಂಯ್ ತರೀ ತಾಂಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ತುಂ ಜಡ್ ಜಾಲಾಂಯ್. ತಾಂಚಾ ಘುನಾಕ್ ಆನಿ ಮಾನಾಕ್ ವಾಯ್ಟ್ ತಿಬೊ ಜಾಲಾಂಯ್. (ದಾರಾಚಿ ಬೆಲ್ಲ್ ವಾಜ್ತಾ)

ಆಯ್ಲಿ ಮಾಂಡೆಮಾರ್... ಆಜ್ ಕಸಲೆಂ ನವೆಸಾಂವ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಘೆವ್ನ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ಮಮ್ಮಿ-ಡ್ಯಾಡಿ ಯೆಂವ್ಕ್‌ನಾಂತ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್!

ಸೆಲಿನ್ : ತೆಂ ತುಕಾ ಕಶೆಂ ಕಳ್ಳಾಗೊ ಪುತಾ. ಮಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕಳಾನಾ?

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ತುಂ ಆತಾಂ ಮಾತಾರಿ ಜಾಲ್ಯಾಯ್ ದೆಕುನ್ ತುಕಾ ಕಳಾನಾ. ಡಾಕ್ಟರ್ ಅಂಕಲ್ ಆಯ್ಲಾ. ಹಾಂವ್ ದಾರ್ ಕಾಡ್ತಾಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ರಾವ್ ಪುತಾ ಹಾಂವ್ ದಾರ್ ಕಾಡ್ತಾಂ. ತುಂ ದಾಂಟೊನ್ ಪೊಡಾನಾಕಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್...! (ಜೊರಾನ್ ಬೊಬಾಟುನ್ ರಡ್ತಾ. ಸೆಲಿನ್ ಗುಸ್ಪೊಡ್ತಾ. ತಿಕಾ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ತೆಂ ಕಳಾನಾ. ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಪಳೆತಾ. ತಾಚೆಂ ಲಾಗಿಂ ವೆತಾ. ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮ್ಹನ್ ಬದ್ಲುನ್ ದಾರಾ ಕಡೆನ್ ವೊಚೊನ್ ದಾರ್ ಉಘಡ್ತಾ. ಡಾ|ಆಲೆಕ್ಸ್ ಪ್ರವೇಶ್)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ಆಂಟಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾ ಬಾಯೆಕ್. ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತೆಂ ಬೊಬಾಟ್ಲೆಂ? ಆನಿ ತೆಂ ರಡ್ತಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್?

ಸೆಲಿನ್ : ಮ್ಹಾಕಾ ಕಾಂಯ್ ಸಮ್ಜಾನಾ ಪುತಾ. ತೆಂ ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತ್ಯಾ ಪರಿಂ ಬೊಬಾಟ್ಲೆಂ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಪರಿಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ರಡ್ತಾ ತೆಂ. ಮ್ಹಜೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಚೂಕ್ ಘಡ್ಲಿ ಹಾಬಾ? (ವಿಲ್ಮಾ ಆಪ್ಲೆಂ ರಡ್ಣೆಂ ಥಾಂಬೈನಾ)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಚೆರ್ ಹಾತ್ ಉಕಲ್ಚಿ ಖಂಡಿತ್ ನ್ಹಂ. ತರ್ ತಾಣೆಂ ಅಶೆಂ ಕರುಂಕ್ ತುಮ್ಚೆ ಮಧೆಂ ಘುಡ್ಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರೀ ಕಿತೆಂ! ಬಾಯೆ ವಿಲ್ಮಾ, ತುಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಬೊರೆ ಚೆಡುಂ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ತೆಂ ಸಾಂಗ್.(ವಿಲ್ಮಾಂ ಆಪ್ಲೆಂ ರಡ್ಣೆಂ ಥಾಂಬೈನಾ-ಜವಾಬೀ ದೀನಾ ದಾಕ್ತೆರ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲೆಂ ಚೊಕ್ಲೆಟ್ ಕಾಡ್ನ್ ಹಾತಿಂ ಧರ್ತಾ)

ಒಹೋ ಆತಾಂ ಕಳ್ಳೆಂ ಮಾಕಾ...ತುಕಾ ಹಾವೆಂ ಚೊಕ್ಲೆಟ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ರಾಗ್...(ವಿಲ್ಮಾಂ ಚೊಕ್ಲೆಟ್ ಕಾಣ್ಫೆನಾ. ಕಸ್ಕಸೊನ್ ರಡ್ತಾ)

ಸೆಲಿನ್ : ಅರೆ ಮಾಲಾಮತ್ ಜಾಲಿಮೂ. ಹಾವೆಂ ಕಾಂಯ್ ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ, ತಾಕಾ ಕಾಂಯ್ ಉಲೈನಾಸ್ತಾನಾ...

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ರಾವ್ ಆಂಟಿ ಆತಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮ್ಜಾಲೆಂ. ತುವೆಂ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ತಾಕಾ ದುಕೈಲಾಂಯ್.

आपल्या आवयच्या गर्भांत चेडूं भुर्गें झावन जल्मालीं म्हळ्ळें सत त्या घडीये विसर्ता.

विल्मां : हांव कोणायकी त्रास दिना ... म्हजीं कामां करुंक हांव जाणां. कोणाचाच आधाराविणें हांव घरांत वांवोंक सकतां तर हांव तांकां जड कितयाक?

सेलीन : तांच्या पायांक तूं आड वचानांय तरी तांच्या दोळयांक तूं जड झालांय. तांच्या घनाक आनी मानाक वायट तिवो झालांय.
(दाराचीं बेल्ल वाजता)
आयली मांडेमार आज कसलें नवेसांव सांगता घेवन आयली म्हण पळेंवक जाय.

विल्मां : मम्मी-ड्याडी येंवकनांत व्होडलीमांय!

सेलीन : तें तुका कशें कळतागो पुता. म्हाका कितयाक कळाना

विल्मां : व्होडलीमांय तूं आतां म्हातारी जाल्याय देकुन तुका कळाना. डाकटार आंकल आयला हांव दार काडतां.

सेलीन : राव पुता हांव दार काडतां, तूं दांटोन पडानाका.

विल्मां : व्होडलीमांय...! (जोगन वोंवाटुन रडता सेलीन गुसपोडता. तिका कितें कर्चें तें कळाना. एक पावटीं विल्माक पळेता. ताचेंलागीं वेता. उप्रांत मन वदूलून दारा

कडेन वोचोन दार उघडता. डा। आलेक्स प्रवेश)

आलेक्स : कितें झालें आंटी आम्चया विल्मा बायेक. कितया खातीर तें वोवटल्लें? आनी तें रडता कितयाक?

सेलीन : म्हाका कांय समझाना पुता. तें कित्या खातीर त्य परी वोवाटलें आनी ह्या परी कितें रडता तें. म्हजें थावन कितें चूक घडली हावा?
(विल्मा आपलें रडणें थांवयना)

आलेक्स : तूं ह्या भुरगयाचेर हात उकल्वी खंडीत नहीं. तर ताणें अशें करुंक तुमचें मधें घडलें झाल्यारी कितें? बाय विल्मां, तूं म्हजें बरें चेडूं कितें झालें तें सांग.
(विल्मा आपलें रडणें थांवेना-जवाव-ई दीना दाकतेर आपलया बोल्यांतलें चोकलेट काडन हातीं धरता)
आ-हो आतां कळ्ळें म्हाका... तुका हावें चोकलेट दींवक ना म्हळो राग
(विल्मा चोकलेट काण्घेना. कस्कसोन रडता)

सेलीन : अरे मालामत झाली मू. हावें कांय करीनास्ताना तांकां कांय उलयनास्तां...

आलेक्स : राव आंटी, आतां म्हाका सम्झालें. तुवें खंडीत झावन उत्रांनी दुखयलांय.

ಸೆಲಿನ್ : ಹೆಂ ತುಂ ಕಿತೆಂ ಉಲೈತಾಯ್ ಆಲೆಕ್ಸ್. ಹಾಂವೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾ ಕುಡ್ಕ್ಯಾಕ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ದುಕೈಲಾಂ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ ತುಜೊ ಇರಾದೊ ತಾಕಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ದುಃಖಂವ್ಚೊ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಪುಣ್ ತುಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ತಾಕಾ ದುಃಖ್ಲಾಂ ತೆಂ ಖಂಡಿತ್. ತುವೆಂ ಶೆವ್ಟಿಂ ತಾಚೆಲಾಗಿಂ ಉಲ್ಲೈಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ?

ಸೆಲಿನ್ : ತುವೆಂ ದಾರಾಚಿ ಬೆಲ್ಲ್ ವಾಜಾಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಪುಣ್ ದಾರ್ ಕಾಡ್ತಾಂ ಮ್ಹಣಾಲೆಂ. ಹಾಂವೆಂ ಮೊಗಾನ್ ತುಂ ಕಾಡಿನಾಕಾ ಪುತಾ ...ದಾಂಟೊನ್ ಪಡ್ಶಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಇತ್ಲೆಂಚ್...

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆನಿಂ ಇತ್ಲೆಂಚ್ ತ್ಯಾ ತನ್ರ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ದುಃಖಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾ ಆಂಟಿ. ತುವೆಂ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾ ತಾಚಾ ಸ್ವಾಭಿಮಾನಾಚೆರ್ ಘಾಯ್ ಕೆಲೊಯ್.ತೆಂ ಕೊಣಾಚಾಚ್ಯ್ ಕುಮ್ಕೆವಿಣೆಂ ಆಪ್ಲಿಂ ಕಾಮಾಂ ಕರುಂಕ್ ಆಶೆತಾ ಆನಿ ಶಿಕ್ತಾ. ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್ ತೆಂ ಘುರಾ ಭಿತರ್ ಕೊಣಾಚಾಚ್ ಆಧಾರಾವಿಣೆಂ ವ್ಹಚೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾ. ಜರ್‌ತರ್ ಸರ್ವ್ ವಸ್ತು ಆಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಆಸ್ತಿತ್... ತ್ಯೊ ತೆಂ ಘೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಾ. Am I Right My Dear Baby (ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ನ್ ತಾಚಾ ಗಾಲಾಂಚೊ ಉಮೊ ಘೆತಾ ಆನಿ ತಾಚಿಂ ದುಃಖಾಂ ಪುಸ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಯ್ ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್....ಸಾರ್ಕೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂಯ್ ತುವೆಂ.ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಆನಿಕೀ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಸಮ್ಜಾನಾ? ಹಾಂವ್ ತುಮ್ಚೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಆಶೆನಾ...ತುಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೋಗ್ ದಿಯಾ ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ಪುರೊ.

ಸೆಲಿನ್ : ಹಾಂಚಿಂ ಜಾಣ್ವಾಯೆ ಭರಿತ್ ಉತ್ರಾಂ ...ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್... ತೆಂಯ್ ಹ್ಯಾ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಂತ್! ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಮ್ಹಜಿ ಲಜ್ ದಿಸ್ತಾ. ಆಮಿ ಜಾಣ್ತೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಥೊಡೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ನೆಣಾರ್ಯಾ ಭಾಶೆನ್ ಕರ್ತಾಂವ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾಫ್ ಕರ್ ಪುತಾ ಆನಿ ಕೆದಿಂಚ್ ದುಃಖಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಬರಿ ಕರ್ಚಿಂ ನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಚಿ ಸ್ಮರಣ್ ಸಕತ್ ವಿಶೇಷ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಆಂಟಿ. ಆಪ್ಲೊ ಏಕ್ ವಿಸ್ಮೊ ಹೊಗ್ಡಾಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ದೆವಾನ್ ಹೆಂ ದೆಣೆಂ ಫಾವೊ ಕೆಲಾಂ. ಮುಖಾರ್ ಹೆಂ ತಾಕಾ ಉಪ್ಕಾರಾಕ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ತುಂ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಉಬೊಚ್ ಆಸಾಯ್. ಬಸ್ ಪುತಾ, ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಚ್ಹಾ ಹಾಡ್ತಾಂ. (ಸೆಲಿನ್ ಕುಜ್ನಾಕ್ ವೆತಾ. ದಾಕ್ತೆರ್ ಸೊಫಾಚೆರ್ ಬಸ್ತಾ. ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಲಾಗಿಂ ಘೆತಾ)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆಜ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ನವೆಂ ಲಿಸಾಂವ್ ಶಿಕಯ್ತಾಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಂ ಶಿಕಯ್ ಆಂಕಲ್. ಹಾಂವ್ ಶಿಕೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ಆಸಾಂ. ಪುಣ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಚೊಕ್ಲೆಟ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಕಾ ಆಜ್ ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಚೊಕ್ಲೆಟ್ ಮೆಳ್ಚೆಂನಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತುವೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ದುಕೈಲಾಂಯ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾವೆಂ ತುಕಾ ಕಶೆಂ ದುಕೈಲಾಂ ಡಾ। ಆಂಕಲ್! ಮ್ಹಾಕಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಮಾತ್ಸ್ ರಾಗ್ ಆಯ್ಲೊ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವ್ ಸದಾಂ ತುಜಾ ಘುರಾ ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಯೆತಾಂ?

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಮೆಳೊಂಕ್, ಲಿಸಾಂವ್ ಶಿಕೊಂವ್ಕ್, ಡ್ಯಾಡಿಕ್ ಲೆಕ್ಚರ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಆನಿ ಮಮ್ಮಿಚ್ಯೊ ಗಾಳಿ ಆಯ್ಕೊಂಕ್.

सेलीन : हें तूं कितें उलयताय आलेक्स. हांव म्हज्या काळजा कुडक्याक उत्रानीं दुखयलां?

आलेक्स : झांवक पुरो तुझो इरादो ताका उत्रांनी दुखंवचो नहीं आस्लो. पुण तुज्या उत्रांनी ताका दुखलां तें खंडीत. तुवें शेवटीं ताचेलागीं उलयलीं उत्रां?

सेलीन : तुवें दारचीं बेल्ल वाजायताच आपुण दार काडतां म्हणलें. हांवें मोगान तूं काडीनाका पुता... दांटोन पड्शी म्हळें इतलेंच...

आलेक्स : आनीं इतलेंच त्या तरन्या काळजाक दुखांवक पाव्ता आंटी. तुवें चिंतिनासताना ताचा स्वाभीमानाचेर घाय केलोय. तें कोणाचाच कुमकेविणें आपलीं कामां करुंक आशेता आनीं शिकता. तूं झाणांय तें घरा भितर कोणाचाच आधाराविणें व्हचोंक सकता. जरतर सर्व वस्तु आपापल्य जागयार आस्तीत त्यो तें घेंवक सकता. Am I right my dear baby (चेडवाक पोटलुन धर्न ताचा गालांचो उमो घेता आनी ताचीं दुखां पुसता)

विल्मा : व्हय डाकटर अंकल, सार्के सांगलेंय तुवें. ह्या म्हज्या व्हडलीमांयक आनीकी कितयाक समझाना? हांव तुमचें थावन कितेंच आशेना, तुमी म्हाका मोग दिया तित्लेंच पुरो।

सेलीन : हांचो जाणवाये भर्गत उत्रां आट वर्सांच्या प्रायेर तेंय ह्या परीस्थितेंत! म्हाकाच म्हजी लज दिसता. आमी जाणतीं झावन थांडें पावटीं नेणारया भाशेन कर्तांव. म्हाका माफ कर पुता आनी कदींच दुखंवच्या वरी कर्चीं ना.

आलेक्स : आमच्या विलमाचो स्मरण सकत विशेप झावनासा आंटी. आपलो एक विस्वो होगडायल्या ताका देवान हें दणें फावो केलां. मुखार हें ताका उपकाराक पडतेलें.

सेलीन : तूं आयील्लो ऊबांच आसाय. बस पुता, हांव तुका चहा हाडतां.
(सेलीन कुजनाक वेता दाकतेर सोफाचेर बसता. विल्माक लागीं घेता)

आलेक्स : आज हांव तुका नवें लिसांव शिकयता.

विल्मा : तूं शिकय अंकल, हांव शिकोंक तयार आसां. पुण पयलें चोकलेट.

आलेक्स : तुका आज म्हजे थावन चोकलेट मेळचेंना कितयाक तुवें म्हाका दुखयलांय.

विल्मा : हावें तुका कशें दुखयलां डा। अंकल! म्हाका व्होडलीमांयच्या उत्रांचो मात्र राग आयलो.

आलेक्स : हांव सदां तुज्या घरा कितया खातीर येतां?

विल्मा : म्हाका मेळोंक, लिसांव शिकोंवक, ड्याडीक लेकचर दिंवक आनी मम्मीच्यो गाळी आयकोंक.

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಬೊರೆಂ ಹುಶಾರ್ ಜಾಲಾಂಯ್. ತುಜ್ಯಾ ಮಮ್ಮಿ-ಡ್ಯಾಡಿ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ತುವೆಂ ತಶೆಂ ಉಲೊಂವ್ಚೆಂ ನಹಿಂ. ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಕಯ್ತಾ. ಬೊರೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್... ಬೊರಿ ಉತ್ರಾಂ ಉಲಂವ್ಕ್ ತುಕಾ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಚೆರ್ ಉಬೆಂ ರಾವಾಶೆಂ ಕರುಂಕ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾಂವ್ ತಶೆಂ ಕರಿನಾಂಗಿ ಅಂಕಲ್?

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಬೊರೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ವ್ಹಯ್. ಪುಣ್ ಥೊಡೆ ಪಾವ್ಟಿಂ ಗರ್ಜೆವಿಣೆಂ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಸತೈತಾಯ್ ಆನಿ ತಿಕಾ ದುಕೈತಾಯ್. ತುವೆಂ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಸತೈಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಲಿಸಾಂವ್ ವ್ಯರ್ಥ್ ಜಾತಾ ನ್ಹಂವೆ.ತುವೆಂ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್‌ಚೆರ್ ರಾಗ್ ಕೆಲೊಯ್...ಸಳ್ ಕೆಲೆಂಯ್... ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ತುವೆಂ ಜಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾಂಯ್. ದೆಕುನ್ ತುಕಾ ಆಜ್ ಚೊಕ್ಲೆಟ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಐ ಎಮ್ ಸೊರ್ರಿ ಅಂಕಲ್ (ದಾಕ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಗಾಲಾಚೊ ಉಮೊ ಘೆತಾ ಆತಾಂ ತುಂ ಖಂಡಿತ್ ದಿತಲೊಯ್.)

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ಮೊಸ್ಕೊ ಲಾಂವ್ಕ್ ಬರೆಂ ಜಾಣಾಂಯ್ ತುಂ. ತುಕಾ ಏಕ್ ಬರಿ ಖಬಾರ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಾಕಾ.

ಸೆಲಿನ್ : (ಚ್ಯಾಯೆಚೆಂ ಕಪ್ ಘೆವ್ನ್ ಪ್ರವೇಶ್) ಕಸಲಿ ಬರಿ ಖಬಾರ್ ಹಾಬಾ ತುಮ್ಚೆಂ ಮಧ್ಲಿ?

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ಆಮ್ಚೆಂ ಮಧ್ಲಿ ನಹಿಂ. ವಿಲ್ಮಾ ಬಾಯೆ ಖಾತಿರ್ ಖುಶೆಚಿ ಖಬಾರ್ ಆನಿ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಸಾಂದ್ಯಾಂನಿ ಜಾಣಾ ಜಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ತಸಲಿ.

ಸೆಲಿನ್ : ಕಸಲಿ ಹಾಬಾ ತಸಲಿ ಖಬಾರ್?

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತುಜಾ ಪುತಾನ್...ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಚಾ ಬಾಪಾಯ್ನ್... ಹಾಚೆ ಖಾತಿರ್ ಏಕ್ ಗವರ್ನೆಸ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆದೇಶ್ ದಿಲ್ಲೊ. ಜಾಯ್ತೆಂ ತಲಾಸ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಏಕ್ಲೆಂ ಸಾಂಪಡ್ಲಾಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಗವರ್ನೆಸ್ ಕಿತ್ಯಾ ಅಂಕಲ್? ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ.

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತಿ ತುಜಾ ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಇಚ್ಛಾ ಪುತಾ. ತುಜಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಆತಾಂ ಚಡ್ ಕಾಮಾಂ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಂತ್ ಪಳೆ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ಥೊಡೆ ಪಾವ್ಟಿಂ ಥೊಡ್ಯೊ ಸಂಗ್ತಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಪಾಯ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಘಡ್ಟಾತ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತೆಂ ಪುಣಿ ಸಾರ್ಕೆಂಮೂ ಆಲೆಕ್ಸ್. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ವಿವಿಯಾನಾನ್ ಜೆಸಿಂತಾಚಿ ಪರ್ವಣ್ಗಿ ಘೆತ್ಲ್ಯಾವೆ?

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ ಆಂಟಿ. ತೊ ಹ್ಯಾ ಘರ್ಚೊ ಧನಿ. ತಾಚೊ ಆಧೇಶ್ ಮಾಂದ್ಚೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಕರ್ತವ್ಯ್. ತಾಂಚಾ ಘೊವಾ-ಬಾಯ್ಲೆ ಮಧ್ಲೊ ವಹಿವಾಟ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್?

ಸೆಲಿನ್ : ಚೆಡುಂ ಕೋಣ್.... ಖೈಂ ರಾವ್ತಾ... ಕಿತ್ಲೆಂ ಶಿಕ್ಲಾಂ...?

ವಿಲ್ಮಾಂ : ತುಂ ಇತ್ಲಿ ಸವಾಲಾಂ ಎಕ್‌ಚ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಿಚಾರ್ತಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಡಾ.ಅಂಕಲ್ ಕಸೊ ಜವಾಬ್ ದಿತಲೊ?

ಅಲೆಕ್ಸ್ : ತೆಂ ಚೆಡುಂ ನ್ಹಂಯ್ ಆಂಟಿ. ತಿ ಮಾಧ್ಯಮ್ ಪ್ರಾಯೆಚಿ ಏಕ್ ಬಾಯ್ಲ್. ತಿಚೊ ಘೊವ್ ಅಯ್ಲೆನಾರ್ ರೈಲ್ ಆವ್ಘಡಾಂತ್ ಅಂತರ್ಲೊ.ತಿಚೆಂ ಏಕ್ಲೆಂಚ್ ಧುವ್ ಕಿಡ್ನೆಚಾ ಪಿಡೆಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ವಳ್ವಳ್ತಾ. ತಿಕಾ ಕಾಮಾಚಿ ಅಧಿಕ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ.

आलोक्स : तूं वरें हुशार झालांय. तुज्या मम्मी-डयाडी विश्यांत तुवें तशें उलोंवचें नहीं. हांव तुका कितें शिकयतां. वरें भुर्गें झांवक, वरीं उत्रां उलोंवक, तुका तुज्या पायांचेर उवें रावाशें करूंक.

विल्मा : हांव कितें करीनांगी अंकल?

आलेक्स : तूं वरें भुर्गें व्हय. पुण थोडे पावटीं गर्जेविणें तूं तुज्या व्होडलीमांयक सतैताय आनी तिका दुखयताय. तुवें दुस्त्रयांक सतैलयार म्हजें लिसांव व्यर्थ जाता नंयवे. तुवें व्होडलीमांयचेर राग केलोय सळ केलेंय म्हज्या सवलांक तुवें जाप दिंवक नांय. देकुन तुका आज चोकलेट दिंवक ना.

विल्मा : आय एम सोर्री अंकल (दाकतेराच्या गालाचो उमो घेता आतां तूं खंडीत दीतोलोय.)

आलेक्स : सोस्को लांवक वरें जूणांय तूं. तुका एक वरी खवार सांगोंक आसा म्हाका.

सेलीन : (च्हायेचें कप घेवन प्रवेश) कसली वरी खवार हावा तुमचे मदलीं?

आलेक्स : आम्चें मदली नहीं. विल्मा वाये खातीर खुशेची खवार आनी घरच्या सर्व सांदयांनी जाणा झांवक झाय तसली.

सेलीन : कसली हावा तसली खवार?

आलेक्स : तुज्या पुतान ...ह्या चेडवाच्या वापायन... हाचे खातीर एक गवरनेस पळेवंक म्हाका आदेश दिल्लो. जायतें तलास केल्या उप्रांत म्हाका एकलें सांपडलां!

विल्मा : म्हाका गवर्नेस कितया अंकल? म्हाका नाका.

आलेक्स : ती तुज्या वापयाचीं इच्छा पुता. तुज्या व्हडलीमांयकी आतां चड कामां करूंक जायनांत पळे. त्या देकुन थोडे पावटीं थोडयो सोगती आमच्या पायद्या खातीर घडतात.

सेलीन : तें पुणी सार्केसू आलेक्स. पुण ह्या विश्यांत विवियानान जेसींताची पर्वणगी घेतल्यावे?

आलेक्स : तें हांव नेणां आंटी. तो ह्या घरचो धनी. ताचो आधेस मांदचें म्हजें कर्तव्य. तांचा घोवा वायले मदलो वहीवाट म्हाका कितयाक?

सेलीन : चेडूं कोण... खंय रावता... कितलें शिकलां..?

विल्मा : तूं इतलीं सवालां एकच पावटीं विचार्शी जाल्यार डा। अंकल कसो जवाव दितलो?

आलेक्स : तें चेडूं नहीं आंटी. ती माद्यास प्रायेची एक वायल. तिचो घोव आयलेवार रेल आव्घडांत अंतर्लो. तिचें एकलेंच धुव किड्नेचा पिडेंत आमच्या आस्पत्रेंत वळवळता. तिका कामाची अधीक गर्ज आसा. पंद्रां वर्सां प्रायेचें तें सोभीत आंजाळ चेडूं मोर्नाकडेन

ಪಂದ್ರಾಂ ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯೆಚೆಂ ತೆಂ ಸೊಭಿತ್ ಆಂಜಾಳ್ ಚೆಡುಂ ಮೊರ್ನಾಕಡೆನ್ ಝುಜ್ತಾನಾ ಪಳೆತೆಲ್ಯಾಂಚೆಂ ಮನ್ ಕಡ್ತಾ ಆಂಟಿ.

ಸೆಲಿನ್ : ತಾಕಾ ಬೊರೆಂ ಕರುಂಕ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾನ್ ಜಾಯ್ನಾಂಗೀ ಪುತಾ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಾಚ್ಯೊ ದೊನೀ ಕಿಡ್ನಿ ಪಾಡ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್. ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ನ್ಹಂ....ಹಿ ಕೇಸ್ ತಡವ್ ಕರ್ನ್ ಆಮ್ಚೆಲಾಗಿಂ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾನ್....ತಾಕಾ ಮೊರ್ನಾ ಶಿವಾಯ್ ದುಸ್ರಿ ವಾಟ್ ನಾ. ಡಾಯಾಲಿಸಿಸಾಚೊ ಖರ್ಚ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಧರ್ಮಿಷ್ಟಾಂನಿ ವಾಪ್ರೆಲಾ. ಪುಣ್ ತಾಣೆಂ ಬೊಗ್ಚಿ ತಿಂ ದೂಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ದುಸ್ಮಾನಾಂಕಿ ನಾಕಾ.ತಿ ಆವಯ್ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ದಾಕಾಯ್ನಾ ತರಿ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಕಿತ್ಲಿ ಖರ್ಗಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ಕೊಣೀ ಕಿಡ್ನಿ ದಾನ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ತಾಣೆ ವಾಂಚ್ಚೊ ಸಂಭವ್ ನಾಂವೆ ಪುತಾ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ :ತೆಂ ಆತಾಂ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ ಆಂಟಿ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆತಾಂ ವೇಳ್ ಉತಾರ್ಲಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಕಿಡ್ನಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಡಾ.ಅಂಕಲ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಆನ್ಯೇಕ್ ಪಾಪ್ಟಿಂ ಸಾಂಗ್ತಾಂಗೊ ಬಾಯೆ
(ಗಾಡ್ಯೆಚೊ ಆವಾಜ್... ಹೊರ್ನ್ ...ದಾರಾಚಿ ಬೆಲ್ಲ್)
ತುಜೊ ಡ್ಯಾಡಿ ಆಯ್ಲೊ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸ್ತಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ತು ದಾರ್ ಕಾಡುಂಕ್ ವಚಾನಾಕಾ. ಹಾಂವ್ ಕಾಡ್ತಾಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ತುಂಚ್ ಕಾಡ್‌ಗೊ ಬಾಯೆ. ಪರ್ತುನ್ ಹಾಂವ್ ತ್ಯಾ ರಗ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ವಚಾನಾ.
[ವಿಲ್ಮಾಂ ಆಂದಾಜಾರ್ ದಾರಾ ಕಡೆನ್ ವೆತಾ, ದಾರ್ ಕಾಡ್ತಾ. ಆಪ್ಲ್ಯಾಚ್ ಚಿಂತ್ನಾಂನಿ ಬುಡೊನ್ ಬಿತರ್ ಸರ್‌ಲ್ಲೊ ವಿವಿಯಾನ್ ವಿಲ್ಮಾಂಕ್ ಆದಾಳ್ತಾ. ವಿಲ್ಮಾಂ ಉದಾರೆಂಚ್ ಪಡ್ತಾ. ಉಜ್ವ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ತಾಚಾ ಬ್ರೀಪ್‌ಕೇಸ್ ಆಸ್ತಾ. ದಾವ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ತೊ ಉಬೆಂ ಕರ್ತಾ]

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಾಂವ್ ಭಿತರ್ ಸರ್ತಾನಾ ತುಜೆಂ ತೆಂ ಮುಡ್ಡಾರ್ ತೊಂಡ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಾಕೈನಾಕಾ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಳನಾಂಗೊ? ದಾರ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಘರಾಂತ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಂ ನಾಂತ್‌ವೇ?
(ತಾಚಾ ದೆಂಕ್ಣ್ಯಾಕ್ ವಿಲ್ಮಾಂ ಥರ್ಥರ್ತಾ. ಹುಸ್ಕಾರೊನ್ ಎಕಾ ಕುಶಿನ್ ಉಬೆಂ ಜಾತಾನಾ ದಾಕ್ತೆರ್ ತಾಕಾ ಆರಾಯ್ತಾ)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದೆಂಕ್ಣೆಂ ಘಾಲ್ತಾಯ್ ವಿವಿಯಾನ್. ತೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ. ತಾಕಾ ದೆವಾನ್ ದೀಸ್ಟ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾ ತರೀ ತೆಂ ದೀಸ್ಟ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಆಶೆತಾ. ತಾಕಾ ದಿಸಾನಾ, ಪುಣ್ ತುಂ ಕಿತೆಂ ದೊಳೆ ದಾಂಪುನ್ ಯೆತಾಲೊಯ್ಕೆ?
ವಿವಿಯಾನ್: ತುವೆಂ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ತಾಕಾ ಕಶ್ಯೆಂ ದಿಸಾನಾ.. ತುಜೆ ದೊಳೆ ಪುಟ್ಲ್ಯಾತ್‌ವೇ ಮ್ಹಣೊನ್‌ಮೂ?

ಸೆಲಿನ್ : ಆಜ್ ಕಿತೆಂರೇ ಘರಾ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ತಾನಾಂಚ್ ಖಂಚೊ ಭುತ್ ತುಜಾ ಆಂಗಾರ್ ಆಯ್ಲಾ? ಆಫಿಸಾಂತ್ ವ ವಾಟೆರ್ ಕೊಣಾಂಯ್‌ಲಾಗಿ ಝುಗ್ಡೆಂ ಪುಣಿ ಕರ್ನ್ ಯೆಂವ್ಕನಾಂಯ್‌ಮೂ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಆತಾಂ ತುಂ ನಾಕಾ ಜಾಲ್ಲಿಂ ಸವಾಲಾಂ ಕರ್ನ್ ಮ್ಹಜೊ ಮಾಂಡೊ ಖಾಯ್ನಾಕಾ ಮಾಂ. ತುಂ ಭಿತರ್ ವಚೊನ್ ಏಕ್ ಗ್ಲಾಸ್ ಹುನೊನಿ ಚ್ಹಾ ಹಾಡ್ನ್ ದಿ.

झुजताना पळेतेल्यांचें मन कडता अंटी.

सेलीन : ताका वरें करुंक तुमच्यान झायनांगी पुता?

आलेक्स : ताच्यो दोनी किडनी पाड झाल्यात. तित्लेंच नहीं, केस तडव कर्न आमचे लागीं आर्याल्यान ताका मोर्ना शिवाय दुस्री वाट ना. डायालिसाचो खर्च थोडया धर्मीश्टांनी वावयला. पुण ताणें वोगची तीं दूक आमचा दुस्मानांकीं नाका. ती आवय वायल्यान दाकयना तरी भितरल्या भितर कितली खरराता म्हळळें हांव जाणां.

सेलीन : कोणी किडनी दान केलयार ताणें वांचो संभव नांवे पुता?

आलेक्स : तें आतां साद्य ना अंटी. कितयाक आतां वेळ उतरला.

विल्मा : किडनी म्हळयार कितें डा अंकल?

आलेक्स : त्या विशयांत हांव तुका आन्येक पावटीं सांगतां गो वाये.

(गाडयेचो आवज होर्न दाराची वेल्ल)

तुजो ड्याडी आयलो म्हण दिसता.

विल्मा : व्हांडलीमांय तूं दार काडुंक वचानाका. हांव काडतां.

सेलीन : तूंच काडगो वाये. पर्तून हांव त्या रगळयांक वचाना.

(विल्मा अंदाजार दार कडेन वेता, दार काडता. आपल्याच चिंतनानी वुडांन भितर सरल्लो विवियान विल्माक आदाळता. विल्मा उदारेंच पडता. उजव्या हातांत ब्रीपकेस आसता. दावया हातांत विलमाक तो उभें करता.)

विवियान : हांव भितर सर्ताना तुजें तें मुडदार तोंड म्हाका दाखयनाका म्हण तुका सांगल्लें कळांनांगो? दार काडुंक घरांत मन्शां नांतवे?

(ताचा देंकणयांक विल्मा थरथरता. हुस्कारेन एका कुशीन उभें जाताना दाकतेर ताका आगयता.)

आलेक्स : ताका कितयाक देंकणें घालताय विवियान. तें भुर्गें ताका देवान दिप्ट दिंवक ना तरी तें दिप्ट आसल्यावरी जियेंवक आशेता. ताका दिसाना, पुण तूं कितें दोळे दांपुन येतालोयवे?

विवियान : तुवें म्हण्चें ताका कशेंय दिसाना... तुजे दोळे पुटल्यातवे म्हणोनमू?

सेलीन : आज कितेंर घरा भितर रिगतांनांच खंचो भुत तुज्या आंगार आयला आफीसांत व वाटेर कोणांयलागीं झगडें पुणी कर्न येंवकनांयमू?

विवियान : आतां तूं नाका झाल्लीं सवालां कर्न म्हजो मांडो खायनाका मां. तूं भितर वचोन एक ग्लास हुनोनी च्हा हाडन दि.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಾಕಾ ಹುನೊನಿ ಬ್ಹಾ ಹಾಡ್ನ್ ದಿ ಆಂಟಿ. ತಾಚಾ ಆಂಗಾರ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ ಗರ್ಮಿ ನಿವೊಂಕ ದೀನಾಕಾ. ತಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಯೆತಾ ವರೇಗ್ ತಾಚೆಂ ಪುರುಷತ್ವ್ ಆಮ್ಚೆ ಮುಖಾರ್ ದಾಕೊಂವ್ಚಿ ತೊ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಆಲೆಕ್ಸ್ ತುಂ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಹಾತ್ ಘಾಲ್ನ್ ಉಲ್ಯೆತಾಯ್. ತುಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಕಾಮ್ ಆಸಾ ತೆಂ ಕರ್ನ್ ವೊಚ್ ಆನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜೆ ಇತ್ಲ್ಯಾಕ್ ಸೊಡ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತೊ ಕಿತೆಂ ಚುಕೊನ್ ಉಲ್ಯೆಲೊ ಮ್ಹಣ್ ತು ತಾಚೆರ್ ಸಣ್ಸಣ್ತಾಯ್ರೆ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಉಲಂವ್ಚಿ ಆಂಟಿ. ತಶೆಂ ತರೀ ತಾಚಾ ಮತಿಕ್ ಸಮಾಧಾನ್ ಮೆಳೊಂದಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಮ್ಕಾಂ ಉಲೊಂವ್ಕ್ ಆನಿ ಕೊಂಕುಂಕ್ ಹಾಂವ್‌ಚ್ ಮೆಳ್ತಾಂ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ವೊಜೆಂ ಆಸಾಂ. ಮ್ಹಾಕಾ ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ಕಿತ್ಲ್ಯಾ ಲಪ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ಮಾತೆಂ ಮಾರುಂಕ್ ಪೊಡ್ತಾ ತೆಂ ತುಮಿಂ ಕಿತೆಂ ಜಾಣಾಂತ್?

ಸೆಲಿನ್ : ತೆಂ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗಾನಾಕಾ ವಿವಿ. ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಚೆಂ ವೊಜೆಂ ತುಜ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾ. ತುಜ್ಯಾ ಬಾಶೆನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಹೆರ್ ಮನಿಸ್ ಆಸಾತ್. ಆನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಾಗಾನಾ ತೆ ತುಜೆಬರಿ ಚಲ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣೊನ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾ ತುಜೆ ಖಾತಿರ್ ಯೇನಾ ವಿವಿಯಾನ್. ತುಂ ಮ್ಹಜೊ ಬರೊ ಏಕ್ ಇಷ್ಟ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಹಾಂವ್ ಭೋವ್ ಪೈಲೆಂ ವಿಸಾರ್ಲಾಂ. ಹಾಂವ್ ಯೆತಾಂ ತರ್ ತುವೆಂ ತುಜೆಂ ಅರ್ಧೆಂ ವೊಜೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಘಾಲಾಂಯ್ ಪಳೆ, ತೆಂ ಸಾಂಬಾಳ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್...ಹ್ಯಾ ನೆಂಟ್ರ್ಯಾ ಬಾಳಾ ಖಾತಿರ್. ತುಜೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಮೆಳಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೆಂ ಉಣೆಂಪಣ್ ಭರ್ನ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್.

ವಿವಿಯಾನ್: ಮ್ಹಾಕಾ ವಿಲ್ಮಾಚೊ ಮೋಗ್ ನಾಂ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಕಶೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಯ್? ಮ್ಹಜೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ತೆಂ!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಶಹಬ್ಬಾಸ್ ವಿವಿ.....ಶಹಬ್ಬಾಸ್ . ತುಜ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೆಂ ನಾಂವ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಚ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವರ್ತೊ ಸಂತೊಸ್. ತಾಚೊ ತುಕಾ ಕಿತ್ಲೊ ಮೋಗ್ ಆಸಾ ತೆಂ, ತುವೆಂ ಆತ್ತಾಂ ದಾಕವ್ನ್ ದಿಲೆಂಯ್. ತುಜೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ತೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ವಿವಿ. ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ನದ್ರೆಕ್ ತೆಂ ತುಜೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ವ್ಹಯ್ ತುಂ ತಾಚೊ ಬಾಪೊಯ್ ಮ್ಹಣ್ತಾಯ್. ತೆಂ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲ್ಯಾ ತವಳ್ ಥಾವ್ನ್ ತೆಂ ಆತಾಂ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಚೆಂ ಜಾಲಾಂ, ಕೆದ್ನಾಂಯ್ ತುವೆಂ ತಾಕಾ ಬಾಪಾಯ್ಲೊ ಮೋಗ್ ದಿಲಾಯ್? ತ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾ ಥಂಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೆಂ ಕರ್ತವ್ಯ್ ತುವೆಂ ಪಾಳ್ಳ್ಯಾಂಯ್?

ವಿವಿಯಾನ್: ತಾಕಾ ಖಂಚಾಂತ್ ಉಣೆಂ ಕೆಲಾಂ. ತಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಜಾಯ್ ತೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಮೆಳ್ತಾ. ಮ್ಹಜೆಂ ಬಿಜ್ನೆಸ್ ಸೊಡ್ನ್ ಸಗ್ಳೊ ದೀಸ್ ತಾಚಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ರಾವೊಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ. ಹ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಚಡ್ ತ್ರಾಸ್ ದಿಂವ್ಕ್ ನಜೊ ಮ್ಹಣ್ ತುಜೆಂ ಲಾಗಿಂ ಏಕ್ ಗವರ್ನೆಸ್ ಪಳೆ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ತೆಂ ಕಾಮ್ ತುವೆಂ ಕರುಂಕ್‌ನಾಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತಾಚಾ ಜವಾಬ್ದಾರೆಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ತುಂ ತಾಕಾ ದೀನಾಕಾ ವಿವಿ. ತೊ ತಾಣೆ ಪಾಳ್ಳಾ. ಕಾಜಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಪಂದ್ರಾಂ ವರ್ಸಾಂ ವರೆಗ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಭುರ್ಗಿಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತುಂ ಆನಿ ತುಜಿಂ ಬಾಯ್ಲ್...ಮ್ಹಜಿ ಸುನ್ ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಆಪ್ಯೆಜೆ ಪಡ್ತಾ... ಭುಗ್ರ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಆಶೆಲ್ಯಾತ್.ಕಾರ್ಕೊಳ್ಚ್ಯಾ ಸಾಂ ಲೊರೆಸಾಕ್, ನಿತ್ಯಾಧಾರ್

आलेक्स : ताका हुनोनी च्हा हाडन दि अंटी. ताचा आंगार आयील्ली गरमी निवोंक दीनाका. ताची वायल येता वरेग ताचें पुरुप्तव आमचे मुखार दाकोंवदी तो.

विवियान : आलेक्स तूं मातयार हात घालन उलैताय. तुजें कितें काम आसा तें कर्न वच आनी म्हाका म्हजे इतल्याक सोड.

सेलीन : तो कितें चुकोन उलयलो म्हण तूं ताचेर सण्सण्तय्वे?

आलेक्स : उलवंदी आंटी, तशें तरी ताचा मतीक समाधान मेळोंदी.

विवियान : तुमकां उलोंव्क आनी कोंकुंक हांवच मेळता. म्हज्या मातयार किल्लें वोजें आसां. म्हाका ह्या घरा वायर किल्लया लप्डयांक मातें मारुंक पडता तें तुमीं कितें जाणांत?

सेलीन : तें तूं म्हाका सांगनाका विवि. सगळया संसाराचें वोजें तुज्या मातयार दिंवक ना. तुज्या भाशेन ह्या संसारांत हेर मर्नीस आमात आनी म्हाका लागाना तुजेवरी चलतात म्हणोन.

आलेक्स : हांव हया घरा तुजे खातीर येना विवियान. तूं म्हजो वरो एक इप्ट झावणासलोय म्हळें हांव भाव पयलें विसार्लो. हांव येतां तर तुवें तुजें अर्धे वोजें म्हज्या मातयार घालांय पळे, तें सांवाळचया खातीर हया नेंटया वाळा खातीर. तुजें थावन मेळानातल्या मोगाचें उणेंपण भर्न दिंवचे खातीर.

विवियान : म्हाका विल्माचो मोग नां म्हण तूं कशें म्हणताय? म्हजें भुर्गें तें!

आलेक्स : शहाव्वास विवि शहाव्वास. तुज्या भुरग्यांचें नांव तूं जाणांय म्हळोच म्हाका व्हरतो संतोस. ताचो तुका कितलो मोग आसा तें, तुवें आत्तां दाकावन दिलेंय. तुजें भुर्गें तें म्हळें विवि. लोकाच्या नद्रेक तें तुजें भुर्गें व्हय तूं ताचो वापय म्हणताय. तें जल्माल्या तवळ थावन तें आतां आट वर्सांचें झाल्लें, केदनांय तुवें ताका वापायचो मोग दिलाय? त्या भुर्गयां थंय वापयचें कर्तय्व तुवें पाळळांय?

विवियान : ताका खंचांत उणें केलां. ताका कितें जाय तें सगळें मेळता. म्हजें बिज्नेस सोडन सगळो दिस ताचा पाटल्यान रावोंक म्हाका साध्य ना. ह्या प्रायेर मांयक चड त्रास दिंवक नजो म्हण तुजे लागीं एक गवर्नेस पळे म्हण हांवें सांगल्लें तें काम तुवें कर्ुंकनांय.

सेलीन : ताचा जवव्दारेचो उगडास तूं ताका दिनाका विवि. तो ताणे पाळळा. काजार झावन पंद्रां वर्सां वरेग तुमकां भुर्गीं जांवक नातल्या वेळार तूं आनी तुजीं वायल म्हजी सुन म्हण ताका आपयजय पडता भुरग्या खातीर किल्लें आशेल्यात. कार्कोळच्या सांलोरेसाक, नित्यादर मायेक आमल्या सर्व सांतां भकतांक तुमीं मागलें आनी

ಮಾಯೆಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವ್‌ಸಾಂತಾಂ ಭಕ್ತಾಂಕ್ ತುಮಿಂ ಆಂಗಯ್ಲೆಂ ಆನಿ ಮಾಗ್ಲೆಂ. ದಾಕ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ದುಡು ಪಿಟೊ ಕೆಲೊ. ತ್ಯಾ ಸರ್ವೆಸ್ಪರಾನ್ ತುಮ್ಚೆರ್ ಭಿರ್ಮತ್ ಪಾವೊನ್, ಇತ್ಲ್ಯಾ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಭುರ್ಗೆಂ ತುಮ್ಕಾಂ ಫಾವೊ ಕೆಲೆಂ. ತ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂ ಥಂಯ್ ತುಮ್ಚೊ ತಾತ್ಸಾರ್ ಪಳೆತಾನಾ ತುಮ್ಚ್ಯೊ ತ್ಯೊ ಆಂಗೊಣ್ಯೊ, ತುಮ್ಚಿಂ ತಿಂ ಮಾಗ್ಣಿಂ, ಲೊಕಾಕ್ ಬಸಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ನೈಂ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಏಕ್ ಘುಡಿ ಹ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾ ಸಮೊರ್ ಉಬೊ ರಾವೊನ್ ಎಕಾ ಖರ್‍ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚ್ಯಾ ನದ್ರೆನ್ ತಾಕಾ ಪಳೆ ವಿವಿಯಾನ್ ಆನಿಂ ತೆದಾಳಾ ತುಕಾ ಕಳ್ತಲೆಂ ಬಾಪೊಯ್‌ಪಣ್ ಕಿತೆಂ ತೆಂ. ದಯಾಕರ್ನ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಘೊಪಾ -ಬಾಯ್ಲೆಚಿ ಖೆಳಾಚಿ ಬಾವ್ಲಿ ತಾಕಾ ಕರಿನಾಕಾತ್.

ವಿವಿಯಾನ್: ಪುರೊ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಪುರೊ. ತುಮಿಂ ಹರ್ಯೆಕ್ ದೀಸ್ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಚುಕಿದಾರ್ ಕರ್ತಾತ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮ್ಜಾನಾ ಹಾಂವ್ ಖಂಚ್ಯಾ ವಾಟೆನ್ ಚಲೊಂ? ಕಿತೆಂ ಕರುಂ? ಹೆಂ ಕರಂದಾಯೆಚೆಂ ಜೀವನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪುರೊ ಜಾವ್ನ್ ಗೆಲೆಂ. ಆನಿಂ ತುಂ ಮಾಂಯ್....ಮ್ಹಾಕಾ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲ್ಲಿ ಆವಯ್....ಸಂಸಾರಾ ಮುಖಾರ್ ಮ್ಹಜೊ ಕಚ್ರೊ ಕರ್ತಾಯ್. ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಭಿತರ್ ಪಾಯ್ ದವರ್ಚೆಂ ನಾಕಾಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಡ್ಯಾಡಿ ತುಂ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಜೋರ್ ಕರ್ತಾಯ್! ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಕಿತ್ಲಿ ಬೊರಿ. ಪಳೆ...ಪಳೆ...ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್ ಡ್ಯಾಡಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಜೋರ್ ಕರ್ತಾ ಆನಿ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಮ್ಹಜೊ ಮೋಗ್ ಕರ್ತಾ ಮ್ಹಣ್. ನಾ...ನಾ... ಆಂಕಲ್ ಡ್ಯಾಡಿ ಮ್ಹಜೊ ಮೋಗ್ ಕರಿನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆಯ್ಕ್ ವಿವಿ...ಆಯ್ಕ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪ್ರಯತ್ನಾಕ್ ತುಂ ಶೆಳೆಂ ಉದಾಕ್ ವೊತ್ತಾಯ್. ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾ ಮುಖಾರ್ ತಾಕಾ ದುಕ್ಚೆಂ ಬರಿ ಉಲಂವ್ಚೆಂ ನೈಂ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆ ಹಾಚೆಂ ಆದಿಂ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ. ಜಾಂವ್ ತಾಕಾ ದುಕ್ಚಿಂ.....ವ ತಾಚಾ ಮೊಗಾಚಾ ಮನ್ಸ್ಯಾಂಕ್ ಕೊಣ್ಯೆಂ ಧುಖೈಲ್ಲೆಂ ತೆಂ ಸೊಸಾನಾ. ಹೆಂ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ಖಡ್ಸ್ಯಾಂತ್ ಖಂಚೈ.

ಸೆಲಿನ್ : ಆಲೆಕ್ಸ್ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗ್ತಾ ತೆಂ ಚೀತ್ ದೀವ್ನ್ ಆಯ್ಕ್ ವಿವಿ. ಆನಿ ದೆವಾ ಖಾತಿರ್ ಪುಣಿ...

ವಿವಿಯಾನ್: ದೇವ್! ಮಾಂಯ್....ಮಾಂಯ್....ಮ್ಹಜೆಂ ಮುಖಾರ್ ತುಂ ದೆವಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಕಾಡಿನಾಕಾ. ಖಂಯ್ ಆಸಾಂ ಮಾಂಯ್ ದೇವ್? ತುವೆಂ ತಾಕಾ ಪಳೈಲಾಂಯ್. ಜರ್‌ತರ್ ಪಳೈಲಾಯ್.... ದಾಕೈ ಮ್ಹಾಕಾ....ಆನಿ ತೆದ್ನಾಂ ಹಾಂವ್ ಪಾತ್ಯೆತಾಂ. ದೇವ್...... ತುಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಸ್ತಿಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್...ವ್ಹಯ್ ಹಾಂವ್ ನಾಸ್ತಿಕ್. ಜರ್‌ತರ್ ದೇವ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಮ್ಹಜೆಂ ಜಿವಿತ್ ಅಶೆಂ ಜಾತೆಂ ನಾ. ಹಾಂವ್ ಎಕಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಆಶೆಲ್ಲೊಂ.ತುಜ್ಯಾ ತ್ಯಾ ದೆವಾಲಾಗಿಂ ಮಾಗ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಕಾ ಮೆಳ್ಳೆಂ? ಆನಿ ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ಆಜ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಕ್ ಸಯ್ತ್ ಹಾಂವ್ ಸಸಾರ್ ಜಾಲಾಂ. ತಾಚೆಂ ಆಣ್ಕಾಣೆಂ... ಸದಾಂಯ್...

(ದಾರ್ ಉಗ್ತೆಂ ಜಾತಾ. ಆನಿಂ ಜೆಸಿಂತಾ ಭಿತರ್ ಸರ್ತಾ)

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹೆಂ ಕಿತೆಂ ವಿವಿ....ಕೊಣ್ ಮೆಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ರಡ್ಣೆಂ ಚಲ್ತಾ?

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಗುಡ್ ಇವ್ನಿಂಗ್ ಮಮ್ಮಿ!

ಜೆಸಿಂತಾ : ಪಯ್ಲೆಂ ನಚ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಮುಕ್ಲೆಂ. ಗುಡ್‌ಇವ್ನಿಂಗ್ ಖೈಂ. ... ಗುಡ್ ಇವ್ನಿಂಗ್

आंगयलें. दाकतेराच्या पाटल्यान दुडु पिटो केलो. त्या सर्वेस्परान तुमचेर भिर्मोत पावोन, इत्लया आपुर्वायेचें चेंडुं भुर्गें तुमकां फावो केलें. त्या भुरग्या थंय तुमचो तात्सार पळेताना तुमच्यो त्यो आंगोण्यो, तुम्चीं तीं मागणीं, लोकाक वनांवच्या खातीर जावन आस्ली नहींवे.

आलेक्स : एक घडी ह्या भुरग्या समोर उवे रावोन एका खरया वापायच्या नद्रेन ताका पळे विवियान आनी तेदाळा तुका कळतेले वापोयपण कितें तें. दयाकर्न तुमच्या घोवा वायलेची खेळाची वावली ताका करीनाकात.

विवियान : पुरो आलेक्स पुरो, तुमीं हर्येक दीस म्हाकाच चुकीदार कर्तात. म्हाका सम्झना हांव खंच्या वाटेन चलों? कितें करुं? हें करांदायेचें जिवन म्हाका पुरो जावन गेलें आनी तूं मांय म्हाका जल्म दिल्ली आवय संसारा मुखार म्हजो कचरो कर्ताय? ह्या घरा भितर पाय दवर्चे नाकाशें दिसता म्हाका.

विल्मा : ड्याडी तूं व्हडलींमांयक जोर करताय? व्हडलीमांय कितली वोरी. पळे पळे. डकटर अंकल ड्याडी म्हज्या व्हडलीमांयक जोर करता आनी म्हणता म्हजो मोग करता म्हण. ना ना अंकल ड्याडी म्हजो मोग करीना.

आलेक्स : आयक विवि आयक. म्हज्या प्रयतनाक तूं शेळें उदाक वोत्ताय. त्या चेडवा मुखार ताका दुकचें वरी उलंवचे नहीं म्हण हांवे हाचे आदीं सांगलां. झांव ताका दुकचीं व ताच्या मोगाच्या मन्शांक कोणेंय दुखैलें तें सोसाना. हें तूं तुज्या खड्डुयांत खंचय.

सेलीन : आलेक्स कितें मागंता तें चित दिवन आयक विवि आनी देवा खातीर पुणी...

विवियान : देव मांय... मांय... म्हजें मुखार तूं देवाचें नांव काडीनाका. खंय आसा मांय देव? तुवें ताका पळेलांय? दाकय म्हाका आनी तेदनां हांव पात्येतां. देव तुमी म्हाका नासतीक म्हणतात? क्य हांव नासतीक. जरतर देव आस्लो म्हजें जीवित असें जातें ना. हांव एका भरग्याक आशेल्लों तुज्या त्या देवालागीं मागल्लें आनी कितें म्हाका मेळ्ळें आनी ह्या वर्वीं आज म्हज्या वायलेक सयत हांव ससार जालां. ताचें आण्काणें सदांय...
(दार उगते जाता आनी जेसींता भितर सर्ता)

जेसींता : हें कितें विवि... कोण मेला म्हण हया घरांत रडणें चलता?

विल्मा : गुड इवनिंग मम्मी!

जेसीतां : पयस वच म्हज्या दोळयां मुक्लें. गुडइव्नींग खंय.... गुडइव्नींग कोणाक जायगो तुजें

...ಕೊಣಾಕ್ ಜಾಯ್‌ಗೊ ತುಜೆಂ ಗುಡ್ ಇವ್ನಿಂಗ್, ಶನಿ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ. ಭಿತರ್ ರಿಗ್ತಾನಾಂಚ್ ಹಾಂಚಿಂ ಕರ್ಪೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿಂ ಸೊಂಡಾಂ ಆನಿ ತುಜೆಂ ಶಿರಾಫ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮುಸ್ಕಾರ್.

ವಿವಿಯಾನ್ : ಜೆಸ್ಸಿ ಪ್ಲೀಜ್..... ತುಂ ಭಿತರ್ ವಚ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ಕಿತೆಂ ಚಲ್ತಾ.ತ್ಯಾ ಸಂಗ್ತಿಂತ್ ತುಂ ಮೆತೆರ್ ಜಾಯ್ನಾಕಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಮ್ಹಜೊ ಘೊವ್-ಬಾಯ್ಲಾಂ ಬಾಶೆನ್, ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ಮನ್ಶಾಂ ಮುಖಾರ್ ರಡ್ತಾ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ದೊಳೆ ದಾಂಪುನ್, ಭಿತರ್ ವಚೊಂ? ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ವಿಚಾರ್ಲೆಂ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಜಾಲೆಂ ಕಿತೆಂ ತುಕಾ ರಡೊಂಕ್. ಮಾಂಯ್ ತುಂ ಸಾಂಗ್ ವಿವಿಕ್ ಕೊಣೆ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳೆಂ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಅಳೆ ಜೆಸ್ಸಿ...

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಆತಾಂ ತೊಂಡ್ ದಾಂಪ್. ವಿಚಾರ್ತಾನಾ ಸಾರ್ಕಿ ಜವಾಬ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಜೀಬ್ ಸುಟಾನಾ. ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ತುಜಾ ಆವಯ್‌ಲಾಗಿಂ ವಿಚಾರ್ತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಾಚಿ ಆವಯ್ ತುಕಾ ಕಾಂಯ್ ಲೆಕಾನಾಂಗಿ ಜೆಸ್ಸಿ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಕಾ ವಕಾಲತ್ ಕರುಂಕ್ ಹಾಂವೆ ಆಪಂವ್ಕ್ ನಾಂ ಡಾಕ್ಟರ್. ತುಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಕಾಮ್ ಆಸಾ ತುಂ ಕರ್ ಆನಿಂ ತುಜಿ ವಾಟ್ ಧರ್. ಹಾಂವೆ ಘರಾ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ಚ್ಯಾ ಆದಿಂ ತುವೆಂ ತುಜೆಂ ಕಾಮ್ ತಿರ್ಸುನ್ ವಚೊಂಕ್ ಜಾಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತಾಕಾ ನ್ಹೆಂ ತರಿ ತಾಣೆಂ ಕರ್ಚಾ ವಾವ್ರಾಕ್ ಮ್ಹಾನ್ ದಿ ಪುತಾ ಜೆಸಿಂತಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತೊ ಆನಿಂ ತಾಚೊ ವಾವ್ರ್ ಆನಿ ಮಾಂಯ್... ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಪುತಾ ಭಾಂಗಾರಾ ಮ್ಹಣ್ ಫುಲಾಂ ಘಾಲಿನಾಕಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ತೆಂ ಬೊರೆಂ ಲಾಗಾನಾ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆವಯ್-ಬಾಪಾಯ್ನ್ ದವರ್ಲ್ಲೆಲೆಂ ನಾಂವ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ನಾಂವಾನ್ ಆಪೈಲ್ಯಾರ್ ಪುರೊ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಜಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾಂಯ್ ತುವೆಂ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಆಲೆಕ್ಸಾನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಏಕ್ ಗವರ್ನೆಸ್ ಸೊದ್ಲಾಂ... ಹಾಂವೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ತಾಕಾ....

ಜೆಸಿಂತಾ : ಕಿತೆಂ.... ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣಾಯ್ ತುಂ...? ಘರಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ ಮನ್ಶಾಂ ಪಾವಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಹ್ಯಾ ಬಾಣ್ಯೆರ್ಯಾಕ್ ಆನ್ಯೇಕ್ ಚಾಕರ್ಲೆಂ ಜಾಯ್‌ಗಿ ವ ಹಾಂವ್ ಪಾವಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ತುಕಾ ದುಸ್ರೆಂ ಎಕ್ಲೆಂ ಹಾಡ್ನ್ ದವರ್ತಾಯ್!

ವಿಲ್ಮಾ : ಮಮ್ಮಿ...!

[ವಿಲ್ಮಾಂ ಉಬೆ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆ ಕಡೆನ್‌ಚ್ಚ್ ಕಾಂಪ್ತಾ. ದಾಕ್ತೆರ್ ತಾಕಾ ಸಾಂಬಾಳ್ತಾ. ಸೆಲಿನ್ ದಾಂವೊನ್ ವಚೊನ್ ಉದಾಕ್ ಹಾಡ್ನ್ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಥೊಡೆಂ ಮಾರ್ತಾ ಆನಿಂ ಥೊಡೆಂ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ದಿತಾ.]

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹೆಂ ಕಸಲೆಂ ನವೆಂ ಅನ್ಸಾರ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಚೆರ್! ತುಮ್ಚ್ಯಾಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ಭುತ್ ಪುಣಿ ಯೇಂವ್ಕ್‌ನಾಮೂ ಹಾಚಾ ಆಂಗಾರ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜೆಸಿಂತಾ ಪ್ಲೀಜ್.... ದೆವಾ ಖಾತಿರ್ ಏಕ್ ಘುಡಿಭರ್ ವಗೆಂ ರಾವ್. ಭುತ್ ಹ್ಯಾ ಬಾಳಾಕ್ ನ್ಹೆಂ....ಬಗಾರ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಘೊವಾ - ಬಾಯ್ಲೆಚ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ಆಯ್ಲಾ ದೆಕುನ್ ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಥಂಯ್ ಅಶೆಂ ಘಡ್ತಾ. ಹಾಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ತುಮಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಲ್ಯಾ ಆಸ್ತಾಂ....ಹಾಂವ್ ತುಮ್ಚೆಂ ಲಾಗಿಂ ಉಪ್ಕಾರ್ ಮಾಗ್ತಾಂ.... ತುಮಿಂ ತಾಕಾ

गुडइव्नींग शनी लागल्या. भितर रिगतानांच हांचीं कर्पोन गेल्लीं सोंडा आनी तुजें शिराफ पडल्लें मुसकार.

विवियान : जेस्सी प्लिज तूं भितर वच. हांगासर कितें चलता. त्या संगतींत तूं मेतेर जायनाका.

जेसींता : म्हजो घोव वायलां वाशेन वायल मन्शां मुखार रडता आनी हांव दोळे दांपुन, भितर वचों? हांवे तुका विचार्लें हांगासर जालें कितें तुका रडोंक मांय तूं सांग विविक कोणे कितें म्हळें?

विवियान : अळे जेस्सी...

जेसींता : तूं आतां तोंड दांप. विचार्ताना सार्की जवाव दिंवक जीव सुटाना. आतां हांव तुजा आवयलागीं विचार्तां.

आलेक्स : ताची आवय तुका कांय लेकानांगी जेस्सी?

जेसींता : तुका वकालत करूंक हांवे आपवंक नां डॉक्टर. तुजें कितें काम आसा तूं कर आनी म्हजी वाट धर. हांवे धरा भितर रिगच्या आदीं तुवें तुजें काम तिर्सुन वचोंक जाय.

सेलीन : ताका नहीं तरी ताणें कर्च्या वाव्राक मान दी पुता जेसींता.

जेसींता : तो आनी ताचो वाव्र आनी मांय तूं म्हाका पुता भांगारा म्हण फुलां घालीनाका. म्हाका तें वरें लागाना. म्हज्या आवय वापयन दवरल्लें नांव आसा. त्याच नांवान आपैल्यार पुरो. म्हज्या सवालांक जाप दिंवकनांय तुवें?

विवियान : आलेक्सान आमच्या विल्माक एक गवर्नेस सोदलां हावें सांगल्लें ताका.

जेसींता : कितें कितें म्हणांय तूं घरांत? आसल्लीं मन्शां पावानातल्याक ह्या वाणशीरयाक आन्येक चाकर्लें जांयगी व हांव पावानातल्याक तुका दुसरें एकलें हाडन दवरताय.

विल्मा : मम्मी !..
(विल्मा उवे रावल्ले कडेनच कांपाता. दाकतेर ताका सांवाळता. सेलीन दांवोन वचोन उदाक हाडन चेडवाक थोंडें मार्ता आनी थोडें पियेंवक दिता.)

जेसीतां : हें कसलें नवें आनवार हया घराचेर! तुमच्या माल्धडयांचो भुत पुणी येंवक नांमू हाचा आंगार?

आलेक्स : जेसींता प्लिज... देवा खातीर एक घडीभर वगें राव. भुत ह्या वाळाक नहीं वगार तुमच्या घोवा वायलेच्या आंगार आयला देकुन भुर्गयां थंय अशें घडता. हाची जवव्दारी म्हाका दिल्या आसतां हांव तुमचेंलागीं उपकार मागतां तुमीं ताका मोग दिंवक सकानांत तर

ಮೋಗ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾಂತ್ ತರ್... ತಾಚೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ವೊಚಾನಾಕಾತ್. ಕೊಣ್ ಮೋಗ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾ......ತಾಕಾ ದುಸ್ರ್ಯಾಚೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ಕರ್ಚೊ ಅಧಿಕಾರ್ ನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಪಳೆ... ಪಳೆ... ವಿವಿ... ತುಜ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ಪರ್ಕೊ ತುಜ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಕ್ ಶೆರ್ಮಾಂವ್ ದಿತಾ. ಹಾಂವೆ ಕಶೆಂ ಜಿಯೆಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಶಿಕಯ್ತಾ ಆನಿಂ ತುಂ.... ಶಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಜ್ ದಿಸ್ತಾ ತುಕಾ ಮ್ಹಜೊ ಘೊವ್ ಮ್ಹಣೊಂಕ್. ತುಂ ಹ್ಯಾ ಕುಡ್ಡ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಗವರ್ನೆಸ್ ದವರ್...ಆನಿಂ ತ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾಕ್ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಹಾಂಗಾಚ್ ರಾವಯ್..... ಮ್ಹಾಕಾ ಪಡೊನ್ ವಚೊಂಕ್ ನಾ.... ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕಿತೆಂಯ್ ವಾಯ್ಟ್ ಜಾಲೆಂ ತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗಾನಾಕಾ. ಹುಂ ರಾತಿಂ ಸಾಸ್ಪೊಂಕ್ ಯೆ. ತೆದಾಳಾ ತುಕಾ ಸಾಂಗ್ತಾಂ ಹಾಂವ್....

(ಜೆಸಿಂತಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್ ಆಜ್ ಮಮ್ಮಿಕ್ ಪರ್ತುನ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ರಾಗ್ ಆಯ್ಲೊ. ಹಾಂವೆಂ ಕಿತೆಂ ಚೂಕ್ ಕೆಲಿ? ಶನಿ ಲಾಗ್ಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಅಂಕಲ್ ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಜ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮ್ಹಜೆಂಲಾಗಿಂ ಜವಾಬ್ ನಾ. ತುಜಿ ತಿ ಮಮ್ಮಿ ಆಸಾ ಪಳೆ...ಏಕ್ ದೀಸ್ ತಿಚೆಚ್ಚ್ ಲಾಗಿಂ ವಿಚಾರ್.

ವಿವಿಯಾನ್. ಜೆಸಿಂತಾ ತುಕಾ ಕಿತ್ಯೆಂ ಚುಕೊನ್ ಉಲ್ಲೆಲಾಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತಾಚೆ ತರ್ಫೆನ್ ಹಾಂವ್ ತುಜೆಂ ಲಾಗಿಂ ಮಾಫ್ ಮಾಗ್ತಾ ಆಲೆಕ್ಸ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜೆಸಿಂತಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಉಲೊಂವ್ಚೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಪಾವ್ಪಿಂ ನ್ಹಯ್ ವಿವಿ. ಹಾಚೆ ಆದಿಂಯ್ ಉಲ್ಲೆಲಾಂ. ಮ್ಹಾಕಾ ಪಳೆತಾನಾ ತಾಕಾ ಮುಯೊ ಚಾಬ್ತಾತ್. ಕೋಣ್ ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಕ್‌ಲಾಗಿಂ ಕರ್ತಾ ತಿಂ ಸಗ್ಳಿಂ ತಾಚಿಂ ದುಸ್ಮಾನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ತಾಚಿ ಪರ್ವಾ ನಾ,

ताचें वायट चिंतुंक वोचानाकात. कोण मोग दिंवक सकाना ताका दुस्रयाचें वायट करचो अधीकार ना.

जेसींता : पळे... पळे... विवि तुज्या मुखार पर्को तुज्या वायलेक शेर्मांव दिता. हांवे कशें जियेजाय म्हण म्हाका शिकयता आनी तूं... शि! म्हाका लज दिस्ता तुका म्हजो घोव म्हणोंक. तूं ह्या कुडडया खातीर गवर्नेस दवर आनी त्या दाकतेराक जाल्यारी हांगाच रावय... म्हाका पडोन वचोंक ना... उप्रांत कितेंय वायट जालें तर म्हाका सांगनाका. हूं रातीं मास्पोन ये. तेदाळा तुका सांगतां हांव..



(जेसींता आपल्या कुडाक वेता)

विल्मा : डॉक्टर अंकल आज मम्मीक पर्तुन कितयाक राग आयलो. हांवें कितें चूक केली! शनी लागल्ली म्हळयार कितें अंकल?

आलेक्स : तुज्या ह्या सवालांक म्हजेंलागीं जवाब ना. तुजी ती मम्मी आसा पळे एक दिस तिचेच लागीं विचार.

विवियान : जेसींता तुका कितेंय चुकोन उलयलां जाल्यार ताचे तर्फेन हांव तुजेंलागीं माफ मागतां आलेक्स.

आलेक्स : जेसींतान म्हाका उलोंवचें पयलें पावटीं नहीं विवि. हाचे आदींय उलयला. म्हाका पळेताना ताका मुयो चावतात. कोण ह्या भुर्गयाक लागी करता तीं सगळीं ताचीं दुस्माना.

ಪುಣ್ ತಾಚ್ಯಾ ಉಲೊಣ್ಯಾನ್ ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ಯಾ೯ಚೆರ್ ಜೊ ಪರಿಣಾಮ್ ಜಾತಾ, ತಾಚೆ ವಿಶೆಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪರ್ವಾ ಕರುಂಕ್ ಪಡ್ತಾ. ಹಾಂವ್ ಏಕ್ ದಾಕ್ತೆರ್. ಸೊಸ್ನಿಕಾಯೆಚೆಂ ಶಿಕಾಪ್ ಮ್ಹಕಾ ದಿಲಾಂ. ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಖಂಚ್ಯಾ ರಿತಿನ್ ದೀಸ್ಟ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಸಾದ್ಯ್ ಆಸಾ.... ತೆಂ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಕರ್ಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಮ್ಹಜೆರ್ ಆಸಾ. ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ಚಲ್ತಾಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ದವರ್.ಜರ್‌ತರ್ ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ಯಾ೯ಚೆಂ ಬೊರೆಪಣ್ ಆಶೆಂವ್ಚೆಂ ಮೊನ್ ತುಕಾ ಆಸಾ.... ತುಜ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಗುಲಾಮ್ ಜಾವ್ನ್ ರಾವಾನಾಕಾ.... ದೊಳೆ ಉಘಡ್..... ಆನಿಂ ತುಜ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಉಗ್ತ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಸಂಸಾರಾಚೆರ್ ಏಕ್ ನದರ್ ಘಾಲ್.

[ಆಲೆಕ್ಸ್ ಚಲ್ತಾ. ವಿವಿಯಾನ್ ತಕ್ಲೆಕ್ ಹಾತ್ ದೀವ್ನ್ ಸೊಫಾಚೆರ್ ಬೊಸ್ತಾ. ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಸೆಲಿನ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ವಿವಿಯಾನ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ಉಬೊ ರಾವ್ತಾ.]

ವಿವಿಯಾನ್: ಮಾಂಯ್.... ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ....?

ಸೆಲಿನ್ : ಕಿತೆಂ ದಿಸಾನಾರೆಂ ತುಕಾ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬೊವ್ತೊಣಿ ಕಿತೆಂ ಘಡ್ತಾ..... ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಅಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಜಾತಾ!

ಸೆಲಿನ್ : ಪುತಾ ವಿವಿ.... ಪಳೆ ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್... ತಾಕಾ ದೆವಾನ್ ದೀಷ್ಟ್ ದಿಂವ್ಕ್ ನಾ... ದೆಕುನ್ ತಾಕಾ ಪಳೆಂವ್ಚಿ ಸಕತ್ ನಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ದೀಷ್ಟ್ ಆಸೊನಿ ಕುಡ್ಡೊ ಜಾಲಾಯ್.

ಆಲೆಕ್ಸಾಚಿ ಉತ್ರಾಂ ನಿಯಾಳ್ ಆನಿ ತುಜ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಚೆಂ ಪಾನ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ಜಾತಾ ತರ್ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಕರ್.

(ಸವ್ಕಾಸ್ ಲೈಟ್ ಬಂಧ್ ಜಾತಾತ್.....ರಂಗ್‌ಮಂಚಾರ್ ಕಾಳೊಕ್ ಪಡ್ತಾ... ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಭಾಗಾಚೆಂ ಏಕ್ ದೃಶ್ಯ್ ಸಂಪ್ತಾ)

ದುಸ್ರೆಂ ದೃಶ್ಯ್

[ತಿಚ್ಚ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚ್ ಸಜವ್ಣ್. ಪಯ್ಲ್ಯಾ ದೃಶ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಎಕಾ ಹಪ್ತ್ಯಾಚೊ ತಪಾವತ್.... ದೃಶ್ಯ್ ಉಘಡ್ತಾನಾ ಗವರ್ನೆಸ್ ಐಡಾ, ಘರ್ಚ್ಯಾ ವಸ್ತು ಸಾರ್ಕ್ಯೊ ದವರ್ಚ್ಯಾರ್ ಮಗ್ನ್ ಜಾಲಾಂ. ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾನ್ ಟೆಲಿಫೋನಾ ಲಾಗಿಂ ವೊಚೊನ್ ಡಾಯಾಲ್ ಕರ್ತಾ]

ಐಡಾ : ಹಲೊ ನಾನಾವಟಿ ಹೊಸ್ಪಿಟಲ್.... ಮ್ಹಾಕಾ ಡಾ। ಶೇಟ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ... ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಂವ್ ಐಡಾ ದಾಂತಿಸ್... ಒ.ಕೆ.... ಡಾ। ಶೇಟ್....? ಗುಡ್ ಇವ್ನಿಂಗ್ ಡಾಕ್ಟರ್.... ಹಾಂವ್ ಐಡಾ ದಾಂತಿಸ್.... ತುಮ್ಚೆಂ ಪೇಶಂಟ್ ಶಾಂತಿಚಿ ಆವಯ್..... ವಾರ್ಡ್ ನಂಬರ್ ಆಟಾಂತ್ಲೆಂ ಫೇಶಂಟ್. ಕಾಲ್ ಡಾ।ಆಲೆಕ್ಸ್ ಕೊರ್ಡೆರೊನ್ ಫೋನ್ ಕರಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ.... ತುಮ್ಕಾಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಭೆಟೆಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತ್ರಾಸ್ ದಿಲ್ಯಾಕ್ ಮಾಫ್ ಕರಾ.... ವ್ಹಯ್ ಡಾಕ್ಟರ್..... ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ..... ತುಮ್ಕಾಂ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಶೀದಾ ಸಾಂಗ್ಯೆತ್.... ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಿ-ಘಡ್ತಾ ತೆಂ ದೆವಾಚ್ಯೆ ಖುಶೆಂ ಪ್ರಮಾಣೆ ಘಡ್ತಾ....

[ವಿಲ್ಮಾಂ ಸವ್ಕಾಸ್ ಪ್ರವೇಶ್ ಜಾತಾ ಆನಿ ಐಡಾಚಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬೆಂ ಜಾತಾ.]

ದೆಕುನ್ ತುಮಿಂ ಕತೆಂಚ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಲಿಪೊಂವ್ಚೆಂ ನಾಕಾ....ಜಾಯ್ತ್ ಡಾಕ್ಟರ್.....

म्हाका ताची परवा ना, पुण ताच्या उलोण्यान ह्या भुरग्याचेर जो परीणाम जाता, ताचें विशयांत म्हाका पर्वा करुंक पडता. हांव एक दाकतेर, सोस्णीकायेचें शिकाप म्हाका दिलां. ह्या चेडवाक खंच्या रितीन दिष्ट हाडुंक साद्या आसा तें प्रयत्न कर्ची जवाब्दारी म्हजेर आसा. आतां हांव चलतां. पुण म्हज्या उत्रांचो उगडास दवर. जरतर ह्या भुरग्याचें वर्गेपण आशेंवचें मोन तुका आसा तुज्या वायलेचो गुलाम जावन रावानाका दोळे उधड आनी तुज्या त्या उगत्या दोळांयानी संसराचेर एक नदर घाल.

(आलेक्स चलता. विवियान तकलेक हात दिवन सोफाचेर वसता. विलमाक घेवन सेलीन भितर वेताना विवियान सवकास उवो रावता.)

विवियान : मांय... म्हाका कितयाक दिसाना?

सेलीन : कितें दिसानारे तुका...?

विवियान : म्हज्या वोंवतांर्णा कितें घडता... ह्या घरांत अशें कितयाक जाता!

सेलीन : पुता विवि... पळे ह्या चेडवाक... ताका देवान दिष्ट दिंवक ना. देकुन ताका पळेंवची सकत ना. पुण तूं दोळयांची दीप्ट आसोनी कुड्डो झालाय. आलेक्साची उत्रां नियाळ आनी तुज्या जीवीताचें पान वद्लुंक झाता तरई प्रयात्न कर.
(सवाकास लाइट वंध जातात... रंगमांचार काळोक पडता पयल्या भागाचें एक द्रश्य संपता)

दुसरे द्रश्य

(तिच रंगमांच सझवण, पयल्या द्रशया उप्रांत एका हपत्याचो तपावत द्रश्य उधडताना गवर्नेस ऐडा, घर्च्यो वस्तु सारक्यो दवर्चार मग्न जालां. थोडया वेळान टेलीपोना लागीं वचोन डायल कर्ता)

ऐडा : हलो... नानावटी ओसपीटल... म्हाका डा। शेट जाय आस्ले... म्हजें नांव ऐडा दांतीस... ओ.के... डा। शेट गुडइव्नींग डॉक्टर... हांव ऐडा दांतीस...तुमचें पेंशंट शांतीची आवय...वार्ड नंवर आटांतलें फेंशेंट. काल डा। आलेक्स कोर्डोरोन पोन करीजय म्हण सागल्लें तुमकां तुम्चया भेटच्या वेळार त्रास दिल्याक माफ करा... व्हय डॉक्टर... हांव जाणां... तुमकां कितें सांगोंक आस्लयार शिदा सांगयेत... जें कितें सांसारी धडता तें देवाच्ये खुशे प्रमाणें घडता.

(विल्मा सवकास प्रवेश जाता आनी ऐडाचा पाटल्यान उवें जाता)
देकुन तुमी कितेंच म्हजें थावन लिपोंवचें नाका... झयत डॉक्टर... म्हजें तस्लया

ಮ್ಹಜೆ ತಸಲ್ಯಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾಚೆರ್ ತುಮಿ ದಯಾ ಕೆಲ್ಯಾ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ತುಮ್ಚೊ ಕಿತ್ಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಬಾವುಡ್ಲ್ಯಾರಿ ಉಣೊಂಚ್ಚ್.... ಹಾಂವ್....? ಜಾಯ್ತ್ ಡಾಕ್ಟರ್.....ತುಮ್ಕಾಂ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ....ಗುಡ್‌ನೈಟ್...

ವಿಲ್ಮಾ : ಇಂಗ್ಲಿಷಾಂತ್ ಥ್ಯಾಂಕ್ ಯೂ ಮ್ಹಣ್ತಾಂವ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿಂತ್ ಆಮಿಂ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾಂವ್ ಆಂಟಿ...?

ಐಡಾ : ಆಮ್ಕಾಂ ಕೊಣಾ ಥಾವ್ನ್ ಬರೆಂಪಣ್ ಜಾತಾ .... ಉಪ್ಕಾರ್ ಮೆಳ್ತಾ.... ತಾಂಚೆರ್ ಆಮಿ ದೆವಾಚೆಂ ಆಶಿರ್ವಾದ್ ಮಾಗ್ತಾಂವ್ ಬಾಯೆ. ಇಂಗ್ಲಿಶಾಂತ್ ತಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ. ತೆಂ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲಾ ಲಾಗಿಂ ವಿಚಾರ್ ಬಾಯೆ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಆಂಟಿ ತುಂ ಹರ್ಯೆಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಲಾಗಿಂ ಉಲೈತಾನಾ.... ಬಾಯೆ ಮ್ಹಣ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾಯ್.... ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಂವ್ ವಿಲ್ಮಾ.

ಐಡಾ : ತೆಂ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ ಬಾಯೆ..

ವಿಲ್ಮಾ : ಅಳೆ ಪರ್ತುನ್ ಬ಼ಾಯೆ ಮ್ಹಳೆಂಯ್.

ಐಡಾ : ತು ಮ್ಹಜಿ ಧನಿನ್.... ದೆಕುನ್ ಬಾಯೆ. ಮ್ಹಜೆ ತಸಲ್ಯಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾಕ್ ಆಧಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ತುಕಾ, ಹಾವೆಂ ತೊ ಮಾನ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಾಂವ್ ತುಜಿಂ ಬಾಯ್ ನೈಂ ವ ಧನಿನ್ ನೈಂ. ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಧನಿನ್ ಮ್ಹಜಿ ಮಮ್ಮಿ ಮಾತ್ರ್.ತಿಕಾ ತುಂ ಬಾಯೆ ಮ್ಹಣ್ ವ ಬಾಬಾ ಮ್ಹಣ್, ಪುಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾತ್ರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಾಂವಾನ್ ವಿಲ್ಮಾ ಮ್ಹಣ್ ಆಪಯ್.

ಐಡಾ : ತುಜ್ಯಾ ಖುಶೆ ಪ್ರಮಾಣೆ ಜಾಂವ್ ಪುತಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಖೈಂ ಗೆಲ್ಯಾ?

ಐಡಾ : ತಿ ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ಬಾಯ್ರ್ ಭಂವೊನ್ ಯೆತಾ ಮ್ಹಣ್ ಗೆಲ್ಯಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ತು ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಿಕಾ ಆತಾಂ ಇಲ್ಲೆಂ ಬೊವೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಪುಣ್ ವೆತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾತ್ರ್ ಸಾಂಗಾನಾ.

ಐಡಾ : ತುಂ ನಿದೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂಯ್ ದೆಕುನ್ ತುಕಾ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾ. ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಬೊವೊಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವರ್ತಾಂ. ಪಯ್ಲೆಂ ತುಜೆಂ ತೊಂಡ್ ದುವ್ನ್ ತುಕಾ ಚ್ಹಾ ದಿಂವ್ನ್, ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಆಮಿ ಗಾರ್ಡನಾಕ್ ಯಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಗಾರ್ಡನಾಕ್ ನಾಕಾ ಆಂಟಿ.... ಗಾರ್ಡನಾಂತ್ ಮೊಸ್ತ್ ಲೋಕ್ ಆಸ್ತಾಮೂ.... ಮ್ಹಜೆ ತಿಂ ತಮಾಶೆ ಕರ್ತೆಲಿಂ.... ಮ್ಹಾಕಾ ತಿಂ ಕುಡ್ಡೆಂ ಮ್ಹಣ್ತೆಲಿಂ.... ನಾಕಾ.... ತೆದಾಳಾ ಮ್ಹಾಕಾ ರಡೊಂಕ್ ಯೆತೆಲೆಂ..... ದೆಕುನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬಾಯ್ರ್ ವಚೊಂಕ್ ನಾಕಾ.

ಐಡಾ : ತುಜೆ ತಸಲ್ಯಾ ಮುಗ್ದ್ ಬಾಳಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಕೊಣೀ ಚುರ್ಚುರ್ತೆಲಿಂ ಶಿವಾಯ್ ತುಜೆ ತಮಾಶೆ ಕರುಂಕ್ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ಮೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ನಾ. ಆನಿ ಕೊಣೆ ತರಿ ತುಜೆಂ ತಮಾಶೆ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್ ತಾಚೆಂ ಮುಸ್ಕಾರ್ ಪೊಡ್ತೆಲಿಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಕಾ ರಾಗ್ ಯೆತಾಗಿ ಆಂಟಿ?

ಐಡಾ : ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಜಿಯೆಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಥೊಡೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ರಾಗ್ ಕರಿಜಾಯ್ ಪೊಡ್ತಾ ಪುತಾ.

दुब्ळयाचेर तुमीं दया केल्या. त्या देकुन तुम्चो कितलो उपकार वावुडल्यारी उणोंच... हांव...? जायत डॉक्टर... तुम्कां देव वरें करुं... गुडनैट..

विल्मा : इंगलीषांत थेंक्यू म्हणतांव आनी कोंकणेंत आमीं देव वरें करुं कितयाक म्हणतांव अंटी?

ऐडा : आम्कां कोणा थावन वरेंपण जाता... उपकार मेळता... तांचेर आमी देवाचें आशीर्वाद मागतांव वाये. इंगलीशांत तशें कितयाक म्हणतात तें हांव नेणा. तें तूं तुज्या डॉक्टर अंकला लागीं विचार वाये.

विल्मा : अंटी तूं हर्येक पावटीं म्हजेलागीं उलयताना...वाये म्हण कितयाक म्हणताय... म्हजें नाव विल्मा.

ऐडा : तें हांव जाणा वाय.

विल्मा : अळे पर्तुन वाये म्हळेंय.

ऐडा : तूं म्हजी धनीन देकुन वाये. म्हजें तसल्या दुवळयाक आधार जाल्या तुका हावें तो मान दिंवक जाय.

विल्मा : हांव तुजीं वाय नहीं व धनीन नहीं. ह्या घरांत धनीन म्हजी मम्मी मात्र. तिका तूं वाये म्हण व वावा म्हण, पुण म्हाका मात्र म्हज्या नांवन विल्मा म्हण आपय.

ऐडा : तुज्या खुशें प्रमाणे जांव पुता.

विल्मा : व्हडलीमांय खेंय गेल्या?

ऐडा : ती थोडो वेळ वायर भंवोन येता म्हण गेल्या.

विल्मा : तूं आयल्या उप्रांत तिका आतां इल्लें वोंवोंक मेळता. पुण वेताना म्हाका मात्र सांगाना.

ऐडा : तूं निदांन आसल्लेंय देकुन तुका सांगांक ना. तुका हांव वोंवोंक आपवन व्रतां. पयलें तुजें तोंड धुवन तुका च्हा दिंवन तयार करतां उप्रांत आमी गार्डानाक या.

विल्मा : गार्डानाक नाका आंटी... गार्डानांत मांस्त लोक आम्तामू ... मह्जे ती तमाशें कर्तेलीं... म्हाका तीं कुट्टें म्हणतेलीं... तेदाळा म्हाका रडोंक येतालें देकुन म्हाका वायर वचोंक नाका.

ऐडा : तुजे तसल्या मुग्ध वाळाक पळेवन कोणी चुर्चेरतेलीं शिवाय तुजे तमाशे करुंक कोणायकी मन येंवचें ना आनी कोणी तरी तुजें तमाशे केल्यार हांव ताचें मुस्कार पोडतेलीं.

विल्मा : तुका राग येतागी आंटी?

ऐडा : ह्या संसारांत जियेजाय जाल्यार थोडे पावटीं राग करीजय पडता पुता.

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ಆಪೊವ್ನ್ ವರ್ಶಿತರ್ ಮಮ್ಮಿಕ್ ರಾಗ್ ಯೆತಲೊ. ತಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಯ್ಸರಿ ವ್ಹರಿನಾ. ದುಸ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವ್ಹರುಂಕ್ ದೀನಾ.

ಐಡಾ : ತುಜ್ಯಾ ಮಮ್ಮಿಕ್ ಹಾಂವ್ ಸಮ್ಜಾಯ್ತಾಂ.

ಸೆಲಿನ್ : (ಪ್ರವೇಶ್) ತ್ಯಾ ಖಡ್ಪಿ ಫಾತ್ರಾಕ್ ತುಜ್ಯಾನ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾ ಐಡಾ. ತೆಂ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಬಾಯ್ರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಾಡಿನಾ ತಾಚೆಂ ಕಾರಣ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್‌ವೇ?

ಐಡಾ : ಕಾರಣ್ ಕಸಲೆಂಯ್ ಆಸೊಂ. ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ವಾರ್‍ಯಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾಂ. ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ವಾತಾವರಣಾಂತ್ ಬೊಂವ್ಚಿಂ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ನಾಂ ತರ್ ತಾಚಿ ವಾಡಾವಳ್ ಕಶಿ ಜಾತೆಲಿ? ತೆಂ ಆಶೆಂಚ್ಚ್ ಉರ್ತೆಲೆಂ...ಸುಕ್ಲೆಂ ಜಾವ್ನ್.

ಸೆಲಿನ್ : ಆಪ್ಲೆಂ ಧು ಕುಡ್ಡೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಕಳೊಂಕ್ ನಜೊ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ತಾಚೊ ಕಡ್ಸಾಯೆಚೊ ಕಾಯ್ದೊ ಆಸಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ತಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಯಾದಿಕ್ ಉಣೆಂ ಖಂಯ್. ತಾಚೆ ಖಾತಿರ್ ಕೊಣೇ ಘರಾಂತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ತಾಂಚೆ ಮುಖಾರ್ ಹಾಡಿನಾಂತ್. ಕಿತೆಂಯ್ ನೀಬ್ ದಿತಾತ್. ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಕಾರಾಣಾಂಕ್ ದೊಳ್ಯಾಂಚೊ ತಜ್ಞ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಚೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿವಿಯಾನಾಚೊ ಎಕಾ ತೆಂಪಾಚೊ ಖಾಸ್ ಇಷ್ಟ್ ಡಾ.ಆಲೆಕ್ಸ್ ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾ ಖಾತಿರ್ ಘರಾ ಯೆತಾ.ಆಸ್ಪತ್ರೆಕ್ ವರ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಪೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಾರಾರ್ ವರ್ನ್ ಹಾಡ್ಚೆಂ.

ಐಡಾ : ಎಕಾ ತೆಂಪಾಚೊ ಇಷ್ಟ್ ಮ್ಹಣಾಲಿಯ್ ಆಂಟಿ?

ಸೆಲಿನ್ : ತೆ ಆತಾಂಯ್ ಇಷ್ಟ್. ಪುಣ್ ತೊ ಆದ್ಲೊ ಮೋಗ್ ಆನಿ ಮಾಯ್ಪಾಸ್ ತಾಂಚೆಂ ಮಧೆಂ ಆತಾಂ ಉರೊಂಕ್ ನಾಂ. ತೆ ಸಾಂಗಾತಾ ಶಿಕೊನ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಲ್ಲೆ. ತಾಂಚೆ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಸಾಂಗ್ತಾ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಾಡ್ಯಾಂತ್ ಎಕಾ ಘರಾ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಆಸಾಂ ಖ್ಯೆಂ. ಮಾಗ್ಣ್ಯಾಚೊ ಬೂಕ್ ವರ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಆಯ್ಲಿಂ. ವಿಲ್ಮಾಂಕ್ ಖ್ಯೆಂ ಪೊರ್ತಾಂಯ್ ತರ್ ಆಮ್ಚಿ ಮದಾಮ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಪಾಟಿಂ ಆಪವ್ನ್ ಹಾಡ್. ಕೊಣಾಂಯ್ ಲಾಗಿಂ ಕಿತೆಂಯ್ ಉಲೊಂಕ್ ವಚಾನಾಕಾ. ಘರ್ಚಿ ಚಾವಿ ತುಜೆಂ ಲಾಗಿ ಆಸಾಂ ತಿ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ದವರ್.

(ಸೆಲಿನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೊಚೊನ್ ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಪಾಟಿಂ ವೆತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಶಾಂತಿ ಲಾಗಿಂ ಉಲೊಂಕ್ ಜಾಯ್ ಆಂಟಿ!

ಐಡಾ : ಶಾಂತಿ.....! ಕೋಣ್ ಶಾಂತಿ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ ಉಲೈತಾಯ್ ಪುತಾ ತುಂ?

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಂ ಆಜಾಪ್ಲಿಯ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಂಟಿ? ತುಜಿ ಧುವ್ ಶಾಂತಿ.

ಐಡಾ : ಏಕ್ ದೀಸ್ ಖಂಡಿತ್ ಆಪವ್ನ್ ವರ್ತಾಂ ಪುತಾ. ಆತಾಂ ತಾಕಾ ಭೆಟೊಂಕ್ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ದಿನಾಂತ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಂ ಶಾಂತಿಚೊ ಮೊಸ್ತ್ ಮೋಗ್ ಕರ್ತಾಯ್ಗಿ ಆಂಟಿ ?

ಐಡಾ : (ತಾಚಾ ಮುಗ್ಧ್ ಉತ್ರಾಂಕ್ ಜವಾಬ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾ ಬಗಾರ್ ರಡ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಆಂಟಿ ತುಂ ರಡ್ತಾಯ್? ಹಾವೆಂ ತುಕಾ ದುಃಖ್ಯೆಲೆಂಗಿ? ಸೊರ್‍ರಿ ಆಂಟಿ.

ಐಡಾ : ಮ್ಹುಜೆಂ ಎಕ್ಲೆಂಚ್ ಮಾಣಿಕ್ ತೆಂ, ರಡಾನಾಸ್ತಾನಾ ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಕರುಂ ಪುತಾ. ಕಿತ್ಲ್ಯಾ ಮೊಗಾನ್ ಆನಿ ಆಪುರ್ಬಾಯೆನ್ ತಾಕಾ ಆಮಿಂ ಪೊಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆನಿ ಆತಾಂ....

विल्मा : तूं म्हाका घरा भायर आपोवन वर्शी तर मम्मीक राग येतोलो. ती म्हाका खंयसरी व्हरीना. दसरयांक म्हाका वोरुंक दीना.

ऐडा : तुज्या मम्मीक हांव समझयता.

सेलीन : (प्रवेस) त्या खडपी फात्राक तुज्यान समजोंक जांवचें ना ऐडा. तें विल्माक वायर कितयाक दाडीना ताचें कारण तूं जाणांयवे?

ऐडा : कारण कसलेंय आसों. ह्या चेडवाक वायल्या वारयाचीं गर्ज आसां. वायल्या वातावारणांत भोंवची गर्ज आसा. नां तर ताची वाडावळ कशी जातेली? तें आशेंच उर्तेले सुकडें जावन.

सेलीन : आपलें धुव कुडडें म्हण वायल्या संसाराक कळोंक नजो म्हळ्ळो ताचो कडडायेचो कायदो आसा. ह्या वर्वी ताच्या मर्यादीक उणें खंय. ताचे खातीर कोणी घरांत आयल्यार चेडवाक तांचें मुखार हाडीनांत. कितेंय नीव दितात. त्याच कारणांक दोळांयचो तज्ञ जाव्नामचो आमच्या विवियानाचो एका तेंपाचो खास इष्ट डा। आलेक्स ह्या चेडवा खातीर घरा येता. आस्पत्रेक वर्ची गर्ज पोडल्यार कारार वरून हाडचें.

ऐडा : एका तेंपाचो इष्ट म्हणालीय आंटी?

सेलीन : ते आतांय इष्ट. पुण तो आदलो मोग आनी माय्पाम तांचें मधें आतां उरोंक ना. ते संगाता शिकोन व्हड जाल्ले. तांचें विशयांत उप्रांत हांव तुका सांगता. आमच्या वाडयांत एका घरा मारणें आसा खंय. मारण्याचो वूक वर्यां म्हण आयलीं. विल्माक खंय वरताय तर आमची मादाम येंवच्या पयलें पाटी आपवन हाड. कोणांयलागीं कितेंय उलोंक वचानाका. घरची चावी तुजेलागीं आसा, ती सांवाळन दवर.
(सेलीन आपल्या कुडाक वोचोन एक मगण्या पुसतक धवन पाटीं वेता)

विल्मा : म्हाका शांती लागीं उलोंक जाय आंटी!

ऐडा : शांती... कोण शांती विशयांत उलयताय पुता तूं?

विल्मा : तूं आजाप्लीय कितयाक आंटी? तुजी धुव शांती...!

ऐडा : एक दीस खंडीत आपवन वरता पुता. आतां ताका भेटोंक कोणायकी दिनांत.

विल्मा : तूं शांतीचो मोस्तु मोग करतायगी आंटी?

ऐडा : (ताचा मुग्ध उत्रांक जवाब दिंवक सकाना वगार रडता)

विल्मा : आंटी तूं रडताय? हावें तुका दुखयलेंगी? सोरीं आंटी.

ऐडा : म्हजें एकलेंच माणीक तें रडानास्ताना आनी कितें करूं पुता. किल्लया मोगान आनी आपुरवायेन ताका आमीं पोस्लें आनी आतां...

ವಿಲ್ಮಾ : ಆತಾಂ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ಆಂಟಿ ?

ಇಡಾ : ತೆಂ..... ತೆಂ... ನಾಂ... ತೆಂ ಸವಾಲ್ ಪರ್ತುನ್ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ವಿಚಾರಿನಾಕಾ. ಕಿತ್ಯಾಕ ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಜವಾಬ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾ. ಚಲ್ ಆಮಿ ಗಾರ್ಡನಾಕ್ ಯಾ. ತುಜ್ಯಾ ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲಾ ಲಾಗಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಥೊಡೆಂ ಕಾಮ್ ಆಸಾ. ತಾಣೆ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಆಮಿ ಪಾಟಿಂ ಯೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೆಳನಾಸ್ತಾನಾ ವೊಚಾನಾ ಆಂಟಿ

[ರಂಗ್‌ಮಂಚಾಚೆಂ ದಿವೆ ಸವ್ಕಾಸ್ ಪಾಲ್ವಾತಾತ್. ಪರ್ತುನ್ ಪೆಟ್ತಾನಾ ಡಾ.ಆಲೆಕ್ಸ್ ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರ್ನ್ ಆಸಾ. ಭಿತರ್ ಥಾವ್ನ್ ಇಡಾ ಸವ್ಕಾಸ್ ಬಾಯ್ರ್ ಯೇವ್ನ್ ಎಕಾ ಕುಶಿನ್ ಉಬಿ ರಾವ್ತಾ]

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಇಡಾ..... ಪರ್ತುನ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ವಿಚಾರ್ತಾಂ. ದಯಾಕರ್ನ್ ಮೊನ್ ಫುಟ್ ಕರ್ ಆನಿ ಎಕಾ ನಿರ್ಧಾರಾಕ್ ಯೆ.

ಇಡಾ : ನಾ ಡಾ! ಆಲೆಕ್ಸ್ ತೆಂ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾ. ತುಂಚ್ ಸಾಂಗ್....ತೆಂ ಕಶೆಂ ಸಾಧ್ಯ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಸಗ್ಳೆಂ ತುಜ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸಾಂ. ತುಂ 'ಹಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ಆನಿ ಸಗ್ಳೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ಜಾತಾಲೆಂ. ಮುಕ್ಲಿ ಸಗ್ಳಿ ತಯಾರಾಯ್ ಹಾಂವ್ ಕರ್ತಾಂ. ಡಾ! ಶೇಟ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಉಲ್ಲೈಲಾ. ಹೊ ಪ್ರಸ್ತಾಪ್ ಹಾವೆಂಚ್ ತಾಚೆ ಮುಖಾರ್ ದವರ್‌ಲ್ಲೊ. ತಾಚಿಯಿ ಅಬಿಪ್ರಾಯ್ ಮ್ಹಜಿಚ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತುಜಿ ತಾಕಾ ಬಿರ್ಮತ್ ಆಸಾ. ತುಜಿ ತರ್ ಒಪ್ಪಿಗೆ ಮೆಳ್ಳಿ ಕಿತ್ಲಿಶಿಂ ತೊಂಡಾಂ ಸಂತೊಸಾನ್ ಪುಲ್ತೆಲಿಂ.

ಇಡಾ : ತೆಂ ಜಿವಂತ್ ಆಸ್ತಾನಾ ತಾಕಾ ಸುಖ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಮೆಳ್ಳೆಂ ನಾ ಆನಿ ಆತಾಂ ತಾಚೆಂ ಮರಣ್ ನಿಶ್ಚಿತ್ ಮ್ಹಣ್ ಜಾಣಾ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್... ನಾಂ ಡಾಕ್ಟರ್... ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ವತ್ತಾಯ್ ಕರಿನಾಕಾ... ಪ್ಲೀಜ್... ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ತಾಚಿ ವೀದ್ ವಾವ್ಳಿ ಜಾತೆಲಿ ಆನಿ ಲೋಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಖೆಂಡ್ತೊಲೊ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹೆಂ ತುಜೆಂ ಚುಕಿಚೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಇಡಾ. ತುವೆಂ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಮಹಾನ್ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಲೋಕ್ ತುಕಾ ಖೆಂಡ್ಚೊ ನಾ ಬಗಾರ್ ಹೊಗೊಳ್ಸಿತೊಲೊ.... ವ್ಹಯ್.... ತುಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ಲಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಹಾಂವ್ ವಾಚುಂಕ್ ಸಕ್ತಾಂ... ಖಂಚಾ ಥರಾಚೆಂ ಝುಜ್ ತುಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಚಲ್ತಾ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ. ಪುಣ್ ತುಜ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಕರ್ನೆವರ್ವಿ...... ತುಂ ಚೂಕ್ ಆಧಾರಿನಾಂಯ್ ಬಗಾರ್ ಪೂನ್ ಜೊಡ್ತಾಯ್.

ಇಡಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಚೆಂಯ್ ಸಮ್ಜಾನಾ ಡಾಕ್ಟರ್. ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ವತ್ತಾಯ್ ಕರ್ತಾಯ್. ಪುಣ್ ಆವಯ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜೆಂ ಮನ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಆಯ್ಕಾನಾ. ನಾ... ನಾ... ಹೆಂ ಕೆದಿಂಚ್ಚ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಶಾಂತಿಚಾ ಮೊಗಾನ್ ತುಕಾ ಕುಡ್ಡೆಂ ಕೆಲಾಂ ಇಡಾ. ತುಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ? ಪಳೆ ಹ್ಯಾ ಘರಾಚೆರ್ ಎಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಫಾಲ್.ಆತಾಂ ಏಕ್ ಹಪ್ತೊ ಥಾವ್ನ್ ತುಂ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆಸಾಯ್. ಹ್ಯಾ ಘರ್ಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಸಾಂಗಾಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ತಾಚೆಬರಿ ನ್ಹೈಂ.

ಇಡಾ : ಪ್ಲೀಜ್ ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಲೆಕ್ಸ್.... ಮ್ಹಾಕಾ ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ಮ್ಹಜೆ ಇತ್ಲ್ಯಾಕ್ ಸೊಡ್. ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಸಾಂಗುಂಕ್ ಸಕಾನಾ.

विल्मा : आतां कितें जालें आटीं?

ऐडा : तें...तें... नां... तें सवाल पर्तुन तूं म्हाका विचारीनाका. कितयाक हांव जवाव दिंवक हांव सकाना. चल आमी गार्डानाक या. तुज्या डॉक्टर अंकला लागीं म्हाका थोडे काम आसा. ताणें येंवच्या पयलें आमी पाटीं येंवक जाय.

विल्मा : डॉक्टर अंकल म्हाका मेळानासताना वोचाना अंटी! (रंगमंचाचें दिवे सवकास पालवातात. पर्तुन पेटताना डा। आलेक्स पासायो मार्न आसा. भितर थावन ऐडा सवकास वायर येवन एका कुशीन उवी रावता)

आलेक्स : ऐडा... पर्तुन हांव तुका विचार्तां. दयाकर्न मोन गट कर आनी एका निर्धाराक ये.

ऐडा : ना डा। आलेक्स तें भिलकुल साध्य ना. तुंच सांग... तें कशें साध्य...?

आलेक्स : सगळें तुज्या हातांत आसा. तूं हां म्हण आनी सगळें सार्कें जातेलें. मुकली सगळी तयारय हांव कर्तां. डा। शेट म्हजेलागीं उलयला. हो प्रसताप हावेंच ताच मुखार दवर्ल्लां. ताचीई अविप्राय म्हर्जीच जाव्नासा. तुजी ताका भिर्मोत आसा. तुजी तर ओप्पींग मेळ्ळी कितली शीं तोंडा सांतोसान फुलतेलीं.

ऐडा : तें जीवंत आस्ताना तुका मुख म्हळळेंना आनी तें ताचें मरण निश्चीत म्हण जाणा जाल्या उप्रांत... नां डॉक्टर... तूं म्हाका वत्ताय करीनाका प्लीज... ह्या वर्वीं ताची वीद वावळ्ळी जातेली आनी लोक म्हाका खेंडतोलो.

आलेक्स : हें तुजें चुकिचें चिंताप ऐडा. तुवें कर्चया ह्या महान कार्याक लोक तुका खेंडचो ना वगार होगोळसीतोलो... व्हय... तुज्या मतींतली चिंत्लां हांव वाचुंक सकतां...खंचा थरचें झुज तुज्या मतींत चलता तें हांव जाणा. पुण तुज्या ह्या कर्नेवर्वीं तूं चूक आधारीनांय वगार पून जोडताय.

ऐडा : म्हका खंचेंय समझाना डॉक्टर. तूं म्हाका वत्ताय कर्ताय. पुण आवय जाल्या म्हजें मोन विल्कुल आयकाना। ना... ना... हें केदींच साद्य ना.

आलेक्स : शांतीच्या मोगान तुका कुड्डें केलां ऐडा. तुका कितयाक दिसाना? पळे हया घाराचेर एक दिप्ट घाल. आतां एक हस्तो थावन तूं हांगासर आसाय. ह्या घरची परीस्थी हावें तुका सांगाजाय म्हण ना. पुण तूं ताचे वरी नहीं.

ऐडा : प्लिज डॉक्टर आलेक्स, म्हाका थोडो वेळ म्हजे इतल्याक सोड. आतां हांव तुका कितेंच सांगोक सकाना.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜಾಯ್ತ್ ಐಡಾ. ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ವೆತಾಂ ಚಿಂತ್ ಆನಿ ಎಕಾ ನಿರ್ಧಾರಾಕ್ ಯೆ. ಫಾಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತುಜಿ ಜವಾಬ್ ಜಾಯ್. ಆಮ್ಚೆಲಾಗಿಂ ಚಡ್ ವೇಳ್ ನಾಂ. ದೀಸ್ ವೆತಾಂ ವೆತಾಂ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಭಿಗ್ಡೊನ್ ವೆತಾ.... ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ವೆತಾಂ... ವಿಲ್ಮಾ ತಾಚ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಆಸಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : (ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾಯ್ರ್ ಯೆತಾ) ಗುಡ್ ಇವ್ನಿಂಗ್ ಡಾ| ಆಲೆಕ್ಸ್.... ಆಯ್ಲೊ ತುಜೊ ದೀಸ್ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತ್ತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮ್ಹಜೊ ಹರ್ಯೆಕ್ ದೀಸ್ ಬರ್‍ಯಾನ್ಂಚ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾ ಜೆಸಿಂತಾ. ಪುಣ್ ತುವೆಂ ಆಜ್ ತಶೆಂ ವಿಚಾರುಂಕ್ ಕಾಂಯ್ ವಿಶೇಷ್ ಕಾರಣ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಮ್ಚೆಂ ದಾಕ್ತೆರಾಂಚೆಂ ನಶಿಬ್ ಬರೆಂ ಆಸಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆಜ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಶಿಬಾಕ್ ನಾಂವಾಡ್ತಾಯ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : ನೈಂ.... ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ನರ್ಸಾಂ ಥೊಡೆಂ ಪಾಪ್ಪಿಂ ಬೊರಿಂ... ಸೊಬಿತ್ ಪೇಶಂಟಾಂ.... • ಆನಿ ಚುಕ್ಲ್ಯಾರ್ ಪೇಶಂಟಾಂಚ್ಯೊ ತರ್ನ್ಯೊ ತರ್ನ್ಯೊ ಆವಯೊ... ಒಟ್ಟಾರೆ ತುಮ್ಚಿಂ ಪಾಂಚೀ ಬೊಟಾಂ...

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜೆಸ್ಸಿ...! ತುಂ ಕಿತೆಂ ಉಲೈತಾಯ್ ತೆಂ ಜಾಣಾಂಯ್? ತುಂ ಮ್ಹಜಿಂ ನ್ಹಯ್ ಬಗಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪ್ರೊಫೆಶನಾಂಚಿ ಖೆಳ್ಕುಳಾಂ ಕರ್ತಾಂಯ್. ತೊಂಡಾಂತ್ ಜೀಬ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಕಶೆಂಯ್ ಉಲೈಲ್ಯಾರ್ ಚಲ್ತಾ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತಿನಾಕಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಆರೆ! ಕರ್ಮಾಂ ಜಾಲಿಂಮೂ! ಹಾಂವ್ ಖೈಂ ಚುಕೊನ್ ಉಲೈಲಿಂ ವ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ? ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್ ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ತೀಕ್ ಲಾಗ್ತಾ. ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಕಾರಾಣಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ ನೈಂವೇ ತುಂ ಆಜೂನಿ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಂಯ್!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವ್ ಕಾಜಾರ್ ಖಂಚ್ಯಾ ಕಾರಾಣಾಕ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಂ ತಾಚೊ ವಿಚಾರ್ ತುಕಾ ದಿಂವ್ಕ್ ನಾ.ತುಚೆಂ ಹ್ಯಾ ರಿತಿಚೆಂ ಉಲೊವ್ಣಂ ಆಸಾ ಪಳೆ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ಘೊವಾಲಾಗಿಂಚ್ ಉಲೈ.

ಐಡಾ : ತುಂ ಚುಕೊನ್ ಉಲೈತಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಬೊಗಾನಾಂಗಿ ಬಾಯೆ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಮಧೆಂ ಉಲೈನಾಕಾ ಐಡಾ. ತುಜೆಲಾಗಿಂ ಹಾಂವ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಉಲೈತಾಂ. ತುವೆಂ ದಾಕ್ತೆರಾಚಿ ವಕಾಲಾತ್ ಕರ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾಂ. ತುಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಚಡ್ಪಡ್ತಾಯ್ ಮ್ಹಳೆಂಯ್ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವಿವಿಯಾನ್ ಖೈಂ ಆಸಾಂ... ತಾಕಾ ಬಾಯ್ರ್ ಆಪಯ್.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಪೈಜಾಯ್. ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ಉಲೊಂಕ್ ಆಸಾಂ ತೆಂ ಮ್ಹಜೆಂಲಾಗಿಂಚ್ ಉಲೈಯ್. ತುವೆಂ ತಾಚೆಂ ಲಾಗಿಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಂಪ್ಲೆಂಟ್ ದಿಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ದಾಂವ್ಡಾಂವ್ಚೆಂ ವ ಮ್ಹಜೆ ಮುಖಾರ್ ಉಬೊ ರಾವೊನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ವಿರೊದ್ ಏಕ್ ಸಬ್ದ್ ಉಚಾರ್ಚೆಂ ಧೈರ್ ತಾಚೆ ಲಾಗಿಂ ನಾ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್. ತುಜಾ ಆನಿ ಐಡಾ ಮಧೆಂ ಚಲ್‌ಲ್ಲೆಂ ಉಲೊಣೆಂ ಥೊಡೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ ಪಡ್ಲೆಂ.

ಐಡಾ : ಆಮ್ಚೆಂ ಮಧ್ಲೆಂ ಉಲೊಣೆಂ? ಆಮಿ ತುಮ್ಚೆ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಉಲೊಂಕ್ ನಾಂವ್ ಬಾಯೆ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವೆಂ ಖೈಂ ಮ್ಹಳೆಂ ತುಮಿ ಆಮ್ಚೆಂ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಉಲೈಲ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಣ್. ಕಾಲ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಪ್ರವೇಶ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತುಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂತ್ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂ

लेक्स : जायत आयडा. आतां हांव वेतां चिंत आनी एका निर्धाराक य. फालयां भितर म्हाका तुजी जवाब जाय. आमचेलागीं चड वेळ नां. दीस वेतां वेतां परीस्थिती भिगडोन वेता. आतां हांव वेता विल्मा ताच्या कुडांत आसा.

सीतां : (आपल्या कुडा थावन भायर येता) गुड इव्नींग डा! आलेक्स आयचो दीस वरयान पाशार जालो म्हण चिंत्तां.

लेक्स : म्हजो हर्येक दीस वऱ्यानंच पाशार जाता जेसींता. पुण तुवें आज तशें विचारुंक कांय विशेष काराण?

सींता : तुमचें दाकतेरांचें नशीव वरें आसा.

आलेक्स : आज कितें म्हज्या नशीवाक नांवाडताय?

सींता : नहीं... आम्पत्रेंत नर्सां, थोडें पावटीं वांगी... सोभीत पेशेंटा... आनी चुकलयार पेशेंटांच्यो तर्नयो तर्नयो आवयां... ओटटारें तुम्चीं पांची वोटां...

आलेक्स : जेर्म्मी...! तूं कितें उलयताय तें जाणांय? तूं म्हजीं नहीं वगार म्हज्या प्रोपेशनांची खेळकुळां कर्तांय. तोंडांत जीव आसा म्हण कशेंय उलयल्यार चलता म्हण चिंतींनाका.

जेसींता : आरे कर्मा जार्लामू! हांव खंय चुकोन उलेयलीं? आस्लें आसल्यावरी सांगल्यार थोडयांक तीक लागता. त्याच कारणाक लागोन न्हंयवे तूं आजूनी काजार जांवक नांय.

आलेक्स : हांव काजार खंच्या कारणाक जांवक नां ताचो विचार तुका दींवक ना. तुजें ह्या रितीचें उलोवणें आसा पळे तूं तुज्या घोवालागींच उलय.

आयडा : तूं चुकोन उलयताय म्हण तुका वोगानांगी वाये?

जेसींता : तूं मधें उलयनाका आयडा. तुजेलागीं हांव उप्रांत उल्यैतां. तुवें दाकतेराचीं वकालात कर्ची गर्ज नां. तूं कितयाक चड्वडताय म्हळेंय हांव जाणा.

आलेक्स : विवियान खंय आसां ताका वायर आपय.

जेसींता : ताका कितयाक आपयजय. तुका कितें उलोंक आसां तें म्हजेंलागींच उलय. तुवें ताचेंलागीं म्हजें कांप्लेंट दीलयार म्हाका ह्या घरा वायर दांव्डांवचें व म्हजें मुखार उबो रावोन म्हजें विरोद एक मव्द उचार्चें दैर्य ताचें लागीं ना म्हण तूं जाणांय. तुजा आनी एडा मधें चलल्लें उलोणें थोडें म्हज्या कानांत पडलें.

आयडा : आमचें मधें उलोणें? आमी तुमचें विशयांत उलंवक नांव वाये.

जेसींता : हावें खंय म्हळे तुमी आमचें विशयांत उलयतात म्हण. कालच्या दिसा हया घरांत प्रवेश घेतल्या तुज्या तोंडांत थावन कितें आयील्लें तर तूं आनी तुजें पेट भिचाणें ह्या

ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ತರ್ ತುಂ ಆನಿ ತುಜೆಂ ಪೇಟ್ ಭಿಚಾಣೆಂ ಹ್ಯಾ ಘರಾಚಾ ಉಂಬ್ರಾ ಬಾಯ ಆಸ್ತೆಂ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ. ತುಮ್ಚೆ ಮಧೆಂ ಚಲ್ತಾ ತರಿ ಕಿತೆಂ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಕೊಣಾಂ ಮಧೆಂ ಕಿತೆಂ ಚಲ್ತಾ! ಆರೆ ಆಲೆಕ್ಸ್.....ತುಂ ಆಜೂನಿ ವಚೊಂಕ್ ನಾಂಯ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಬೊರಿ ಗವರ್ನೆಸ್ ತಲಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದಿಲ್ಯಾಯ್ ತುವೆಂ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಬೊರಿ ಗವರ್ನೆಸ್ ತಲಾಸ್ ಕರುನ್ ದಿಲ್ಯಾ! ಕಿತೆಂ ಮೊಂವ್ ಘುಳ್ತಾಗಿ ತುಜಾ ತೊಂಡಾಂತ ತಿಕಾ ಪಳೆತಾನಾ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಜೆಸ್ಸಿ ಡಿಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತುಂ ಆಸ್ತಾನಾ ದುಸ್ರ್ಯಾಚೆರ್ ದೊಳೊ ಕಿತ್ಯಾಕ್? ಐಡಾ ಹ ಘರಾಂತ್ ಗವರ್ನೆಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಜಾಯ್ತಿ ಸುಟ್ಕಾ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾ. ತುಂ ತಾಚೆಂ ಲಾಗಿಂ ತರಿ ಮೊಗಾನ್ ಉಲ್ಯೆ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವ್ ಎದೊಳ್ ವರೇಗ್ ಕೊಣಾಯ್‌ಲಾಗಿಂ ಮೊಗಾನ್ ಉಲ್ಯೆಲ್ಲಿಂ ನಾ. ಆನಿ ಉಲೊಂವ್ಚೊ ಇರಾದೊಯ್ ನಾ. ತುಜ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ ರೋಗ್ ತುಜಾ ಆತ್ಮೀಯ ಮಿತ್ರಾಕ್ ಆಲೆಕ್ಸಾಕ್ ಲಾಗ್ಲಾ. ತೊ ತುಜಾ ಗವರ್ನೆಸಾಚಾ ಮೊಗಾರ್ ಪೊಡ್ಲಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮೈ ಗೊಡ್ ವಿವಿಯಾನ್ ಪ್ಲೀಜ್.......ತುಜ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚಾ ಉಲೊಣ್ಯಾಚೆರ್ ಆನಿ ಚಿಂತ್ಪಾಚೆರ್ ದಯಾಕರ್ನ್ ಖಾಡುಂ ಘಾಲ್ಚೆಂ ಪ್ರಯಾತನ್ ಕರ್. ದೆರ್ ಶುಡ್ ಬಿ ಸಮ್ ಲಿಮಿಟ್!

ಜೆಸಿಂತಾ : ಮ್ಹಜೆರ್ ಖಾಡುಂ ಘಾಲುಂಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾಯ್ ಆಲೆಕ್ಸ್... ತೆಂಯ್ ವಿವಿಯಾನಾಕ್ ..... ಸಾದ್ಯ್ ನಾ .... ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ.

ಐಡಾ : ದಾಕ್ತೆರ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಲಾಗಿಂ ಮೊಗಾಚ್ಯೊ ಗಜಾಲಿ ಕರಿನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಬಾಯೆ ಬಗಾರ್....

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಶಟ್ ಆಪ್ ಐಡಾ.... ಹ್ಯಾ ಮನ್ಸಾಂ ಮುಖಾರ್ ತುಜೆ ಆನಿ ಮ್ಹಜೆಂ ಮಧೆ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಉಲೊಣೆಂ ಉಗ್ಡಾಪೆಂ ಕರ್ಚಿ ಗರ್ಜ್‌ನಾ. ತಿಂ ತ್ಯಾ ಲಾಯೆಕ್ ನ್ಹಂ. ಹಾವೆಂ ಕಿತೆಂ ಚಿಂತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತಾಚೆ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪರತ್ ವಿಚಾರ್ ಕರ್ಯಾಶೆಂ ಭೊಗ್ತಾ. ಹಾಂವ್ ಆತಾಂ ವೆತಾಂ.ಕಿತೆಂ ನಿರ್ಣಯ್ ಘೆತ್ಲಾ ತೆಂ ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಸಾಂಗ್ತಾಂ. (ಆಲೆಕ್ಸ್ ವಿಲ್ಮಾಚಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾ)

ಜೆಸಿಂತಾ : ತಾಕಾ ರಾಗ್ ಕಸೊ ಆಯ್ಲೊ ಪಳೆ. ಸೊಸ್ಚಿಕಾಯೆಚೆಂ ಲೆಕ್ಚರ್ ದಿತಾಲೊ. ಆತಾಂ ನೆಣಾರ್ಯಾಂಚೊ ವೇಸ್ ಪಾಂಗ್ರುನ್ ವಿಷಯ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ಪಳೆತಾ ಪಳೆ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಮೈ ಡಿಯಾರ್ ಜೆಸ್ಸಿ, ಆಲೆಕ್ಸಾ ವಿಶೆಂತ್ ತುಜೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಚುಕಿಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಬೊಗಾನಾಂಗಿ? ಪಿ ತಾಚಿ ಪ್ರಾಯ್ ಮೊಗಾರ್ ಪಡ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಪಳೆ. ಜರ್‌ತರ್ ರಾಗಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಣೆಂ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ಸೊಡ್ಲೆಂ ತರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಚೆಂ ಕಿತೆಂ ಜಾತೆಲೆಂ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಮೊಗಾಕ್ ಆನಿ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಪ್ರಾಯೆಚಿಂ ಪರ್ವಾ ಆಸಾನಾ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಸತ್ತರ್ ಆಯ್ಕಿಂ ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯೆಚೆ ಮ್ಹಾತಾರೆ ಸೈತ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾತ್. ಸದಾಂಯ್ ಪೇಪರಾರ್ ವಾಚಿನಾಂಯ್ವೆ ತುಂ ಆನಿ ಉರ್ಲೆಂ ತ್ಯಾ ದಳಿದ್ರ್ ಚೆಡ್ವಾಚೆಂ. ಆಮ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣಾನಾಕಾ...ಆಲೆಕ್ಸಾನ್ ಎದೊಳ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ. ಮಹಿನ್ಯಾ ಮಹಿನ್ಯಾಕ್ ತಾಚೆಂ ಫಿಸ್ ಘೆತಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತೆಂ ಚೆಡುಂ ಆಮ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ ಆನಿ ಕೊಣಾಚೆಂ? ತುಂ ತಾಕಾ ಸದಾಂಯ್ ಗಾಳಿ

घराचा उंब्रा वयर आसतें आसल्लें. तुम्चें मधें चलता तरी कितें?

विवियान : कोणां मधें कितें चलता! आरे आलेक्स... तूं आजूनी वचोंक नांय? आमच्या विल्माक वोरी गवर्नेस तलास कर्न दिल्याय तुवें!

जेसींता : गवर्नेस तलास करन दिल्या! कितें मोंव गळतागी तुजा तोंडांत तिका पळेताना?

विवियान : जेस्सी डीयार म्हाका तूं आस्ताना दुसरयाचेर दोळो कितयाक? आयडा ह्या घरांत गवर्नेस जावन आयल्या उप्रांत म्हाका जायती सुटकां मेळळया. तूं ताचें लागीं तरी मोगान उलय.

जेसींता : हांव एदोळ वरेग कोणायलागीं मोगान उलयलीं ना आनी उलोंवचो इरादोय ना. तुज्या त्या मोगाचो रोग तुजा आत्मीय मित्राक आलेक्साक लागला. तो तुज्या गर्वेनेसाच्या मोगार पडला.

आलेक्स : माय गोड! विवियान प्लिज... तुज्या वायलेच्या उलोणयाचेर आनी चिंत्पाचेर करून खांडू घाल्चें प्रयातन कर. देर शुड भी सम लिमीट.

जेसींता : म्हजेर खाडुं घालुंक मांगताय आलेक्स... तेंय विवियानाक... साध्य ना... भिल्कुल साध्य ना.

आयडा : दाकतेर म्हजेंलागीं मोगाच्यो गजाली करीनातलो वाये वगार...

आलेक्स : शट आप आयडा... ह्या मन्शां मुखार तुजें आनी म्हजें मधें जाल्लें उलोणें उगडापें कर्ची गर्ज ना. तीं त्या लायक न्हंय. हावें कितें चिंतल्लें ताचें विश्यांत म्हाका परत विचार कर्याशें भागता. हांव आतां वेतां. कितें निर्णय घेतला तें तुका हांव फाल्यां सांगतां. (आलेक्स विल्मांचा कुडाक वेता)

जेसींता : ताका राग कसो आयलो पळे. सोर्ग्णीकायेचें लेकचार दितालो. आतां नेणारयांचो वेस पांग्रुन विषय वदलुंक पळेता पळे.

विवियान : मै डीयार जेस्सी, आलेक्सा विशेंत तुजें चिंताप चुकिचें म्हण तुका भगांनांगी? ही ताची प्राय मोगार पडचीं नहीं पळे. जरतर रागार जावन ताणें येंवचें सोडलें तर आमच्या चेडवाचें कितें जातेलें?

जेसींता : मोगाक आनी काजाराक प्रायेचीं पर्वा आसाना. आयच्या संसारांत सत्तर आय्शीं वर्सां प्रायेचें म्हातारे सैत काजार जातात. सदांय पेपारार वाचीनांयवे तूं आनी उर्ले त्या दळीद्र चेडवाचें. आमचें म्हणानाका आलेक्सान एदोळ केल्लें तरी कितें आसा. महिन्या-महिन्या ताचें फिस घेता.

विवियान : तें चेडुं आमचें न्हयं आसतां आनी कोणाचें तूं ताका सदांय गाळी शिराफ शिवय

ಶಿರಾಪಾ ಶಿವಾಯ್ ಕಿತೆಂ ದಿತಾಯ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಪುಲಾಂ ಘಾಲಿಜಾಯ್? ತುಂ ಆತಾಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಮೊಥ್ ಆನಿಕೀ ಪಾಡ್ ಕರಿನಾಕಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಜಾಯ್ತಿಂ ಕಾಮಾಂ ಸಂಪಂವ್ಕ್ ಆಸಾತ್. ಆನಿ ತುಂ ಐಡಾ... ತುಜೆರ್ ಬಿರ್ಮತ್ ಚಿಂತುನ್ ತುಕಾ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಕಾಮಾಕ್ ದವರ್‍ಲೆಂ. ದಾಕ್ತೆರಾ ಲಾಗಿಂ ಕಸಲೊಯ್ ಸಂಬಂಧ್ ದವರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತೆಂ ಪೊಡೊನ್ ವಚೊಂಕ್ ನಾ. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ನ್ಹಯ್. ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ತುಮಿ ಕಿತೆಂಯ್ ಕರಾ. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಭಿತರ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪರ್ವಣ್ಗೆ ವ್ಹಿಣೆ ವ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಖುಶೆ ವಿರೊಧ್ ತುವೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಕರುಂಕ್ ನಜೊ.

ಐಡಾ : ಹಾವೆಂ ತುಮ್ಕಾಂ ವಾಯ್ಟ್ ಲಾಗ್ಚ್ಯಾ ತಸಲೆಂ ಕಸಲೆಂಯ್ ಮೇಟ್ ಕಾಡುಂಕ್ ನಾ ಬಾಯೆ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಆತಾಂ ತಾಚ್ಯಾ ಪಾಟಿಕ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಲಾಗ್ತಾಯ್‌ಬಾ. ಆತ್ತಾಂ ಮ್ಹಣಾಲೆಂಯ್ ತುಕಾ ಜಾಯ್ತಿಂ ಕಾಮಾ ಆಸಾತ್ ಮ್ಹಣ್.... ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಗ್ಳಿ ರಾತ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ತುಜಿಂ ಕಾಮಾ ಮುಗ್ದಾನಾಂತ್.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಮಧೆಂ ಉಲೈನಾಕಾ. ತುಕಾ ವಿಚಾರ್‍ಲ್ಯಾರ್ ಮಾತ್ರ್ ಜಾಪ್ ದಿ. ಆನಿ ಜರ್‌ತರ್ ಉಬೆಕ್ ಸದಾಂಯ್ ಹಾಂವ್ ಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಜಾಗರಣ್ ಕರಿಜಾಯ್. ಆಜ್ ತುವೆಂ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ಗಾರ್ಡನಾಕ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ವೆಲ್ಲೆಂಯ್ ಐಡಾ? ತುಕಾ ಕೊಣ್ಯೆಂಯಿ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾಂ. ತಾಕಾ ಬಾಯ್ರ್ ವ್ಹರೊಂಕ್ ಆಡ್ವಾಲ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್!

ಐಡಾ : ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾಂ ಬಾಯೆ. ತಾಕಾ ಹಾವೆಂ ಮ್ಹಜಾಚ್ಚ್ ಜವಾಬ್ದಾರೆರ್ ಬಾಯ್ರ್ ವೆಲ್ಲೆಂ. ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ತುಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಲ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ತಾಚೆ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ತುಮಿ ಚಿಂತ್ತಾ ಕರ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತಾಚಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಚಿಂತಾ ನಾ ಐಡಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸೊಸೈಟೆಂತ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಆಸಾ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಫ್ರೆಂಡ್ಸಾಂಕ್ ಹಾವೆಂ ತೊಂಡ್ ದಾಕವ್ಕ್ ಆಸಾಂ. ವಿಲ್ಮಾ ಕುರ್ಡೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಕೊಣೀ ನೆಣಾಂತ್ ಆನಿ ಕಳೊಂಕಿ ನಜೊ. ದೆಕುನ್ ತಾಕಾ ಘರಾ ಬಾಯ್ರ್ ವರ್ಚೆಂ ನೈಂ ಆನಿ ಘರಾ ಕೊಣೀ ಆಯ್ಲಿಂ ತರ್ ತಾಕಾ ಬಾಯ್ರ್ ಹಾಡ್ಚೆಂ ನೈಂ.

ಐಡಾ : ಪುಣ್ ಬಾಯೆ... ತೆಂ ಕಿತ್ಲೆ ದೀಸ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಭಿತರ್ ಬಾಂದ್ಪಾಸಾಂತ್ ಜಿಯೆತಲೆಂ.ತಾಕಾ ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ಬಾಯ್ರ್ ವೆಲೆಂ ತರ್ ತೆಂ ಕಿತ್ಲೆಂ ಸುಡ್ಸುಡಿತ್ ಜಾತಾ ಪಳೆ. ತಾಕಾ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ವಾರ್‍ಯಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಕಾ ಕಿತ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ ತೆಂಚ್ ಕರ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಲೆಕ್ಚರ್ ದಿಂವ್ಕ್ ವೊಚಾನಾಕಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತಾಣೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಯಾಂತ್ ಚೂಕ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾಬಾ. ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ಬಾಯ್ರ್ ಭೊಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ಬಾವ್ತೆಂ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಆಜ್ ತಾಚ್ಯಾ ಭಂವ್ಪ್ಯೆಂ ವರ್ವಿಂ ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಕ್ ಕಾತರ್ಲೆಂ ತೆಂ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್? ಮ್ಹಜಾ ಎಕಾ ಫ್ರೆಂಡಾನ್ ತಾಂಕಾಂ ಬೊಂಗ್ಲ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾಯ್ರ್ ವೆತಾನಾ ಪೊಳೊವ್ನ್ ಸೊಡ್ಲೆಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುವೆಂ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳೆಂಯ್! ತೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಆಯಾಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಆಸ್ತೆಲೆಂಯ್.

किर्तें दिताय?

सींता : आनी किर्तें फुलां घालीजय? तूं आतां म्हजें मूढ आनीकी पाड करीनाका. म्हाका जायतीं कामा संपांवक आसात आनी तू आयडा तुजेर भिर्मोत चिंतुन तुका हांगासार कामाक दवरलें. दाकतेरलागीं कसलोय संवंध दवर म्हाका तें पडोन वचोंक ना. पुण ह्या घरांत नहीं. ह्या घरा भायर तुमी कितेंय करा. पुण ह्या घरा भितर आसताना म्हज्या परवणगे विणे व म्हज्या खुशे विरोध तुवें कितेंच करुंक नजो.

आयडा : हावें तुमकां वायट लागच्या तसलें कसलेंय मेट काडुंक ना वाय.

विवियान : आतां ताच्या पार्टीक कितयाक लागतायवा. आत्तां म्हणालेंय तुका जायतीं कामा आसात म्हण उप्रांत सगळी रात म्हणासर तुजीं कामां मुगदानांत.

जसींता : तूं मधें उलैनाका. तुका विचारल्यार मात्र जाप दी आनी जरतर उवेक सदांय हांव जाय जाल्यार जाग्रुत करीजय. आज तुवें चेडवाक घरा भायर गार्डानाक कित्याक वेल्लेंय आयडा? तुका कोणांयी सांगोंक नां. ताका वायर वोरुंक आडवर्लां म्हण.

आयडा : हांव जाणां वाय. ताका हांवें म्हज्याच जवाब्दारेर वायर वेल्लें. त्या चेडवाचीं जवाब्दारी तुमी म्हाका दिल्या म्हणताना ताचें विस्र्यांत तुमी चिंत्तां कर्ची गर्ज ना.

जसींता : ताची म्हाका चिंता ना आयडा. म्हाका म्हज्या सोसायटींत जियेंवक आसा. म्हज्या प्रेंड्सांक हावें तोंड दांकोंवक आसा. विल्मा कुडें म्हण कोणी नेणांत आनी कळोंकी नजो. देकुन ताका घरा भायर वर्चे नहीं आनी घरा कोणी आयली तर ताका भायर हाडचें नहीं.

आयडा : पुण वाये तें कित्लें दीस ह्या घरा भितर बांद्पासांत जियेतलें! ताका थोडो वेळ वायर वेल्लें तर तें कित्लें मुड्‌सुडीत जाता पळे. ताका वायल्या वाराच्ची गर्ज आसा.

जसींता : तुका कितलें सांगलां तेंच कर. म्हाका लेकचर दिंवक वोचानाका.

विवियान : ताणें सांगल्यांत चूक कितें आसा वा. थोडो वेळ वायर भोवोन येंवदी वावडें.

जसींता : आज ताच्या भंवडे वर्वीं म्हजें नाक कातर्लें तें तूं जाणांय म्हज्या एक फ्रेंडान ताकां वोंग्ळया थावन वायर वेताना पोळोवन सोडलें.

विवियान : तुवें कितें म्हळेंय तें भुर्गें आमच्या आयाचें म्हण सांग्लें आस्तेलेंय.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವೆಂ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ತೆಂ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ನ್ಹೈಂ ಪುಣ್ ಹಿ ಚೂಕ್ ಪರ್ತುನ್ ಘಡೊಂಕ್ ನಜೊ ಕಳ್ಳೆಂಮೂ?

(ವಿಲ್ಮಾ ದಾಕ್ತೆರಾ ಸಂಗಿಂ ರೂಮಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾಯ್ರ್ ಯೆತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಮಮ್ಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊವ್ಂಕ್ ವಚೊಂಕ್ ಸೊಡ್. ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸಾನಾ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ದಾಕೈನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತೊಂಡ್ ದಾಂಪ್‌ಗೊ ದಳ್ದಿರ್ಯಾ. ತುವೆಂ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ದಾಕೊಂವ್ಚೆಂ ನಾಕಾ ಆನಿ ಕೊಣೆಂಯ್ ಪಳೆಂವ್ಚೆಯಿಂ ನಾಕಾ.

(ಜೆಸಿಂತಾ ಧರ್ನಿಕ್ ಖೊಟಾವ್ನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾ. ದಾಕ್ತೆರ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಅಂಕಲ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕೆದಿಂಚ್ಚ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾಂಗಿ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಕೊಣ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ ತುಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾ ಮ್ಹಣ್. ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ಚ್ ತುಂ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಸರ್ವಾಂಕ್, ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ವಸ್ತುಂಕ್ ತುಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತೆಲೆಂಯ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ಅಶೆಂ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸದಾಂಯ್ ಸಾಂಗ್ತಾಯ್ ಅಂಕಲ್. ಎದೊಳ್ ವರೆಗ್ ಹಾಂವ್ ಚಿಂತ್ತಾಲಿಂ ಎಕ್ ದೀಸ್ ಹಾಂವ್ ಖಂಡಿತ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತೆಲಿಂ. ಪುಣ್ ಆತಾಂ ಮ್ಹಜೊ ಭರ್ವಸೊ... ನಾ... ನಾ... ಅಂಕಲ್ ಹಾಂವ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಚಿಂ ನಾ..... ತುಂ ಫಟಿ ಮಾರ್ತಾಯ್.... ನಾ ಹಾಂವ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಚಿಂ ನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವ್ ಫಟಿ ಮಾರಿನಾ ಬಾಯೆ. ತುವೆಂ ಪಳೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಬರಿ ಕರ್ಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಮ್ಹಜಿ. ಆತಾಂ ಬೊರ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಬರಿ ಭಿತರ್ ವಚ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಆತಾಂ ವಚೊಂಕ್ ವೇಳ್ ಜಾಲೊ.

(ವಿಲ್ಮಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾಂ)

ಬೊರಂ ಐಡಾ ಹಾಂವ್ ವೆತಾಂ. ಹ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ತುವೆಂ ಆಯ್ಕಲಿಂಯ್‌ಮೂ?



जेसींता : हावें कितें मागलें तें गर्जेचें नहीं पुण हीं चूक पर्तून घडोंक नजो कळ्ळेंमू

(विल्मा दाकतेरा संगीं रुमा थावन वायर येता)

विल्मा : मम्मी म्हाका भावांक वचोंक मांड. म्हाका दिसाना म्हण हांव कोणायकी दाकैना.

जेसींता : तोंड दांपगो दळ्ळद्र्या. तुवें कोणायकी दाकोंवचें नाका आनी कोणेंय पळेंव्वें नाका.
(जेसींता धर्णीक खोटावन आपल्या कुडाक वेता. दाकतेर विल्माक पोटलुन धर्ता.)

विल्मा : अंकल म्हाका केंदींच पळेंवक जांवचेंनांगी?

आलेक्स : कोण म्हणता तुका पळेंवक जांवचेंना म्हण. बगीब तूं खंडीत जांवन आमकां सर्वांक ह्या संसारांतल्या सर्व वसतुंक तूं पळेंवक सकतलेंय.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1260

विल्मा : अशें तूं म्हाका मदांय मांगताय अंकल. एदोळ वरेग हांव चितालीं एकें दीस हांव खंडीत पळेंवक सकतलीं. पुण आतां म्हजो भर्वासो... ना... ना... अंकल हांव पळेंवक सकचीं ना... तूं फटी मारताय... ना हांव पळेंवक सकचीं ना.

आलेक्स : हांव फटी मारीना वायें. तूं पळेंवच्या वरी करची जवावदारी म्हजी. आतां वारग्या भुर्गयावरी भितर वच. म्हाका आतां वचोंक वेळ जालो.
(विल्मां आपल्या कुडाक वेतां)
वरें आयडा हांव वेतां. ह्या भुग्ग्यांचीं उत्रां तुवें आय्कालींयमू?

ವಿವಿಯಾನ್ : ಜೆಸಿಂತಾನ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸತ್‌ಗೀ ಆಲೆಕ್ಸ್? ತುಂ ಹ್ಯಾ ಉತರ್ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಹ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆಲಾಗಿಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾಯ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಜಾ ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಹಾವೆಂ ಜವಾಬ್ ದೀಜೆ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಗಾನಾ ವಿವಿಯಾನ್..ತುಂ ಜ್ಯಾ ದಿಸಾ ಜಾಪಿಕ್ ಯೊಗ್ಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಗ್ತಾ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ತುಜ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಜಾಪಿ ದಿತಾ. ಆತಾಂ ಹಾವೆಂ ವೊಚೊಂಕ್ ಜಾಯ್.... ಗುಡ್ ನೈಟ್.

[ಆಲೆಕ್ಸ್ ವೆತಾ... ವಿವಿಯಾನ್ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಟೆಕ್ ಏಕ್ ಪಾಪ್ಚಿಂ ಆನಿ ಥಂಯ್ಸರ್ ಉಬಿ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಐಡಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾಪ್ಟಿಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾ]

ಐಡಾ : (ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರ್ತಾ) ದೆವಾ ತುವೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಯ್ಸರ್ ಹಾಡ್ನ್ ಪಾಯ್ಲೆಂಯ್. ಮ್ಹಜಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಲೊಕಾಕ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ. ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಸಮ್ಜಾನಾ? ದಾಕ್ತೆರಾಚಾ ಸಾಂಗ್ಣ್ಯಾಕ್ ಪಾಳೊ ದೀವ್ನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಳಾಚಿಂ ವೀದ್ ವಾಪ್ರಿ ಕರುಂ. ಜಲ್ಮ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ಕ್ ಹೆಂ ಕಶೆಂ ಪುಟ್ಚಾತ್. ಕಶೆಂ ಸೊಸಾತ್? ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮಾಧಾನೆಚಿ ವಾಟ್ ದಾಕಯ್ ಬಾಪಾ.....ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮತಿಕ್ ಸಮಾಧಾನ್ ದಿ.

(ಸವ್ಕಾಸ್ ದಿವೆ ಪಾಲ್ವ್ತಾತ್)

ಮಧ್ಯಾಂತರ್

ಭಾಗ್ ದುಸ್ರೊ

ದೃಶ್ಯ್ ಏಕ್

[ರಂಗ್‌ಮಂಚಾಚಿ ಸಜಪ್ನಿ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ದೃಶ್ಯಾ ಬರಿ. ಬಾಗ್ಲಾಂಚೆ ಕರ್ಟನ್ ಬದ್ಲಿ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್. ಮಧೆಂ ಏಕಾ ಟಿಪೊಯ್ಚೆರ್ ಕೇಕ್ ಮಾಂಡುನ್ ದವಲ್ರ್ಯಾ. ಬೊರೆಂ ವಸ್ತುರ್ ನೆಸ್ಲ್ಲೆಂ ವಿಲ್ಮಾ ಹಾತಿಂ ಸುರಿ ಘೆವ್ನ್ ಕೇಕ್ ಕಾತಾರ್ಚೆ ತಯಾರಿ ಕರ್ತಾ. ತಾಚಾ ದೊನ್ ಕುಶಿನಿಂ ಭರ್ಲಾಂ ಆನಿ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಆಸಾತ್. ವಿಲ್ಮಾಚಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಸೆಲಿನ್ ಉಬಿ ಆಸಾ]

ಸರ್ವಾಂ : ಹೆಪ್ಪಿ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಟೂಯೂ.
ಹೆಪ್ಪಿ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಟೂ ಯೂ
ಹೆಪ್ಪಿ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಟುಯೂ ಡಿಯರ್ ವಿಲ್ಮಾ
ಹೆಪ್ಪಿ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಟು ಯೂ

(ಸೆಲಿನ್ ವಿಲ್ಮಾಚಾ ಹಾತಾಕ್ ಧರ್ನ್ ಕೇಕ್ ಖಾತಾರ್ತಾ. ಕೇಕಿಚೊ ಏಕ್ ಕುಡ್ಕೊ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಖಾವಾಯ್ತಾ. ವಿಲ್ಮಾ ಏಕ್ ಕುಡ್ಕೊ ಘೆವ್ನ್ ಸರ್ವಾಂಕ್ ದಿತಾ)

ಸೆಲಿನ್ : ಆಜ್ ಹ್ಯಾ ಘುರ್ಗ್ಯಾಚಾ ಬೊರ್ಯಾ ದಿಸಾ ಹಾಂಕಾಂ ವೆಳಾರ್ ಘುರಾ ಯೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಜಲ್ಮಾಕ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಚೊ ಆಜ್ ಜನನ್ ದೀಸ್ ಮ್ಹಣ್ ತಿಂ ಜಾಣಾಂತ್‌ಗೀ ಮ್ಹಳ್ಳೊದುಬಾವ್ ಮಾರ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಿಂ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಘುರಾಂತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂಚ್ ಬೊರೆಂ ಜಾಲೆಂ ಆಂಟಿ. ಥೊಡೊ ವೇಳ್

वियान : जेसींतान सांगल्लें सतगी आलेक्स? तूं ह्या उतर प्रायेर ह्या स्त्रियेलागीं काजार जाताय?

लेक्स : तुजा ह्या सवालांक हावें जवाव दिजे म्हण म्हाका वोगाना विवियान तूं ज्या दिसा जापीक योग्या म्हण म्हाका भोगता त्या दीस तुज्या सर्व सवालांक हांव जापी दीता. आतां हांवें वचोंक जाय... गुडनैट.

(अलेक्स वेतां... विवियान आलेक्स गेल्या वाटेक एक पावटीं आनी थंयसर उवी आमच्या एंडाक एक पावटीं पळेवन आपल्या कुडाक वेता)

डा : (पासायां मार्ता) देवा तुवें म्हाका खंयसर हाडन पायलेंय. म्हजी परीस्थिती लोकाक कित्याक दिसाना. कित्या खातीर समजाना दाकतेरावाच्या सांगण्याक पाळो दिवन म्हज्या वाळार्चीं वींद-वाळी करूं. जल्म दिल्या आवयक हें कशें पुटवात. कशें सोसात? म्हाका समाधानेचीं वाट दाकय वापा... म्हज्या मतीक समाधान दी.

(सवकास दिवे पाल्वातात)

मध्यांतर

भाग दुसरो

दृश्य एक

(रंगमांचाची सजावणी पयल्या दृश्यावरी. वांगालांचे कर्टान वदली करूंक जाय. मधें एका टिपायचेर केक मांडुन दवर्लया. वरें वसतुर नेस्लें विल्मा हातीं सुरी घेवन केक कातरची तयारी कर्ता. ताचा दोन कुशीनीं आयडा आनी अलेक्स आसात. विल्माचा पाटल्यान सेलीन उवी आसा)

र्वा : हेप्पी वर्तडे टू यू
हेप्पी वर्तडे टू यू
हेप्पी वर्तडे टू यू डीयर विल्मा
हेप्पी वर्तडे टू यू
(सेलीन विल्माचा हाताक धर्न केक कातर्ता. केकीचो एक कुडको विल्माक खावायता। विल्मा एक कुडको घेवन सर्वांक दिता)

सेलीन : आज ह्या भुरग्याच्या वोग्या दीसा हांका वेळार घरा येंवक जायना. जल्माक हाडल्या ह्या चेडवाचो आज जनन दीस म्हण तीं जाणांतगी म्हळो दुवाव मार्ता म्हाका.

अलेक्स : तीं ह्या वेळार घरांत नातल्लींच वरें जालें आंटी. थोडो वेळ तरी तें आम्चयां सांगतांत

ತರಿ ತೆಂ ಆಮ್ಕಾ ಸಾಂಗಾತಾಂತ್ ಸಂತೊಸಾನ್ ಆಸೊಂದಿ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬರ್ತ್‌ಡೆಕ್ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ಹಾಡುಂಕ್ ನಾಂಯ್‌ಗಿ ಅಂಕಲ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮ್ಹಜೆಂ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ಕಿತೆಂ ತೆಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಾಂಗ್ತಾಂ. ಪಯ್ಲೆಂ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಚೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಘೆ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಬೆಸಾಂವ್ ದಿ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ದೆವಾಚೆಂ ಬೆಸಾಂವ್‌ಗೊ ಪುತಾ ತುಕಾ. ಧರ್ ತುಜ್ಯಾ ಜಲ್ಮಾ ದಿಸಾಕ್ ಮ್ಹಜಿ ಕಾಣಿ (ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಬಾಂಗಾರಾಚಿ ಚೇಯ್ನ್ ಕಾಡ್ನ್ ವಿಲ್ಮಾಚಾ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಗಾಲ್ತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಚೈನ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ !

ಸೆಲಿನ್ : ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭಾಂಗಾರಾ. ಆಜ್ ಥಾವ್ನ್ ಹಿ ತುಜ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಸೊಬೊಂದಿ. ದೆವಾನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪುತಾಕ್ ಆನಿ ಸುನೆಕ್ ಧಾರಾಳ್ ದಿಲಾಂ ತರೀ ತುಜೊ ಗಳೊ ತಾ ರಿತೊ ದವರ್ಲಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾತಾರೆಕ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್? ವೆತಾನಾ ಪೆಟೆಂತ್ ಕಾಂಯ್ ವರೊಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಹಿ ಚೈನ್ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್! ಆನಿ ಹಿ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ಚ್... ಹಾಂವ್ ಚೈನ್ ಗಾಲ್ನ್ ಕಶಿಂ ದಿಸ್ತಾಂ...?

ಐಡಾ : ತುಂ ಕಶೆಂ ದಿಸ್ತಾಯ್ ತೆಂ ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ಪಳೈತೆಲ್ಯೆಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತೆಂ ಪಳೈತೆಲೆಂ? ಹೆಂ ಕಿತೆಂ ಐಡಾ... ಯೆದೊಳ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆಲೆಕ್ಸಾಚ ತೊಂಡಾಂತ್ ಥಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲಿಂ ಆನಿ ಆಜ್ ತುಂ ಹ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್....

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಾಚಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಸತ್ ಆಸಾ ಆಂಟಿ. ಏಕಾ ಹಪ್ತ್ಯಾನ್ ಹಾಂವ್ ವಿಲ್ಮಾಚೆಂ ಒಪರೇಶನ ಕರ್ತೊಲೊಂ... ಆನಿ ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ತೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತೆಲೆಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಮ್ಹಜೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್ತಾಲೆಂಗಿ ಅಂಕಲ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವ್ಹಯ್ ಪುತಾ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ತುಕಾ ದಿಸ್ತೆಲೆಂ. ಸಂಸಾರಾಂತ್ಲೆಂ ಬೊರೆಂ ಆನಿ ವಾಯ್ಟ್ ತುಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತೆಲೆಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ಇತ್ಲ್ಯಾ ಭರ್ಸ್ಯಾನ್ ತುವೆಂ ಸಾಂಗಾಜಾಯ್ ತರ್ ತುವೆಂ ಕಿತೆಂ ತರಿ ನೊವಿ ವಾಟ್ ಸೊದುನ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾಯ್? ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ನ್ ತಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಜಾಯ್ತ್ ಮ್ಹಣ್ತಾಲೊಂಯ್ ತುಂ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮ್ಹಣ್ತಾಲೊಂ ವ್ಹಯ್ ಆಂಟಿ. ಆತಾಂ ಹೆಂ ಆಜಾಪ್ ಕಶೆಂ ಘಡ್ತೆಲೆಂ... ತೆಂ ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಆತಾಂ ಸಾಂಗಾನಾ. ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಳ್ತೆಲೆಂ.

ವಿಲ್ಮಾ : ಐಡಾ ಆಂಟಿ ತುವೆಂ ಕಾಂಯ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ದಿಂವ್ಕ್ ನಾಂಯ್?

ಐಡಾ : ತುಕಾ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ದಿಂವ್ಚೆ ತಿತ್ಲಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ದೆವಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಫಾವೊ ಕರುಂಕ್ ನಾ ಪುತಾ. ಹಾವೆಂ ತುಕಾ ಮೊಗಾನ್ ದಿಂವ್ಚೊ ಹೊ ಉಮೊ ತುಕಾ ಹಾವೆಂ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ಮ್ಹಣ್ ಸ್ವೀಕರ್ಸಿ.(ತಾಕಾ ಉಮೊ ದಿತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ತುಜೆಂ ಪ್ರೆಜೆಂಟ್ ಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಚೈನಿ ಪ್ರಾಸ್ ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಅಂಟಿ . ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್....?

ಸೆಲಿನ್ : ತುವೆಂ ಆತಾಂ ನೆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ವಸ್ತುರ್ ಡಾಕ್ಟರ್ ಅಂಕಲಾಚೆಂ. ತಾಣೆಂ ತೆಂ ಕಾಲ್ ಹಾಡ್ನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ದಿಲ್ಲೆಂ. ಪುತಾ ಆಲೆಕ್ಸ್ ತುಜ್ಯಾ ಪ್ರಯಾತ್ನಾನ್ ಏಕ್ ಪಾಪ್ಚಿಂ ಹ್ಯಾ

संतोसान आसोंदी.

ल्मा : म्हज्या वर्थडेक प्रेजेंट हाडुंक नांयगी अंकल.

लेक्स : म्हजें प्रेजेंट कितें तें उप्रांत सांगतां. पयलें व्हडलीमांयचें वेसांव घे.

ल्मा : वेसांव दी व्हडलीमांय.

लीन : देवाचें वेसांवगो पुता तुका. धर तुज्या जल्मादीसाक म्हजी काणीक.
(आप्लया गळयांतली वांगाराची चेयन काडन विल्माचा गळयाक घालता)

ल्मा : चैन व्हडलीमांय!

लीन : व्हय म्हज्या भागारा. आज थावन ही तुज्या गळयांत सोवोंदी. देवान म्हज्या पुताक आनी सुनेक धागाळ दिलां तरी तुजो गळो ताणीं रितो दवर्लो. म्हाका म्हातारेक भांगार कितयाक? वेताना पेटेंत कांय व्हरोंक जायना.

विलमा : हीं चैयन भांगराची व्हडलीमांय! आनी हीं म्हाकाच... हांव चैन गाल्न कशीं दिसतां?

आयडा : तूं कशें दिसताय तें वेगींच पळेतलेंय?

सेलीन : तें पळेतले? हें कितें आयडा एदोळ म्हणासर ही उत्रां अलेक्साचा तोंडांत थावन येतालीं आनी आज तूं ह्या चेडवाक...

अलेक्स : ताचा उत्रांनी मत आसा आंटी. एका हफ्तयान हांव विल्माचें ओपारेशान कर्तोलो... आनी वेगींच तें पळेंवक सकतेलें.

विल्मा : म्हजें ओपरेषन केल्यार म्हाका दिसतेलें अंकल?

अलेक्स : व्हय पुता खंडीत जावन तुका दिसतेलें. संसारांतल्लें वरें आनी वायट तूं पळेंवक सकतेलेंय.

सेलीन : इतल्या भर्वाश्यान तुवें सांगाजय तर तुवें कितें तरी नोवी वाट सोदुन काडल्याय? ओपरेषन कर्न ताची दीष्ट हाडुंक जायना म्हणतालोय तूं?

अलेक्स : म्हणातालों व्हय आंटी. आतां हें आजाप कशें घडतेलें तें तुका हांव आतां सांगाना। वेग्गींच तुमकां कळतेलें.

विल्मा : ऐडा आंटी तुवें कांय म्हाका प्रेजेंट दिंवक नांय.

आयडा : तुका प्रेजेंट दिंवचीं तितल्ली ग्रेस्तकाय देवान म्हाका फावो करुंक ना पुता. हावें तुका मोगान दिंवचो हो उमो तुका हावें दिंवचें प्रेजेंट म्हण स्विकर्सी (ताका उमो दिता)

विल्मा : तुजें प्रेजेंट मांयच्या चैनी प्रास मोलाधीक आंटी. डाकटर अंकल...?

सेलीन : तुवें आतां न्हेसल्ले वस्तुर डॉक्टर अंकलाचें. ताणें तें काल हाडन म्हज्या हातीं दिल्लें. पुता आलेक्स तुज्या प्रयतनान एक पावटीं ह्या भुरग्यांक दिष्ट येंवदीं तशें तरी ह्या

ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆಂವ್ಚಿ... ತಶೆಂ ತರೀ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಸಮಾಧಾನ್ ರಾಜ್ ಕರುಂದಿ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವಿಂ ತೆಂಚ್ಚ್ ಆಶೆತಾಂ ಆಂಟಿ. ಪುಣ್ ವಿವಿಯಾನ್ ಆನಿ ಜೆಸಿಂತಾಕ್ ತ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಸಮಾಧಾನ್ ಬೊಗಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಚಿಂತ್ತಾಯ್‌ಗಿ? ಚೆರ್ಕೊ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ಚೆಡುಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಆಣ್ಕಾಣೆಂ ಆಸ್ತೆಲೆಂಚ್.

ಐಡಾ : ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆತಾಚ್ಚ್ ತಿಂ ಹ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆಪ್ಣಾಯ್‌ತೆಲಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಅಂತಸ್ಕರ್ಣ್ ಸಾಂಗ್ತಾ ಡಾಕ್ಟರ್. ಆನಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಭರ್ವಸೊ ಆಸಾ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಬದ್ಲಾಪ್ ಯೆತೆಲೆಂ. ಜರ್‌ತರ್ ತಿಂ ಆಪ್ಣಾಕ್‌ಚ್ಚ್ ತಿದ್ವುಂಕ್ ತಯಾರ್ ನಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ತೆಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ತೆಲಿಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ಕಿತೆಂಗೀ ಬಾಯೆ. ತ್ಯಾ ಕರ್ಪಾಲ್ಲ್ಯಾ ಸೊಂಡಾರ್ ಹಾಸೊ ಉದೆತೊಲೊ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಬೊಗ್ತಾಗೀ? ಗೆಲೆತ್ಯಾ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಗಾಳಿ ಶಿರಾಪಾಂಚೊ ಶಿಂವೊರ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮ್ಹಾತಾರ್ಯಾ ಕಾನಾಚಿಂ ಫುಲಾಂ ಬೊಸೊನ್ ಗೆಲ್ಯಾಂತ್.

ವಿಲ್ಮಾ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ಆಸಾತ್‌ಗಿ? ಖಂಯ್ಚಿಂ ಫುಲಾಂ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್? ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ನಾಂತ್? ಫುಲಾಂ ಸೊಭಿತ್ತ್ ಆಸ್ತಾತ್‌ಮೂ?

ಐಡಾ : ಫುಲಾಂ ಸೊಭಿತ್ತ್ ಆಸ್ತಾತ್ ಪುತಾ. ಪುಣ್ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ ಆಸ್ಚಿಂ ಫುಲಾಂ ತಿಂ ನ್ಹಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ಚೆಡುಂ ಎಕ್ ಕಿತೆಂ ಖ್ಯೆಂ! ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ ಗುಲೊಬ್ ಫುಲ್ಲ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತ್ತಾಗಿ ಕಿತೆಂ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತ್ಯಾ ಫುಲಾಂ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಾಂಗ್ತಾಂ ವಿಲ್ಮಾಂ. ಆತಾಂ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಬಾಯ್ರ್ ಘುವೊನ್ ಯೆ. ಮ್ಹಾಕಾ ಐಡಾ ಆಂಟಿ ಲಾಗಿಂ ಥೊಡೆಂ ಉಲೊಂವ್ಕ್ ಆಸಾ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಐಡಾ ಆಂಟಿ ಹಿ ಕೇಕ್ ಆಸಾ ಪಳೆ ತುಂ ಆಸ್ಪತ್ರೆಕ್ ವೆತಾನಾ ವ್ಹರ್ ಆನಿ ಶಾಂತಿಕ್ ದಿ. ಮ್ಹಜೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಯೆತೆಲಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್. ಚಲ್ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಆಮಿ ಯಾ.ಆಜ್ ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಆಪವ್ನ್ ವರ್ತಾಂ.

(ದೊಗಾಂಯ್ ಬಾಯ್ರ್ ವೆತಾತ್. ವಿಲ್ಮಾಚಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಐಡಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ದುಃಖಾಂ ದೆಂವ್ತಾತ್)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತೆಂ ಕಾಂಯ್ಚ್ ನೆಣಾಂ ಆಸ್ಚೆಂ ನೆಣ್ತೆಂ. ತಾಚಾ ಉತ್ರಾಂಚೆಂ ಗುಮಾನ್ ಕರಿನಾಕಾ ಐಡಾ.

ಐಡಾ : ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಭಾರುಣ್ ಕರ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಜಿಯೆತಾ ಡಾಕ್ಟರ್. ಶಾಂತಿಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಖಂಚಾಯ್ ರುಪಾರ್ ಮ್ಹಜೆ ಮುಖಾರ್ ಯೆತಾನಾ, ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ತಡ್ವುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ತುಜ್ಯಾ ಸಾಂಗ್ಣ್ಯಾಕ್ ಮಾನ್ ದೀವ್ನ್ ಹಾಂವೆ ಹೆಂ ಮೆಟ್ ಕಾಡ್ಲಾಂ..... ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಮನ್ ಕಟ್ಟ್ ಆನಿಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಖಡ್ಪಿ ಪಾತೊರ್ ನ್ಹಂಯ್.

घरांत समाधान राज करुंदी.

अलेक्स : हांवी तेंच आशेंतां आंटी. पुण विवियान आनी जेसींताक त्या वर्वीं समाधान भोगात म्हण चिंतायागी? चेर्को जायनास्ताना चेंडू जाल्लें आण्काणें आस्तेलेंच.

आयडा : एक पावटीं चेडवाक दिष्ट येताच्च तीं ह्या भुरग्याक आपणायेतेलीं म्हण म्हजें अंतस्कर्न सांगता डॉक्टर आनी म्हाका भर्वोसो आसा ह्या घरांत वद्लाप येतालें. जरतर तीं आपणाकय तिदवूंक तयारनांत हांव तें काम कर्तेलीं.

सेलीन : कितेंगी वायं, त्या कर्पाल्या सोंडार हासो उदेतोलो म्हण तुका भोगतागी गेलेत्या आट वर्सां थावन गाळी शिरापांचो शिवोर आयकोन आयकोन म्हज्या मातारया कानाचीं फुलां वोसोन गेलयांत.

विल्मा : व्हडलीमांय तुज्या कानांत फुलां आसातगी? खंयचीं फुलां व्हडलीमांय? म्हजया कानंत कितयाक नांत! फुलां सोभीत्ता आसतातमू?

आयडा : फुलां सोभीत्त आसतात पुता. पुण तुज्या व्हडलीमांयच्या कानांत आस्वीं फुलां तीं नहीं!

सेलीन : चेंडूं एक कितें खंय म्हज्या कानांत गुलाव फुल्यात म्हण चिंतातगी कितें?

अलेक्स : त्या फुलां विश्यांत हांव तुका उप्रांत सांगातां विल्मा. आतां तूं तुज्या व्हडलीमांय सांगाता भायर भंवोन ये. म्हाका आयडा अंटी लागीं थोडें उलोंवक आसा.

विल्मा : आयडा आंटी ही केक आसा पळे तूं आस्पत्रेक वेताना व्हर आनी शांतीक दी. म्हजें ओपारेशन जाल्या उप्रांत हांव ताका पळेंवक येतली म्हण सांग. चल व्हडलीमांय आमी या. आज तुका हांव आपवन वर्तां.

(दोगांय वायर वेतात, विल्मांचा उत्रांनी आयडाच्या दोळायांनी दुखां देंवतात)

अलेक्स : तें कांयच नेणां आस्वें नेण्तें. ताचा उत्रांचें गुमान करीनाका आयडा.

आयडा : म्हजें काळीज धारुण कर्न हांव ह्या घरांत जियेता डॉक्टर. शांतीचो उगडास खंचाय रुपार म्हजें मुखार येताना, म्हज्यान तडुंवक जायना. तुज्या सांगणयाक मान दिवन हांवे हें मेट काडलां पुण म्हजें मन कट्टी आनी म्हजें काळीज खडपी फातोर नहीं.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುವೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಕ್ ಸೈ ಗಾಲಿಯ್. ತೊಚ್ಚ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವರ್ತೊ ಸಂತೊಸ್.

ಐಡಾ : ಮ್ಹಜೆಂ ಅಂತಸ್ಕರ್ನ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ನಾ ತರೀ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಚಾ ಒತ್ತಾಡಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ನಾ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಜಾವ್ನಾ ಡಾಕ್ಟರ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹೆಂ ತುಜೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಐಡಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ತಶೆಂ ಬೊಗಾನಾ. ಮನಿಸ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಿ ಜಾಯ್ತಿಂ ಚಿಂತ್ತಾ, ಜಾಯ್ತಿಂ ಆಶೆತಾ. ಪುಣ್ ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ಪೂರ್ಣ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಕ್ ಖಾಡುಂ ಘಾಲುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಆನಿ ತಾಚಾ ಆಶೆಕ್ ಮಿತ್ ನಾ.

ಐಡಾ : ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂಚ್ಚ್ ಆಶೆಂವ್ಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿಂ ಡಾಕ್ಟರ್!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಿ ತುಜಿ ಚೂಕ್ ಸಮ್ಜೊಣಿ. ತುಜೆಂ ಲಗ್ನ್ ಜಾತಾಚ್ಚ್ ಏಕ್ ಸೊಬಿತ್ ಸಂಸಾರ್ ತುಂ ಆಶೆಲ್ಲೆಂಯ್. ಶಾಂತಿಚೊ ಜಲ್ಮ್ ಜಾತಾಚ್ಚ್ ತಾಚೊ ಬೊರೊ ಪುಡಾರ್ ಆಶೆಲ್ಲೆಂಯ್. ತುಜ್ಯಾ ಪತಿಸವೆಂ ಕಷ್ಟಾಂ ವಿಣೆಂ ಸುಖಾಚೆಂ ಜಿವಿತ್ ಆಶೆಲ್ಲೆಂಯ್. ಪುಣ್ ತುವೆಂ ಆಶೆಲ್ಲೆಂ ಖಂಚೆಂಚ್ಚ್ ಪೊತಾಂಕ್ ಪಾವೊಂಕ್ ನಾ.

ಐಡಾ : ತಿ ದೆವಾಚಿ ಖುಶಿ ಡಾಕ್ಟರ್. ಮನಿಸ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂಕ್ ಜಾತಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಘಡ್ತಾ ದೆವಾಚೆ ಖುಶೆ ಪ್ರಮಾಣೆಂ ಜಾತಾ. ಮನಿಸ್ ಏಕ್ ನಿಮಿತ್ತ್ ಮಾತ್ರ್. ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಮನಿಸ್ ಪ್ರಯತನ್ ಕರ್ತಾ. ಥೊಡೆ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪ್ರಯಾತ್ನಾಂತ್ ಜಿಕ್ತಾತ್ ಆನಿಂ ಥೊಡೆ ಸಲ್ವಾತಾತ್.

ಐಡಾ : ಪುಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾತ್ರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಸಲ್ವಣೆಂಚ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಘಾವೊ ಜಾಲಿ ಡಾಕ್ಟರ್. ಖಂಚ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಚುಕಿಕ್ ದೆವಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಹ್ಯಾ ಪರಿಂ ಕಷ್ಟಿಲೆಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆನಿ ಮುಖಾರ್ ತುಕಾ ಕಸಲ್ಲೆಚ್ ಕಷ್ಟ್ ಆಸ್ಚೆನಾಂತ್. ತುಂ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಿ ಸುಖಿ ಆಸ್ತೆಲೆಂಯ್. ಮ್ಹಾಕಾ ತುಂ ಪಾತ್ಯೆ.

ಐಡಾ : ಮ್ಹಜೆಂ ಸರ್ವ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್... ಖಂಚೆಂ ಸುಖ್ ಡಾಕ್ಟರ್... ಖಂಚೆಂ ಸುಖ್.

(ದಾರ್ ಲೊಟುನ್ ವಿವಿಯಾನ್ ಆನಿ ಜೆಸಿಂತಾ ಪ್ರವೇಶ್ ಜಾತಾತ್)

ಜೆಸಿಂತಾ : ಓಹೊ....ಖಂಚ್ಯಾ ವೇಳ್ ಘುಡಿಯೆ ಹಾಂವ್ ಭಿತರ್ ಸರ್ತಾಂ ಕೊಣ್ ನಾಂ ಕೊಣ್ ರಡೊನ್ಚ್ಚ್ ಆಸ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ಘರಾಕ್ ಲಾಗ್ಲ್ಲಿ ಪನ್ವತಿ ಪಾವಾನಾಸ್ತಾನಾ ಆತಾಂ ತುಂ ರಡೊನ್ ಕೊಣಾಚೆಂ ಮರಣ್ ಮಾಗ್ತಾಯ್ ಐಡಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತಾಚೆ ಕಷ್ಟ್ ತಾಕಾ. ತುಂ ಕಿತೆಂ ಜಾಣಾಯ್ ತಾಚೆ ಕಷ್ಟ್ ಜೆಸ್ಸಿ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಕೇಕ್ ಮಾಂಡುನ್ ಸರ್ಬರಾಯ್ ವೆಗ್ಗಿ. ಕೊಣಾಚಾ ಜಲ್ಮಾಚೆಂ ಆನಿಂ ಮೊರ್ನಾಚೆಂ ಆಚರಣ್ ಕರ್ತಾಲ್ಯಾತ್ ತುಮಿಂ!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಏಕ್ ಸ್ತ್ರೀ ಜಾಂವ್ಕ್ ಘಾವೊ ನೈಂ ಜೆಸಿಂತಾ. ತುಂ ತ್ಯಾ ಆವಯ್ ಪಣಾಚೆರ್ ಏಕ್ ಖತ್. ಆವಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಪವಿತ್ರ್ ಉತ್ರಾಚೆರ್ ಏಕ್ ಕಾಳೊ ತಿಬೊ. ಜಲ್ಮಾ ದೀಸ್ ತುವೆಂ ಜಲ್ಮಾಕ್ ಹಾಡ್ಲ್ಲ್ಯಾ ತುಜಾ ಭುಗ್ಯಾಚೊ ಆನಿ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಖುಶಿ ವರ್ತಾಯ್ ತರ್ ಮೊರ್ನಾಚ್ಯಾ ದಾರಾರ್ ಉಬೆಂ ಆಸಾ ಹ್ಯಾ ಐಡಾಚೆಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಿವಾ ವೊರ್ತೆಂ ಮೊಗಾಚೆಂ ಶಾಂತಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಸಾಕಾಳಿಂಚ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಆಜ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಂಚೊ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಮ್ಹಣ್, ವಿಸಾರ್ಲೆಂಯ್‌ಗೀ ಜೆಸ್ಸಿ.

अलेक्स : तुवें म्हज्या उत्राक सै गालीय. तोच्च म्हाका वर्तो संतोस.

आयडा : म्हजें अंतस्करण आयकोंक ना तरी परीस्थितेच्या ओत्तडाक लागोन म्हाका ना म्हणोंक जाय्ना डॉक्टर.

अलेक्स : हें तुजें चिंताप आयडा. म्हाका तशें भगना. मनीस ह्या संसारी जायतें चिंत्ता, जायतें आशेता. पुण हें सर्व पूर्ण जायना. कितयाक मनशाच्या चिंतपाक खाडुं घालुंक जायना आनी ताचा आशेक मित ना.

आयडा : हांव कितेंच आशेंवक नातल्लीं डॉक्टर!

अलेक्स : ही तुजी चूक समजोणी. तुजें लगन जाताच एक सोभीत संसार तूं आशेल्लेंय. शांतीचो जल्म जाताच ताचो वरो फुडार आशेल्लेंय. तुज्या पतीसवें कष्टां विणें सुखातें जिवत आशेल्लेंय। पुण तुवें आशेल्लें खंचेंच पोतांक पावोंक ना.

आयडा : ती देवाची खुशी डॉक्टर. मनीस जाल्या म्हज्यान कितें करुंक जाता.

अलेक्स : जें कितें घडता देवाचें खुशें प्रमाणें जाता. मनीस एक निमित्त मात्र. ह्या संसारांत मनीस प्रयतन कर्ता. थोडें आपल्या प्रयात्नांत जिकतात आनी थोडे सलवाता.

आयडा : पुण म्हाका मात्र म्हज्या जिवीतांत सलवोर्णांच कितयाक फावो जाली डाकटर. खंच्या म्हज्या चुकीक देवान म्हाका ह्या परीं कष्टीलें.

आलेक्सा : आनी मुखार कसलेच कष्ट आम्चेनांत. तूं ह्या संसारी सुखी आसतेलेंय. म्हाका तूं पात्ये.

ऐडा : म्हजें सर्व होगडावन खंचें सुख डॉक्टर खंचें सुख.

(दार लोटुन विवियान आनी जसींता प्रवेश जातात)

जेसींता : ओ हो... खंच्या वेळ घडीयें हांव भितर सर्ता कोण नां कोण रडोनंच्च आसता. ह्या घराक लागल्ली पन्वती पावानासताना आतां तू रडोन कोणाचें मरण मागताय आयडा.

विवियान : ताचें कष्ट ताका. तूं कितें जाणांय ताचें कष्ट जेस्सी?

जेसींता : वयल्यान केक मांडुन सर्वागय वेगळी. कोणाच्या जल्माचें आनी मोर्नाचें आचारण कर्तेल्यात तुमीं.

अलेक्स : तूं एक स्त्री जांवक फावो नहीं जेसींता. तूं त्या आवयपणाचेर एक खत. आवय म्हळ्या त्या पवीत्र उत्राचेर एक काळो तिवो. जल्मा दीस तुवें जल्माक हाडल्या तुजा भुरग्याचो आनी आयकोंक खुशी वर्ताय तर मोर्नाच्या दारार उवे आसा ह्या आयडाचें आप्लया

जिवा वोर्तें मोगाचें शांती.

विवियानी : हांवें तुका साकळींच उगडास केल्लो आज आमच्या विल्माचो वर्तडे म्हण विसरलेंचगी जेस्सी.

ಜೆಸ್ಸಿ : ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮ್ಹಣಾನಾಕಾ . ತುಕಾ ಖುಶಿ ಜಾತಾ ತರ್ ತುಜಾಚ್ಚ್ ಮ್ಹಣ್... ತಾಕಾ ಏಕ್ ಬರ್ತ್‌ಡೆ ವೆಗ್ಲೊ.... ಬರ್ತ್‌ಡೆ .... ಖ್ಯೆಂ...... ಬರ್ತ್‌ಡೆ ಆನಿಂ ತುಂ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಆವಯ್ ಪಣಾಚೆರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತುಜೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಲೆಕ್ಚರ್ ಆಯ್ಕೊಂಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾ. ಜರ್‌ತರ್ ಐಡಾಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಮೊರ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಖಂತ್ ತುಕಾ ಆಸಾ......ತಾಚೆಂ ಲಾಗಿಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾ. ಆನಿ ತಾಕಾ ಆವಯ್ ಪಣಾಚೆಂ ಪರ್ತುನ್ ಭಾಗ್ ಫಾವೊ ಕರ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಪಳೆವ್ನ್ ಖಡ್ಪಿ ಪಾತೊರಿ ಪಿಗ್ಳೊಂಕ್ ಆಸಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ಕೆದಿಂಚ್ ಬದ್ಲುಂಚಿ ಸ್ತ್ರೀ ನ್ಹೆಂ.

ಜೆಸ್ಸಿ : ತುಕಾ ಜರ್‌ತರ್ ತಶೆಂ ಬೊಗ್ತಾ ಖಂಚಾಯಿ ಸಂಗ್ತಿಂತ್ ಮ್ಹಜೆಂಲಾಗಿಂ ತರ್ಕಾಕ್ ದೆಂವಾನಾಕಾ. ಆನಿಂ ಗರ್ಜೆ ಶಿವಾಯ್ ಉಲ್ಯೆನಾಕಾ ಆನಿಂ ಐಡಾ ಜರ್‌ತರ್ ತುಜೆಂ ಚೆಡುಂ ಚಡ್ ಸಿಕ್ ಆಸಾ. ಮೊರ್ನಾಚ್ಯಾ ತಡಿರ್ ಆಸಾ, ದೊನ್ ದಿಸಾಂಚಿ ಸುಟಿ ಘೆ ಆನಿಂ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಚೆಡ್ವಾ ಸರ್ಶಿಂ ರಾವ್. ತುಜೊ ಪಾಗ್ ಕಾತರ್ಚೊಂ ನಾಂ. ಜರ್ತರ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಜೆಂ ಲಾಗ್ಚೆ ಮಾಗೊನ್ ಘೆ. ಜರ್‌ತರ್ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಬೊರ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾ ವರ್ವಿಂ ತೆಂ ವಯ್ರ್ ಪಡ್ಚೊ ಸಂಬಂಧ್ ಆಸಾ ತೊಯ್ ಖರ್ಚ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಹಾಂವ್ ತಯಾರ್ ಆಸಾಂ. ಕೊಣ್ಯೆಂ ಚಿಂತ್ಚೆಂ ನಾಕಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಚೊ ಮೊಗ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್. ಮಾಕಾಯ್ ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಚೊ ಮೊಗ್ ಆಸಾ.

(ಜೆಸ್ಸಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ತೊಂಡಾಕ್ ಹಾತ್ ಆಡ್ ದರ್ನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ದಾಂವ್ತಾಂ. ಸಗ್ಳಿಂ ಶಿರಿ ಚುಕೊನ್ ತಾಕಾಚ್ಚ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಪೊಡ್ತಾತ್)

ವಿವಿಯಾನ್: ಆಲೆಕ್ಸ್ ಆಜ್ ಹಾಂವೆಂ ಏಕ್ ವಿಚಿತ್ರ್ ದೃಶ್ಯ್ ದೆಖ್ಲೆಂ. ಹಾಂವ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಗರ್ಜೆನ್ ಬಾಯ್ರ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಿಂ ಎಕಾ ಆನಾಥ್ ಆಶ್ರಮಾ ಮುಖಾರ್ ಹಾಂವೆಂ ಜೆಸಿಂತಾಚಿ ಗಾಡಿ ಪಳ್ಯೆಲಿ. ಹಾಂವೆಂ ತೆಂ ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಗೆಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್, ಆಶ್ರಮಾಚ್ಯಾ ವ್ಹಡಿಲಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಖಬಾರ್ ಕಾಡ್ಲಿ......ತೆಂ ಹರ್ಯೆಕಾ ವರ್ಸಾಂ ಆಯ್ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಆಶ್ರಮಾಕ್ ವೆತಾ. ಭುಗ್ರ್ಯಾಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಕರ್ತಾ, ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಣಿಕೊ ದಿತಾ. ತಾಣೆಂ ಆಸ್ಪತ್ರೆಕ್ ವಚೊನ್ ಶಾಂತಿಕೀ ಪಳ್ಯೆಲಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಜರ್‌ತರ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಹೆರ್ ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಖಾತಿರ್ ಮೋಗ್ ಆಸಾ, ತರ್ ತೆಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಕ್ ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಕಾಂಟಾಳ್ತಾ ವಿವಿಯಾನ್?

ವಿವಿಯಾನ್: ತೆಂ ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಕಾಂಟಾಳ್ತಾ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಪರ್ತುನ್ ಸಾಂಗಾಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾ. ತಾಕಾ ಚೆಕ್ರ್ಯಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾಚಿ ಆಶಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಸುವಾತೆರ್ ಚೆಡುಂ.... ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ತೆಂ ಕುರ್ಡೆಂ. ತಾಚಾ ಮತಿಕ್ ಹೊ ಏಕ್ ಥಾಂಬೊಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ ತಸಲೊ ಆಘಾತ್ ಜಾಲಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಲಾಗ್ತಾ ಹಾಕಾ ಆಪುಣ್ಂಚ್ ಕಾರಣ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಚೂಕ್ ಸಮ್ಜಾಣಿ ತಾಚಿ. ಹರ್ಯೆಕ್ಲಿಂ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಚುಕಿದಾರ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ದೃಷ್ಟೆನ್ ದೆಖ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ತೆಂ ಆಮ್ಚೆರ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಚೆರ್ ಚಿಡ್ತಾ. ಘುರಾ ಭಾಯ್ರ್ ತೆಂ ತಶೆಂ ಆಸಾನಾ. ತೆಂಚ್ಚ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವಿಚಿತ್ರ್ ದಿಸ್ತಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತರ್ ತಾಚೆಂ ವಿಶೆಂತ್ ಆಮ್ಚಿ ಸಮ್ಜೊಣಿ ಚುಕಿಚಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತುವೆಂ ಥೊಡ್ಯೊ ಸಂಗ್ತಿ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಸಾಂಗಾನಾಸ್ತಾನಾ ಲಿಪೈಲ್ಯಾಯ್. ಮ್ಹಜೊ ಆನ್ಬೊಗ್ ಸಾಂಗ್ತಾ,

जेस्सी : आमच्या म्हणानाका, तुका खुशी जाता तर तुज्याच म्हण... ताका एक वर्थडे.... खंय वर्थडे आनी तूं आलेक्स आवयपणाचेर म्हाका तुजें थावन लेकचर आयकोंची गर्ज ना. जरतर आयडाचें चेडूं मोर्ता म्हळळी खंत तुका आसा ताचें लागीं काजार जा आनी ताका आवयपणाचें परतून भाग फावो कर.

अलेक्स : ह्या स्त्रीयेची परीस्थिती पळेवन खडपी फातोर ई पिग्ळोंक आसा. पुण तूं केदींच वद्लुंची स्त्री नहीं.

जेस्सी : तुका जग्तर तशें भोगता खंचायी संगतींत म्हजेंलागीं तर्काक देंवानाका आनी गर्जे शिवय उलैनाका आनी आयडा जरतर तुजें चेडुं चड सिक आसा मोर्नाच्या तडीर आसा, दोन दिसांची मुटी घे आनी आस्पत्रेंत चेडवा सर्शीं राव. तुजो पाग कातर्चीं ना. जरतर पयशयांचीं गर्ज आसा म्हजें लागचें मागोन घे. जरतर दुसरया वोरया दाकतेरा वर्वीं तें वयर पडचो संवंव आसा तोय खर्च पळेंवक हांव तयार आसां. कोणैं चिंतचें नाका म्हाका भुग्गयाचो मोंग ना म्हण. म्हाकय भुरगयाचो मोग आसा.

(जेम्मी आपल्या तोंडाक हात आड धर्न आपल्या कुडाक धांवता. सगळीं शिरि चुकोन ताकाच पळेंवक पडतात)

विवियान : अलेक्स आज हांवें एक विचित्र दृश्य देख्लें. हांव थोडया गर्जेन भायर गेल्लया वेळीं एका आनाथ आश्रामा मुखार हांवें जेसींताची गाडी पळैली. हांवें तें थंय थावन गेल्या उप्रांत,आश्रामाच्या व्हर्डीलां थावन खवार काडली. तें हर्येका वर्सा आयच्या दिसा आश्रामाक वेता. भुग्ग्यां मांगाता थोडो वेळ पाशार कर्ता. भुरग्यांक काणीको दिता. ताणें आस्पत्रेक वचोन शांतीकई पळैलां.

अलेक्स : जग्तर ताच्या काळजांत हेर भुग्गयां खातीर मांग आसा तर, तें आपल्या भुरग्याक कित्या खातीर कांटांळता विवियान?

विवियान : कित्या खातीर काटांळता म्हण हांवें तुका पर्तुन मांगाजय म्हण ना. ताका चेरक्या भरग्याची आशा आस्ली. पयल्या सुवातेर चेडूं वयल्यान तें कुर्डे. ताचा मतीक हो एक थांवोंक जायना तमलो आघात जाला. म्हाका लाग्ता हाका आपुणच कारण म्हळळी चूक समजोणी ताची. हर्येकलीं आपणाक चुकीदार म्हळया दृष्टेन देख्तात म्हण तें आम्वेर सगळयांचेर चिडता. घरा भायर तें तशें आसाना. तेंच म्हाका विर्चीत्र दिसता.

अलेक्स : तर ताचें विशेंत आमची सम्जोणी चुकीची जाव्नासा. तुवें थोडयो संगती म्हजेंलागीं सुडाळ सांगानासताना लिपयल्याय. म्हजो आन्भोग सांगता. ताच्या गुर्वाचारा वेळीं ताचें संगीं

ತಾಚಾ ಗುರ್ವಾಚಾರಾ ವೆಳಿಂ ತಾಚೆಂ ಸಂಗಿಂ ಘಡ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಸಲೆಂ ತರಿ ಘಡಿತ್ ತಾಚ್ಯಾ ಮತಿಚೆರ್ ಪರಿಣಾಮ್ ಕರುಂಕ್ ಪಾವ್ಲಾಂ. ಜರ್‌ತರ್ ಹಾಂವ್ ಹಿ ಗಜಾಲ್ ಜಾಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ ಯೆದೊಳ್ ಸರ್ವ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಜಾತೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ವಿವಿಯಾನ್ ತುಂ ಏಕ್ ಕಾಮ್ ಕರ್. ಆಜ್ ತಾಕಾ ಪುಸ್ಲಾವ್ನ್ ತೆಂ ಕಾರಣ್ ಜಾಣಾಂ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಕರ್..... ಸ್ವಾಬಿಮಾನಿ ತೆಂ ಸುಲಭಾಯೆನ್ ಸಾಂಗಾಶೆಂ ನಾ. ಪುಣ್ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಸೊಡಿನಾಕಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಜಾಯ್ತ್ ಆಲೆಕ್ಸ್.... ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮನ್ಶ್ಯಾಚೊ ಮನೊಭಾವ್ ವಿಚಿತ್ರ್ ಆಸ್ತಾ ವಿವಿಯಾನ್. ಆಮಿ ಥೊಡೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ವ ವಳ್ಕೊಂಕ್ ಸಕಾನಾಂವ್ ಎಕ್ಲೊ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಎಕ್ಲ್ಯಾಚಿ ಖುನಿ ಕರ್ತಾ ಆನಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾನೂನಾ ಪ್ರಮಾಣೆಂ ನಿತಿದಾರ್ ಖುನಿ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಪಾಶೆಚಿ ಶಿಕ್ಷಾ ದಿತಾ.ನಿತಿದಾರಿ ಎಕಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಚೊ ಜೀವ್ ಕಾಡ್ತಾ. ಪುಣ್ ತೊ ಚುಕಿದಾರ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಜಾಯ್ತೆ ಖುನಿಗಾರ್, ದರೊಡೆಕೋರ್, ಚೊರ್, ಅನ್ಯಾಯ್ ಕರ್ತೆಲೆ ಆಸಾತ್. ತೆಂ ತಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕರ್ತಾತ್,ತಾಂಚಿ ಮಾನಾಸಿಕ್ ಸ್ಥಿತಿ ಕೊಣೇ ವಿಮರ್ಸುಂಕ್ ವೊಚಾನಾ. ಆಮಿ ತಸಲ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ತಿರಾಸ್ಕಾರ್ ಕರ್ತಾಂವ್. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ತಸಲಿ ವ್ಯಕ್ತಿ ಆನಿಕೀ ಕಠೊರ್ ಜಾತಾ. ತಶೆಂಚ್ಚ್ ಜೆಸಿಂತಾ ಥಂಯ್ ಘಡ್ಲಾಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ತಶೆಂಚ್ ಬೊಗ್ತಾಂ. ತಾಚಾ ಮತಿಚೆರ್ ಕಸಲೊ ಆಘಾತ್ ಜಾಲಾ.... ತಾಕಾ ಕಾರಣ್ ಕೊಣ್ ಆನಿಂ ಖಂಚಾ ಕಾರಣಾ ಖಾತಿರ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸೊದುನ್ ಕಾಡ್ತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ಹ್ಯಾ ಘುರಾಚೆರ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಕಾಳೆಂ ಮೋಡ್ ನಿತ್ಳೊಂಚಿಂ ಖುಣಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾತ್. ಹ್ಯಾ ಮದೆಂ ಅನ್ಯೇಕ್ ಸಂಗತ್ ಘುಡ್ಲ್ಯಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಮತ್ಲಬ್!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಕಾ ಏಕ್ ಗಜಾಲ್ ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಪೆಕ್ಷಿತಾಂ. ತಿ ಗಜಾಲ್ ತುಕಾ ಸಂತೊಸಾಚಿ ಜಾಂವ್ಕಿ ಪುರೊ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಸಂತೊಸಾಚಿ ಖಬಾರ್ ಆನಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣೆಯೆಂತ್ ತೆಂ ಸಾದ್ಯ್‌ಗೀ ಆಲೆಕ್ಸ್.... ಗೆಲ್ತ್ಯಾ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಕಸಲಿಯ್ ಸಂತೊಸ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಗಜಾಲ್ ಹಾಂವೆಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ನಾ. ಕಸಲೊ ಸಂತೊಸ್ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾದಿಂವ್ಕ್ ಆಪೆಕ್ಷಿತಾಯ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಆನಿ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ದಿಸಾಂನಿ ಹಾಂವ್ ವಿಲ್ಮಾಂಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತಾಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತಾಯ್? ವಿಲ್ಮಾಚೆಂ....! ಆತಾಂ ಕಸಲಿ ನವಿ ಪಿಡಾ ಉಬ್ಜಾಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್! ಆನಿಂ ತುಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಯ್ ತಿ ಸಂತೊಸಾಚಿ ಖಬಾರ್...!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಬೆಶ್ಚೆಂಚ್ ಘಾಬಾರ್ತಾಯ್ ವಿವಿಯಾನ್. ವಿಲ್ಮಾಕ್ ದುಸ್ರಿ ಕಸಲಿಚ್ ಪಿಡಾ ನಾಂ. ಹಾಂವ್ ತಾಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತಾಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತಾಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತಾಯ್? ತುಂ ಕಿತೆಂ ಉಲೈತಾಯ್? ಚಿಂತುನ್ ಉಲೈ ಆಲೆಕ್ಸ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಬಾನಾಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರಿನಾಕಾ. ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ನ್ ತಾಕಾ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುವೆಂ ಕಿತ್ಲೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾಂಯ್. ಆಜ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಲ್ಮಾ ದಿಸಾ ತಾಕಾ ಏಕ್ ಕಾಣಿಕ್ ಸೈತ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಹಾಂವ್

घडल्लें कसलें तरी घडीत ताच्या मतीचेर परीणाम करुंक पावलां. जरतर हांव ही गजाल जाणां आस्लों एदोळ सर्वां सार्कें जातें आस्लें. विवियान तूं एक काम कर. आज ताका पुस्लावन तें काराण जाणां जांवचें प्रयत्न कर स्वाभामानी तें सुलाभायेन सांगाशें ना. पुण प्रयत्न सोडीनाका.

विवियान : जायत अलेक्स हांव म्हजें प्रयत्न कर्तां.

अलेक्स : मनशाचो मनोभाव विचित्र आसता विवियान. आमी थोडें पावटीं थोडयांक पार्कुंक
ा वळकोंक सकानांव. एकलो दुस्रयाची खुनी कर्ता आनी आमच्या कानूना
माणें निर्तिदार खुनी केल्याक पाशेची शिक्षा दीता. निर्तिदारी एका मनशाचो जीव
काडता पुण तो चुकीदार जायना. आमचा समाजेंत जायते खुनीगार, दारोडेकोर, चोर
आन्याय कर्तेलें आसात. तें तशें कितयाक कर्तात,ताची मानासीक स्थिती कोणी
विमर्सुंक वोचाना. आमी तसल्या व्यकतींक तिरास्कार कर्ताव. ह्या वर्वी तसली व्यकती
आर्नाकी कठोर जाता. तशेंच जेसींता थंय घडलां.

विवियान : म्हाकाय तशेंच भगता. ताच्या मतिचेर कसलो आघात जाला ताका कारण कोण आनी खंचा कारणा खातीर म्हळळें सोदुन काडतां.

अलेक्स : वेगींच हया धागचेर आयील्लें काळें वोड नितळोंचीं खुणां म्हाका दिसोन येतात. हया मधें आन्येक संगत घडल्या.

विवियान : तुज्या उत्रांचो मतलाव!

अलेक्स : तुका एक गजाल हांव सांगोंक आपेक्षीतां. तीं गजाल तुका संतोसाची जांवकी पुरो।

विवियान : संतोसाचीं खवार आनीं म्हज्या जीर्णायेंत तें साध्यगी अलेक्स गेलेत्या आट वर्सांनी कसलीय संतोस दिवची गजाल हांवें आयकोंक ना. कसलो संतोस तूं म्हाका दिंवक आपेक्षीताय?

अलेक्स : आनी थोडयाच दिसांनी हांव विल्माचें ओपरेशान कर्तां.

विवियान : ओपारेशन कर्ताय? विल्माचें...! आतां कसली नवी पिडा उवज्लया म्हज्या चेडवाक आनी तूं म्हणताय? तीं संतोसाची खवार.

अलेक्स : तूं भिष्टेंच धावारताय विवियान. विल्माक दुस्री कसलीच पिडा नां. हांव ताका दोळयांचें ओपारेशन कर्तां.

विवियान : ताचा दोळांयाचें ओपरेशन कर्ताय तूं कितें उलैताय चिंतुन उलय अलेक्स. म्हाका वानांवचें प्रयत्न करीनाका. ओपारेशेन कर्न ताका दिष्ट येंवक साध्य ना म्हणोन तुवें कित्लें पावटीं सांगोंक नांय. आज ताच्या जल्मा दिसा ताका एक काणीक सैत हाडुंक

ಸಕ್ಲೊ ನಾ ಆತಾಂ ಪರ್ತುನ್ ತಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕರ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಿಸಾಂತುರ್ ಕರಿನಾಕಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂವೆಂ ತಶೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ವ್ಹಯ್. ಪುಣ್ ಆತಾಂ ಹಾಂವೆಂ ನವಿ ವಾಟ್ ಸೊದುನ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ. ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಏಕ್ ಉಜ್ವಾಡಾಚೆಂ ಕೀರ್ಣ್ ದಿಸೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ. ಆನಿಂ ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವಾವ್ರಾಂತ್ ದೊಗಾಂಚೊ ಸಹಕಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಾಬ್ಲಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಸಹಕಾರ್ ತುಕಾ ಮ್ಹಜೊಯಿ ಆಸ್ತೊಲೊ ಡಾಕ್ಟರ್. ಪಯ್ಶೆ ಕಿತ್ಲೆಯ್ ಖರ್ಚೊಂದಿತ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆಂವ್ದಿ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಪಯ್ಶೆ ತುಕಾ ಖಂಡಿತ್ ಖರ್ಚುಂಕ್ ಪೊಡ್ತೆಲೆ ವಿವಿ. ಒಪರೇಶನಾಕ್ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾಚಿ ಕುಮಕ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ. ಮ್ಹಜೊ ಎಕ್ಲೊ ಮಿತ್ರ್ ದೊಳ್ಯಾಂಚೊ ತಜ್ಞ್ ಆಮೆರಿಕಾ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆಸಾ. ತೊ ಹೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತೊಲೊ.
(ಐಡಾ ಪ್ರವೇಶ್ ಜಾತಾ)
ಆನಿ ದುಸ್ರಿ ವ್ಯಕ್ತಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಹಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಐಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಸಹಕಾರ್ ತುಂ ಅಪೇಕ್ಷಿತಾಯ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಮಾಂತ್ ಐಡಾಚೊ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ಆಸಾ. ಆತಾಂ ಸದ್ದ್ಯಾಕ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಮಾನಸಿಕ್ ರಿತಿನ್ ಹ್ಯಾ ಒಪರೇಶನಾಕ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಹಾಂವೆಂ ಐಡಾಕ್ ಒಪ್ಸಿಲ್ಯಾ. ಒಪರೇಶನಾಚಾ ಒಪ್ಪಿಗೆಚಾ ಪತ್ರಾಚೆರ್ ತುಜಿ ಮ್ಹಾಕಾ ದಸ್ಕತ್ ಜಾಯ್.

ವಿವಿಯಾನ್: (ದಸ್ಕತ್ ಕರ್ತಾ) ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾ ಖಾತಿರ್ ತುಮಿಂ ವದ್ದಾಡ್ಚೆಂ ಪಳೆತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜಿ ಲಜ್ ದಿಸ್ತಾ. ಐಡಾ ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಥಂಯ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಸೊಡ್ನ್ ಹಾಂಗಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಚಿ ಸೇವಾ ಕರ್ಚಿಂ ಪಳೆತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ತೆಂ ಸಮ್ಜಾನಾ.

ಐಡಾ : ಬಾಬಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಅಂತಸ್ಕರ್ನಾಚ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಕ್ ಪಾಳೊ ದೀವ್ನ್ ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್



हांव मकलोंना आतां पर्तुन ताचो उगडास कर्न म्हाका पिसांतुर करीनाका.

अलेक्स : हांवें तशें म्हळळें व्हय. पुण आतां हांवें नवी वाट सोदुन काडल्या. काळोकांत आसल्या म्हाका एक उजवाडाचें किर्ण दिसोंक लागलां आनी ह्या म्हज्या वाव्रांत दोगांचो सहाकार म्हाका लावला.

विवियान : सहाकार तुका म्हजोयी आसतोलो डाकटार. पयशे कित्लेंयी खर्चोंदीत. म्हज्या चेडवाक एक पावटीं दीष्ट येंवदीं.

अलेक्स : पयशें तुका खंडीत खर्चुंक पडतले विवि. ओपरेशनाक भायल्या दाकतेराची कुमोक घेंवक पडतलें. म्हजो एकलो मित्र दोळयांचो तज्ञ आमेरीका थावन आयील्लो आंगासर आसा. तो हें ओपरेशन कर्तालो.

(आयडा प्रवेश जाता)

आनी दुस्री व्यकती जाव्नासा ही.

विवियान : आयया थावन कितें सहकार आपेक्षीताय?

अलेक्स : ह्या म्हज्या कामांत आयडाचो प्रमुख पात्र आसा. आतां सद्याक विल्माक मानासीक रितीन ह्या ओपरेशनाक तयर करचें गर्जेचें जाव्नासा. तीं जावाव्दारी हांवें आयडाक आंप्सील्या. ओपरेशनाच्या ओप्पिगेचा पत्राचेर तुजी म्हाका दस्कत जाय.

विवियान : (दसकत कर्ता) म्हज्या विल्मा खातीर तुमीं ओद्दाडचें पळेताना म्हाका म्हजी लज दीसता. आयडा तूं तुज्या चेडवाक थंय आस्पत्रेंत सोडन हांग आमच्या विलमांची सेवा कर्चीं पळेताना म्हाका कितें म्हणचें तें समजाना.

आयडा : वावा म्हज्या अंतस्कर्नाच्या ताळयाक पाळो दिवन जें कितें हांव कितें कर्ता त्या वर्वी

ಕರ್ತಾಂ ತ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮಾಧಾನ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣೆಯೆಂತ್ ಕಿತೆಂಚ
ಉರ್ಲೊಂಕ್ ನಾ. ಥೊಡೆಂ ಪೂಣ್ ಜಮಾವ್ನ್ ಉರ್‌ಲ್ಲೆ ದೀಸ್ ಸಮಾಧಾನೆನ್
ಖರ್ಚುಂಕ್ ಆಪೇಕ್ಷಿತಾಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಮೊರ್ನಾಚಾ ರಿಸ್ಕೆರ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ತುಜಾ ಧುವೆಚೆರ್ ಏಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಘಾಲುಂಕ್ ವೊಚಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಕಸಾಪ್ಪಿ ಹಾಂವ್. ಚಲ್ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಆಜ್ ಹ್ಯಾಚ್ ಘಡಿಯೆ ಆಮ್ಮಿ ತ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಭೆಟ್ ದಿವ್ಯಾಂ.

ಐಡಾ : ತುಜ್ಯಾ ಬರ್‍ಯಾ ಮಾನಾಕ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ ಬಾಬಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಾಂವ್ ವಸ್ತುರ್ ಬದ್ಲುನ್ ಯೆತಾಂ. ತುಮಿ ತಯಾರ್ ಜಾಯಾ.
(ವಿವಿಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಕ್ ವೆತಾ)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಐಡಾ ವಾಟೆರ್ ಜಾಂವ್, ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಜಾಂವ್ ವಿವಿಯಾನಾಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಕಳೊಂಕ್ ನಜೊ. ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ತಾಚಾ ವರ್ತಾನಾ ಖಾತಿರ್ ಜಾಯ್ತೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ದುಃಖಿಚ್ಟಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಉಲೈತಾಂ. ಪುಣ್ ತಾಚಿ ಮನಸ್ಥಿತಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಪಣಾ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ. ಬೋವ್ ಸೌಮ್ಯ ಸ್ವಾಬಾವಾಚೊ ತೊ. ದುಸ್ರ್ಯಾಂಚೆ ಕಷ್ಟ್ ತಾಕಾ ಸೊಸಾನಾಂತ್. ಆಜ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಕಾತ್ರಿಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲ್ಯಾ ಉಂದ್ರಾ ಭಾಶೆನ್ ತೊ ಜಾಲಾ. ತಾಚೆಂ ಸಂಗಿ ಆಮ್ಕಾಂ ವರ್ತನ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ.

ಐಡಾ : ವಿಚಿತ್ರ್ ಹೆಂ ಘರಾಣೆಂ ಆನಿಂ ಹಾಂತುಂ ವಸ್ತಿ ಕರ್ಚ್ಯಿಂ ಮನ್ಶಾಂ. ಏಕಾಮೆಕಾ ಉಗ್ತ್ಯಾನ್ ಉಲವ್ನ್ ಆಪ್ಲೆ ಕಷ್ಟ್-ಬಾಂದ್ಪಾಸ್-ಸಮಸ್ಯೆ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆವ್ನ್ ಪರಿಹಾರ್ ಸೊದುನ್ ಕಾಡ್ಚೆಂ ಪ್ರಯಾತನ್ ಕೊಣೀ ಕರಿನಾಂತ್. ಆಳೆ ಗಾಡಿಯೆಚೊ ಆವಾಜ್ ಜಾತಾ. ವಿವಿಯಾನಾನ್ ಗ್ಯಾರೆಜಿಂತ್ಲಿ ಗಾಡಿ ಕಾಡ್ಲಿ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸ್ತಾ. ಚಲ್ ತಾಚಿ ಇಚ್ಛಾಯ್ ಪೂರ್ಣ್ ಜಾಂವ್ದಿ.
(ಸವ್ಕಾಸ್ ದಿವೆ ಪಲ್ವಾತಾತ್)

ದೃಶ್ಯ್ ದುಸ್ರೆಂ

(ರಾತಿಚೊ ವೇಳ್ ಜೆಸಿಂತಾ ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರ್ನ್ ಆಸಾ. ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡ್.
ಜೆಸಿಂತಾ ದೆದೆಸ್ಪೂರ್ ದಿಸ್ತಾ. ಆಪ್ಲಿಂ ದಾಡಾಮ ಆಡ್ಚುನ್ ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಮುಟಿ ಮಾರ್ತಾ.)

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವ್ ಕಸಾಪ್ಪಿ.... ಹಾಂವ್ ರಾಗಿಷ್ಟ್..... ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ರಗಾತ್ ನಾ..... ಮ್ಹಾಕಾ ಕೊಣಾಚೊಚ್ ಮೋಗ್ ನಾ (ತಕ್ಲೆರ್ ಹಾತ್ ದವರ್ನ್ ಸೊಫಾಚೆರ್ ಬೊಸ್ತಾ) (ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾನ್ ಉಟೊನ್ ಉಬೆ ರಾವ್ತಾ. ಆಪ್ಲಿ ದೀಷ್ಟ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾನ್ ಗುಂವ್ಡಾಯ್ತಾ) ಮ್ಹಾಕಾ ಕೊಣ್ಂಚ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಸಕಾನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಚೊಯ್ ಮೋಗ್ ನಾ... ವ್ಹಯ್... ವ್ಹಯ್... ಕಿತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಆಸ್ಲೊಲೊ? ತಾಚಾ ಜಲ್ಮಾನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಜಿವಿತ್ ಪಿಡ್ಯ್ಯಾರ್ ಜಾಲಾಂ. ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಆಶೆಲ್ಲಿಂ ಆನಿಂ ಮೆಳ್ಳೆಂ ತರೀ ಕಿತೆಂ? ನೋವ್ ಮಹಿನೆ ತೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಕಿತ್ಲ್ಯಾ ಆಪುರ್ಬಾಯೆಚಿಂ ಸಪ್ನಾಂ ಹಾಂವೆ ಪಳೆಲ್ಲಿಂ.... ಆನಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಂಳ್ತೆರಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯೊ ಇಷ್ಟಿನ್ಯೊ ಮ್ಹಾಕಾ ಹಾಸ್ಲಿಂ... ಮ್ಹಾಕಾ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ಲಿಂ.

म्हाका समाधान मेळता. म्हज्या जीणीयेंत कितेंच उरोंक ना. थोडें पुणी जमावन उरल्ले दिस समाधानेन खर्चुंक आपेक्षीतां.

विवियान : मोर्नाच्या रिस्केर आस्चया तुज्या धुवेचेर एक दिष्ट घालुंक वचानातल्लो कसाप्पी हांव. चल अलेक्स आज हयाच घडीये आमीं त्या भुरग्याक भेट दिवयां.

आयडा : तुज्या वरया मनाक देव वरें करुं वावा.

विवियान : हांव वसतुर वदलुन येतां. तुमी तयार जाया.
(विवियान आपल्या कुडाक वेता.)

अलेक्स : आयडा वाटेर जांव, आस्पात्रेंत जांव विवियानाक कितेंच कळोंक नजो. हांव ताका ताचा वर्तना खातीर जायतें पावटीं दुखांवची उत्रां उलैतां. पुण ताची मनस्थिती भुर्गयापणा थावन हांव जाणा. वोव सौम्या स्वाभावचो तो. दुस्रयाचें कष्ट ताका सोसानांत. आज ह्या घरांत कात्रींत शिर्काल्या उंद्रा भाशेन तो जाला. ताचें संगी आमचें वर्तान वदलुंक पडतेलें.

ऐडा : विचित्र हें घराणें आनी हांतुं वस्ती करची मन्शां एकामेका उगत्यान उलवन आप्लें कष्ट-वांदापास-समाय्स समजोन धेवन परीहार सोदुन काडचें प्रयत्न कोणी करीनांत. आळे गार्डीयेचो आवाज जाता. विवियान गेरेजिंतली गाडी काडली म्हण दिसता. चल ताची इच्छाय पूर्ण जांवदी.
(सवकास दिवे पालवातात)

दृश्य दुसरें

(रातीचो वेळ जेसींता पामायों मार्न आसा. मंद उज्वाड जेसींता देदेस्पोर दिसता. आपल्लीं दाडामा आडचुन वारयार मुटी मार्ता)

जेसींता : हांव कासप्पी... हांव गर्गाष्ट... म्हज्या दोळयांत रगत ना...म्हाका. कोणाचोच मोग ना (तकलेर हात दवर्न सोफाचेर वसता)
(थोडया वेळान उटोन उवें रावता. आपल्ली दिष्ट सगळयान गुंवडायता) म्हाका कोणच समजोंक सकाना. म्हाका म्हज्या भुरग्याचोय मोग ना..व्हय व्हय... कितया खातीर आस्तोलो? ताचा जल्मान म्हजें जीवीत पिडडयार जालां. हांव कितें आशेल्लीं आनी मेळळें तरी कितें? नोव महीने तें म्हज्या पोटांत आसताना कित्ल्या आपुरभायेचीं स्पणां हांवें पळलीं आनी म्हज्या वांळतेरां उप्रांत म्हज्या इष्टीण्यो म्हाका हास्लीं. म्हाका जल्माल्या भरग्याक पळेवन हासल्लीं.

ಆವಾಜ್ : ಹಾ...ಹಾ...ಹಾ...ಆಪ್ಣಾಕ್ ಖಂಡಿತ್ ಚೆರ್ಕೊ ಜಾತೊಲೊ... ಆಮ್ಚಾ ಆಸ್ತಿಕ್ ಹಕ್ಕ್‌ದಾರ್ ಯೆತೊಲೊ.... ಆಮಿಂ ಮಾಗ್ಲಾಂ... ದೆವಾನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಫಾವೊ ಕೆಲಾಂ.... ವಾ ಜೆಸಿಂತಾಚೊ ಚೆರ್ಕೊ ಕಿತ್ಲೊ ಪುಡ್ಪುಡಿತ್ ಆಸಾ.... ಹಾ.... ಹಾ... ಹಾ.... ಚೆಡುಂ... ವಯ್ಲ್ಯಾನ್.... ಕುಡ್ಡೆಂ ಖ್ಯೆಂ.... ಜಲ್ಮಾಂ ಥಾವ್ನ್‌ಚ್ ಕುಡ್ಡೆಂ ಖ್ಯೆಂ.... ಜೆಸಿಂತಾಕ್ ದೆವಾನ್ ದಿಲ್ಲೆಂ ಮಾಣಿಕ್...... ಹಾ.... ಹಾ.... ಹಾ.....

ಜೆಸಿಂತಾ : (ಕಾನಾಕ್ ಹಾತ್ ದರ್ತಾ) ನಾ..... ನಾ..... ಹಾಂವ್ ಪಿಶಿಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಆಸಾಂ. ಪರ್ತುನ್ ಪರ್ತುನ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹ್ಯಾ ಪರಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ತುಮಿ ಸತ್ಯೆತಾತ್. ಹಾಂವ್ ಹೆಂ ಸೊಸುಂಕ್ ಸಕಾನಾ. ತಿತ್ಲಿ ಸೊಸ್ನಿಕಾಯ್ ಮ್ಹಜೆಂಲಾಗಿಂ ನಾ.

ಆವಾಜ್ : ತುಕಾ ಸೊಸುಂಕ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ.... ಜೆಸಿಂತಾ..... ತುಕಾ ಬೊಗುಂಕ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ.... ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ತುವೆಂ ಸತ್ಯೆಲ್ಯಾಂಯ್.... ತುಜ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ತುವೆಂ ಕಷ್ಟಿಲಾಂಯ್.... ಸೊಸ್... ಜೆಸಿಂತಾ... ಸೊಸ್.... ಹಾ.... ಹಾ.... ಹಾ.....

ಜೆಸಿಂತಾ : ದೆವಾ ಹೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸೊಸುಂಕ್ ತ್ರಾಣ್ ದಿ. ಖಂಚ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪಾತ್ಕಾಕ್ ತುವೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಹಿ ಶಿಕ್ಷಾ ದಿಲಿಯ್. ಮ್ಹಜೆಂ ಸ್ಯೆರಾಣ್ ತುಂ ಪಾರ್ಕಿನಾಕಾ..... ವಿವಿಯಾನಾಕ್ ಸೈತ್ ಹಾಂವ್ ನಾಕಾ ಜಾಲ್ಯಾಂಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ. ತಾಕಾ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಪಡೊನ್ ವಚೊಂಕ್ ನಾ. ಕಿತ್ಲೊ ಮ್ಹಜೊ ಮೋಗ್ ತೊ ಕರ್ತಾಲೊ.ಆತಾಂ ಖ್ಯೆಂ ಗೆಲೊ ತೊ ಮೋಗ್.... ಹಾಂವ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾಕಾ ಜಾಲ್ಯಾಂ...

ವಿವಿಯಾನ್: (ಪ್ರವೇಶ್) ಹೆಂ ತುವೆಂಚ್ ಮಾಗೊನ್ ಘೆತ್ಲಾಂಯ್ ನ್ಹಂಗಿ ಜೆಸ್ಸಿ.ಜರ್‌ತರ್ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಮೆಚ್ವಾ ಸಾರ್ಕೆಂ ಚಲ್ಲ್ಲೆಂಯ್...... ತರ್ ತುಕಾ ಕೊಣ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಪಯ್ಸ್ ಕರ್ತಾ, ಹ್ಯಾ ಹೆರಾಂಕ್ ಆಮಿಂ ಇತ್ಲಿಂ ಜಣಾಂ ಆಸ್ತಾನಾ ತುವೆಂಚ್ ತುಕಾ ಎಕ್ಸುರೆ ಕರ್ನ್ ಘೆತ್ಲಾಂಯ್ ತರ್ ಹೆರಾಂಕ್ ದುಸ್ರೊನ್ ಪಾಯ್ದೊ ಕಿತೆಂ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಕೊಣಾಯ್ಚ್ಯಾ ಮೊರ್ನಾಕ್ ವೆತಾನಾ ಸಾಂಗಾನಾಸ್ತಾನಾ ವೆಚಾ ತಿತ್ಲೆಂ ಧಾರುಣ್ ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಮಿಂ ಕಶೆಂ ಚಿಂತ್ಲೆಂ? ಕಿತ್ಲೆಂ ಆಪುರ್ಬಾಯೆಚೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ತೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೆಂ ತಾಣೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾ ತುಕಾ ತರೀ ಸಾಂಗ್ಯೆತೆಂ

ವಿವಿಯಾನ್: ಕೊಣಾಚ್ಯಾ ಮೊರ್ನಾಕ್.... ಕೊಣ್ ಗೆಲ್ಯಾಂತ್ ಆನಿಂ ಕೊಣಾಯ್ಚ್ಯಾ ಮೊರ್ನಾಕ್ ತುಕಾ ಸಾಂಗಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಗರ್ಜ್ ಕಿತೆಂ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತರ್ ತುಂ ಮೊರ್ನಾಕ್ ವೊಚೊಂಕ್ ನಾಂಯ್ ತುಕಾಯ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾ? ತಾಂಚೆ ಥಾವ್ನ್ ತರೀ ಮ್ಹಾಕಾ ಹಿ ಆಪೆಕ್ಷಾ ನಾತ್ಲ್ಲಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಕೊಣಾಚಾ ಮೊರ್ನಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್. ಉಪ್ರಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ ವ ನಾ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗ್ತಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಐಡಾಚೆಂ ಧುವ್ ಶಾಂತಿ ಸರ್ಲ್ಲಿ ಖಬಾರ್ ತುಕಾ ನಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: What! What are you talking Jessy?

ಜೆಸಿಂತಾ : I am talking sense! ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಉಲ್ಯೆತಾಂ...ತೆಂ ತುಂ ಆಯ್ಕೊನ್ ಆಸಾಯ್ ವಿವಿಯಾನ್. ಹಾಂವ್ ಲೆಕಾ ಬಾಯ್ಲಿಂ. ಪುಣ್ ತುಂ ತಾಂಕಾಂ ಮೊಗಾಚೊ.... ಲಾಗ್ಸಿಲೊ.... ತುಕಾ ಸೈತ್.....

आवाज : हा... हा... हा... आपणाक खंडीत चेर्को जातोलो... आमचा आस्तीक हकदार येतोलो... आमीं मागलां... देवान आम्कां हें भाग फावो केलां वा जेसींताचो चेर्को कितलो पुडपुडीत आसा... हा... हा... हा... चेडुं वयल्यान... कुड्डें खंय... जल्मां थावनच कुड्डें खंय... जेसीतांक देवान दिल्लें माणीक हा... हा... हा....

जेसींता : (कानाक हात धर्ता) ना... ना... हांव पिशीं जांवक आसां. पर्तुन पर्तुन कितयाक ह्या परीं महाका तुमी सतैतात. हांव हें सोसुंक सकाना. तितली सोसणीकाय म्हजे लागीं ना.

आवाज : तुका सोसुंक पडतेलें... जेस्सीतां... तुका भोगुंक पडतेलें... कित्याक त्या चेडवाक तुवें सतयलाय... तुज्या भुरग्याक तुवें कष्टीलांय.... सोस.. जेसींता... सोस... हा... हा... हा...

जेसींता : देवा... हें म्हाका सोसुंक त्राण दी. खंच्या म्हज्या पातकाक तुवें म्हाका ही शिक्षा दिलीय. म्हजें सैराण तूं पार्कीनाका विवियानाक सैत हांव नाका जाल्यांशें दिसता. ताका म्हजें कितेंच पडोन वचोंक ना. कितलो म्हजो मोग तो करतालो. आतां खंय गेलो तो मोग हांव सगळयांक नाका जाल्यां.

विवियान : (प्रवेश) हें तुवेंच मागोन घेल्लांय नैंगी जेस्सी. जरतर सर्वांक मेचवा सार्के चल्लेंय... तर तुका कोण कित्याक पयस करता? ह्या घरांत आमीं इल्लीं जणां आसताना तुवेंच तुका एकमुरें कर्न घेतलांय तर हेरांक दुर्सोन फायदो कितें?

जेसींता : कोणायच्या मोर्नाक वताना सांगानासताना वेता तितलें धारुण हांव म्हण तुमीं कशें चिंतलें? कितलें आपुर्वायचें भुर्गें तें जाव्नस्ल्लें ताणें म्हाका सांगोंक ना तुका तरी सांग्येतें।

विवियान : कोणाच्या मोर्नाक? कोण गेल्यांत आनीं कोणांयच्या मोर्नाक तुका सांगीजाय म्हण गर्ज कितें?

जेसींता : तर तूं मोर्नाक वोचोंक नांय तुकाय सांगोंक ना? तांचे थावन तरी म्हाका हीं आपेक्षा नातल्ली.

विवियान : कोणाच्या मोर्नाक म्हण पयलें सांग. उप्रांत आम्कां सांगोंक जाय आसल्लें व ना तें हांव सांगता.

जेस्सींता : आयडाचें धुव शांती सरल्ली खवार तुका ना?

विवियान : What! What are you talking jessy?

जेस्सींता : I am talking sense! हांव कितें उलयतां तें तूं आयकोन आसाय विवियान. हांव लेका भायलीं. पुण तूं तांकां मोगाचो...लागस्सीलो... तुका सयत.

ವಿವಿಯಾನ್: Stop it Jessy ದೆವಾ ಇತ್ಲೆಂ ವೆಗ್ಗಿಂ ತುವೆಂ ತಾಕಾ ಆಪಯ್ಲೆಂಯ್ ಹಾಂವ್ ಆಜ್ ಆಫಿಸಾಂತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಂಕಾಂ ಖಬಾರ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾ ಆಸ್ತೆಲೆಂ. ಆಖ್ಖೊ ದೀಸ್ ಹಾಂವ್ ಏಕಾ ಕ್ಲಾಯೆಂಟಾ ಸಾಂಗಾತಾ ಮಿಟಿಂಗಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ.ಮ್ಹಾಕಾ ಕೋಣೆಂಯ್ ಡಿಸ್ಟರ್ಬ್ ಕರ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸೆಕ್ರೆಟರಿಕ್ ಖಡ್ಡಾಯೆನ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ತುಕಾ...

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವ್ ಆಜ್ ಘರಾಚ್ಚ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಸಾಕಾಳಿಂ ಥಾವ್ನ್ ತಕ್ಲೆ ಪೊಡಾಪೊಡ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಫಿಸಾಕ್ ವೊಚೊಂಕ್ ನಾ.... ಮ್ಹಾಕಾ ತರೀ ಸಾಂಗ್ಯೆತೆಂ ನ್ಹಯ್‌ವೆ?

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಕಾ ಸಾಂಗೊನ್ ಪಾಯ್ದೊ ಕಸಲೊ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆಂ ಲೆಕ್ಲೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ತಾಣೆಂ ಕಶೆಂ ಚಿಂತ್ಲಾಂ ತರ್ ತಾಂತು ಮ್ಹಾಕಾ ಕಾಂಯ್ ವಿಶೇಷ್ ದಿಸಾನಾ. ಪುಣ್ ತುಜೆಂ ಥಂಯ್ ಆಜ್ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಚೊ ಹುಸ್ಕೊ ಆನಿ ಉತ್ರಾಂನಿ ಇತ್ಲಿ ಥಂಡಾಯ್ ಕಶಿ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವ್ ಜಾಯ್ತೆಂ ದೀಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಏಕ್ ಸಂಗತ್ ತುಕಾ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಪೆಕ್ಷಿತಾಲಿಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಆಡ್ಕಳ್ ಕರುಂಕ್ ನಾ ವ ತುಜಾ ತೊಂಡಾಕ್ ಭೀಗ್ ಘಾಲುಂಕ್ ನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಇತ್ಲ್ಯಾ ಜಡಾಯೆನ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಉಲೈತಾಯ್ ವಿವಿ?

ವಿವಿಯಾನ್: ಏಕಾ ವಾಟೆನ್ ಘರಾ ಭಿತರ್ ಸರ್ತಾನಾ ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾ ವಿಶೆಂತ್ ವಾಯ್ಟ್ ಖಬಾರ್ ದಿಲಿಯ್.... ಆನಿಂ ಆತಾಂ ತುಜೆಂ ಸದಾಂಚೆಂ ಕರ್ಕರೆ..ಆನಿಂ ಜಡಾಯೆನ್ ಉಲೈನಾಸ್ತಾನಾ ತುಕಾ ಫುಲಾಂ ಘಾಲುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ಟಂವೇ ತುವೆಂ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಆಮಿಂ ದೊಗಾನಿ ಮೊಗಾನ್ ಉಲವ್ನ್ ಕಿತ್ಲೊ ತೇಂಪ್ ಜಾಲೊ ವಿವಿ

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಾ..... ಹಾ.... ಹಾ.. ಮೋಗ್..... ಹೆಂ ಉತಾರ್ ಹಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂತ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಯ್ಕಾತಾಂ ಜೆಸ್ಸಿ? ಜರ್‌ತರ್ ತೆಂ ಸವಾಲ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾಚ್ಚ್ ಕರಿನ್ ತರ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಮೋಗ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾ ವಿವಿ?

ವಿವಿಯಾನ್: ದಿಲ್ಲೊಯ್ ....! ಧಾರಾಳ್ ಮೋಗ್ ದಿಲಾಯ್. ಹಾಂವ್ ನೆಗಾರ್ ಕರಿನಾ... ಪುಣ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ....! ಆತಾಂ ಹ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ತುಕಾ ಮೊಗಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಸೊ ಆಯ್ಲೊ. ಕಾಂಯ್ ಮೊಗಾಚೊ ನಾಟಕ್ ಖೆಳೊನ್ ಮ್ಹಜಿ ಆಸ್ತ್ ತುಜ್ಯಾ ನಾಂವಾರ್ ಕರ್ನ್, ಆಮ್ಕಾಂ ವಾಟೆರ್ ಘಾಲ್ಚಿ ಪಿತೂರಿ ಪುಣಿ ನ್ಹಂ ಮೂ ತುಜಿ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಚೂಕ್ ಸಮ್ಜಾಲಾಯ್ ವಿವಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಕಾ ಚೂಕ್ ಸಮ್ಜಾಲಾಂ? ಕೆದಾಳಾ ಆದಿಂ ವ ಆತಾಂ? ತುಜೆಂ ವರ್ತನ್ ತುಜೆಂ ವಿಶ್ವಾಂತ್ ಬೊರೆಂ ಚಿಂತುಂಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ಖೈಂ ದಿತಾ?

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಸಮ್ಜಾನಾಯ್?

ವಿವಿಯಾನ್: ತಿ ಚೂಕ್ ಮ್ಹಜಿ ನ್ಹಂ ಬಗಾರ್ ತುಜಿ. ತುಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ ತೆಂ ತುವೆಂ ಸುಧಾಳ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್ ನಂಯ್‌ವೇ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳ್ಚೆಂ! ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಜಾತಾ ತಿತ್ಲ್ಯಾ ಸಮಾಧಾನೆನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಹಾಂವೆಂ ಕೆಲೆಂ. ತುಕಾ ಸಮಾಧಾನ್ ಜಾಂವ್ಚೆ ಖಾತಿರ್ ತುಜೆ ಸಂಗಿಂ ತ್ಯಾ ಬಾಳಾಕ್ ಹಾಂವೆಂ ಮೊಗಾ ಥಾವ್ನ್ ವಂಚಿತ್ ಕೆಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಗುಲಾಮ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಂವ್

विवियान : Stop it Jessy...देवा इत्लें वेगीं तुवें ताका आपयल्लेंय! हांव आज आफीसांत नातल्यान तांकां खवार दिंवक जांवक ना आसतेलें. आयचो दिस हांव एका क्लांयटाचा सांगाता मिटींगार असल्लों. म्हाका कोणेंय डिस्टर्व कर्चे नाका म्हण हांवें म्हज्या सेक्रेटरीक खडडयेन सांगल्लें. पुण तुका...

जेस्सींता : हांव आज घराच्च आस्लीं. सकाळीं थावन तकले फोडाफोड आसल्यान आफीसाक वचोंक ना.. म्हाका तरी सांग्येतें नहींवे?

विवियान : तुका सांगोन पायदो कसलो म्हण ताणीं लेक्लें जांवक पुरो. ताणीं कशें चिंतल्लां तर तांतु म्हाका कांय विशेष दिसाना. पुण तुजें थंय आज दुस्रयाचो हुस्को आनी उत्रांनी इतली थंडाय कशी?

जेसींता : हांव जायते दीस थावन एक संगत तुका सांगोंक आपेक्षीतालीं.

विवियान : हांवें तुका आडकळ करुंक ना व तुजा तोंडाक वीग घालुंक ना.

जेसींता : तूं इतल्या जाडायेन कितयाक उलयताय विवि?

विवियान : एका वाटेन घरा भितर सरताना त्या चेडवा विश्यांत वायट खवार दिलिय... आनी आतां तुजें मदांचें कर्करे...आनी जडायेन उलैयनासताना तुका फुलां घालुंक जाय म्हणचेंवे तुवें.

जेसींता : आमीं दोगानी मोगान उलोवन कितलो तेंप जालो विवि.

विवियान : हा... हा... हा... मोग हें उतार हांव तुज्या तोंडांत थावन आयकातां जेस्सी? जरतर हें सवाल हांव तुकाच करीन तर?

जेसींता : हांवें तुका मोग दिंवक ना विवि?

विवियान : दिल्लोय ! धागळ मोग दिलाय. हांव नेगार कर्गना.... पुण वर्सा आदीं...! आतां ह्या प्रायेर तुका मोगाचो उगडास कसो आयलो. कांय मोगाचो नाटक खेळोन म्हजी आस्त तुज्या नांवार कर्न, आमकां वाटोर घाल्ची फितुरी पुणी नहीं मू तुजी?

जेसींता : तूं म्हाका चूक समाजालाय विवि.

विवियान : तुका चूक सम्जालां? केदाळा आदीं वा आतां? तुजें वर्तान तुजे विश्यांत वरें चिंतुंक आवकास खंय दिता?

जेसींता : तू म्हाका कितयाक समजानाय?

विवियान : ती चूक म्हजी नहीं. वगार तुजी. तुज्या मतींत कितें आसा तें तुवें सुढाळ म्हजेलागीं सांगल्यार न्हयवे म्हाका कळचें? ह्या घरांत जाता तितल्या समाधानेन जियेंवचें प्रयात्न हांवें केलें. तुका समाधान जांवचें खातीर तुजें सांगी त्या वाळाक हांवें मोगा थावन वंचीत केलें. ह्या वर्वीं वायलेचो गुलाम म्हण म्हका नांव पडलें. हांवें कोणाक सम्जांवचें

ಪಡ್ಲೆಂ. ಹಾಂವೆಂ ಕೊಣಾಕ್ ಸಮ್ಜಾವ್ನೆಂ ಆನಿಂ ಕೊಣಾಕ್ ಖುಶಿ ಕರ್ಚೆಂ? ತುಂಚ್ ಸಾಂಗ್. ತುಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಕಿತೆಂ ಖಾತಾ ತೆಂ ಸುಡಾಳ್ ಸಾಂಗ್.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಆಮಿಂ ಎಕಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಆಶೆತೆಲ್ಯಾಂವ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಪರತ್ ಸಾಂಗಾಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತೊ ವಿಷಯ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಹಾಡಿನಾಕಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಪೆಕ್ಷಿತಾಂ, ತಾಚಿ ಸುರ್ವ್ಯಾತ್ ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್‌ಚ್ ಜಾತಾ ವಿವಿ. ಹಾಂವ್ ಗುರ್ವಾರ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಏಕ್ ವ್ಹಡ್ಲಿ ಚೂಕ್ ಘುಡ್ಲಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಚೂಕ್....?

ಜೆಸಿಂತಾ : ವ್ಹಯ್.... ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಚೆರ್ಕೊ ಜಾತೊಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ಥೊಡ್ಯಾ ಇಷ್ಟಿಣ್ಯಾಂ ಲಾಗಿಂ ಶರ್ತ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಇತ್ಲೆಂ ಶಿಕಾಪ್ ಆಸೊನ್ ತುಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಆಸಲೆಂ ಪಿಶೆಂಪಣ್

ಜೆಸಿಂತಾ : ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಂತೊಸಾಕ್ ಘುಡ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ವಾರ್ಯಾರ್‌ಚ್ಚ್ ಧಲ್ತಾಲಿಂ ಹಾಂವ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಗುರ್ವಾರಾ ಥಂಯ್ ತಿಂ ಮೊಸ್ರ್ಯಾನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಜಾಂವ್ಕಿ ಪುರೊ. ತಾಣಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಚೆಡುಂ ಜಾತೆಲೆ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಡಾಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಸೊಸಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ವಿಲ್ಮಾ ಥಂಯ್ ಕಾಂಟಾಳೊ ಉಬ್ಜೊಂಕ್ ಮ್ಹಜಿ ಆಶಾ ನಿರಾಶೆಂತ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್, ದುಸ್ರೆಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುಜೆಂ ಶರ್ತ್....

ಜೆಸಿಂತಾ : ಶರ್ತ್ ಹಾಂವ್ ಹಾರ್ಲಿಂ.... ತಾಚಿ ಪರ್ವಾಂ ಹಾಂವ್ ಕರ್ತಿಂ ನಾ. ಪೂಣ್ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ರಗಾತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ಮ್ಹಜ್ಯೊ ಇಷ್ಟಿನ್ಯೊ,ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಯೇವ್ನ್, ಮ್ಹಾಕಾ ಉಲ್ಲಾಸುಂಚಾ ಬದ್ಲಾಕ್, ಮ್ಹಜ್ಯೊ ಮಸ್ಕಿರ್ಯೊ ಕರ್ನ್ ಹಾಸ್ಲಿಂ. ತೆಂಯ್ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್. ತ್ಯಾ ಘುಡಿಯೆ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ತುಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಯ್ ತರ್ ತುಕಾ ಕಶೆಂ ಬೊಗ್ತೆಂ?

ವಿವಿಯಾನ್: ತಾಂತುಂ ಬೊಗುಂಕ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ ಜೆಸಿಂತಾ! ಸಂಸಾರಾಚಾ ನಿಯಾಮಾ ಪ್ರಮಾಣೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಾಂಟ್ಯಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಆಮಿಂ ಅಪ್ಣಾವ್ನ್ಯಾಂತ್ ಆಸಾ ಸಂತೊಸ್. ದೆವಾನ್ ಅಮ್ಚಿ ಪರಿಕ್ಷಾ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತಶೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುವೆಂ ತೆಂ ಸುಲಾಬಾಯೆನ್ ಸಾಂಗೊನ್ ಸೊಡ್ಲೆಂಯ್. ಪುಣ್ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಜಾಲ್ಲೊ ಆಘಾತ್, ಹಾಂವೆಂ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲಿಂ ತಿಂ ಆಕ್ಮನಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ, ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಧಾರುಣ್ ಕರುಂಕ್ ಪಾವ್ಲಿಂ. ದೀಸ್ ವೆತಾಂ ವೆತಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾ ಥಂಯ್ ತೆಂ ಪಾತ್ರೆಲೆಂ ಶಿವಾಯ್ ಪಿಗ್ಳೊಂಕ್ ನಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ತುವೆಂ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗ್ಯೆತೆಂ ನ್ಯಂವೇ ಹಾಂವ್ ತುಕಾಸಾರ್ಕೆವಾಟ್ ದಾಕೈತೊಂ ಆನಿ ತುವೆಂ ಇತ್ಲಿಂ ವರ್ಸಾಂ ರಾಕ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಪೊಡ್ತಿನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮನ್ ಜಾಲೆಂ ನಾ. ಆಲೆಕ್ಸಾನ್ ತಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಪಾಟಿಂ ಯೆಂವ್ಕ್ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಚ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಮನ್ ತಾಚೆಂ ಥಂಯ್ ಆನಿಕೀ ಕೊಡ್ಶ್ಯೆಲೆಂ.

आनी कोणाक खुशी कर्चें तुंच सांग. तुज्या मतींत कितें खाता तें सुडाळ सांग.

जेसींता : आमीं एका भुर्गयाक कितलें आशेतेलयांव म्हळें हांवें तुका परत सांगाजाय म्हण ना.

विवियान : तो विषय म्हज्या उगडासाक हाडीनाका.

जेसींता : जें कितें हांव सांगोंक आपेक्षीतां ताची सुर्वात थंय थावनंच जाता विवि. हांव गुर्वार आस्ताना महजे थावन एक व्हडली चूक घडली.

विवियान : तुजे थावन चूक..?

जेसींता : व्हय म्हका खंडीन जावन चेर्को जातालो म्हण हांवें थोडया इष्टिण्यां लागीं शर्त मारल्लें.

विवियान : इतलें शिकाप आसान तुजे थावन आसलें पिशेंपण!

जेसींता : त्या वेळार म्हज्या संतोसाक घड नातल्ली. वरयारच धल्तालीं हांव. म्हज्या गुर्वाचारा थंय तीं मास्त्रान आर्म्ली जांवकी पुरो. ताणीं महाका चेडुं जातेलें म्हण चिडायताना म्हाका संमानातल्लें. विल्मां थंय कांटाळो उब्जोंक म्हजी आशा निराशेंत वदलाल्लें एक कारण जाल्यार, दुसरें.

विवियान : तुजें शर्त...!

जेसींता : शर्ता हांव हारलीं... ताची पर्वा हांव कर्ती ना. पुण दोळयांत रगात नातल्लयो म्हज्यो इष्टीणयो. आस्पत्रेंत येवन, म्हाका उल्लागुंच्या वदलाक, म्हज्यो मस्कीरयो कर्न हास्लीं. तेंय वायल्यां मुखार त्या धर्डीये महज्या जाग्यार तूं आसल्लोय तर तुका कशें भोगतें?

विवियान : तांतु वोगुंक कितें आसा जेसींता? संसारचा नियामा प्रमाणें आमचा वांट्याक आयील्लें आमी आपणावच्यांत आसा संतोस. देवान आमची परीक्षा कर्चा खातीर तशें केल्लें जांवक पुरो.

जेसींता : तुवें तें सुलावायेन सांगोन सोंडलेंय. पुण त्या दीस म्हाका जाल्लो आघात, हांवें आयकाल्लीं तीं आकमानाची उत्रां म्हजें काळीज धारुण करुंक पावली. दीस वेतां वेतां आमचा त्या चेडवा थंय तें पात्रेलें शिवाय पिरलेंक आयकोंक ना.

वीवियान : तुवें त्याच वेळार म्हाका सांग्यतें नैंवे हांव तुका सार्की वाट दाकयतो आनी तुवें इतलीं वर्सां राक्चीं गर्ज पोडतीना.

जेसींता : सांगोंक म्हाका मन जालें ना. आलेक्सान ताची दिष्ट पाटीं येंवक साध्य ना म्हळेंच म्हजें मन ताचें थंय आनीकी कोडशेलें.

ವಿವಿಯಾನ್: ತರ್ ಆಜ್ ಕಿತೆಂ ಘಡ್ಲೆಂ ಜೆಸ್ಸಿ... ತುವೆಂ ಮನ್ ಬದ್ಲುಂಕ್.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಐಡಾಚಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಪಳೆಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್..... ಮ್ಹಜೆ ಥಂಯ್ ಪರಿವರ್ತನ್ ಜಾಲೆಂ. ಮೊರ್ನ್ ನಿಶ್ಚಿತ್ ಮ್ಹಣ್ ಜಾಣಾ ಆಸೊನಿ, ನಿಮಾಣ್ಯಾ ಘಡಿಯೆ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಐಡಾನ್ ತ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಮೋಗ್ ದಿಲೊ. ದಿಸಾಕ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ವಿಲ್ಮಾಚಿ ಸೆವಾ ಕರ್ನ್ ರಾತ್‌ಭರ್ ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾ ಸರ್ಶಿ ತೆಂ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಎಕಾ ಆವಯ್ಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾ ಥಂಯ್ ಆಸ್ಚೆಂ ಕರ್ತವ್ಯ್ ಜಾಗೆಂ ಜಾಲೆಂ. ತ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಕ್ ಇತ್ಲೆಂ ವೆಗ್ಗಿಂ ಮೊರ್ನ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ನಜೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.(ರಡ್ತಾ)

ವಿವಿಯಾನ್: ಜೆಸ್ಸಿ..... (ಜೆಸ್ಸಿಕ್ ಲಾಗಿಂ ಕರ್ನ್ ತಾಚೆಂ ಮಾತೆಂ ಪೊಶೆತಾಂ) ರಡಾನಾಕಾಬಾ, ಮೊರ್ನ್ ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಆಸಾ. ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಆಜ್ ತರ್ ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಲ್ಯಾಂ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಗ್ಸಿಬಾ ವಿವಿಯಾನ್?

ವಿವಿಯಾನ್: (ತಾಚಿಂ ದುಃಖಾಂ ಪುಸುನ್) ತುಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ದುಃಖಾನಿಂ ತುಜಿಂ ಸರ್ವ್ ಪಾತ್ಕಾಂ ದುವ್ನ್ ಗೆಲಿಂ. ತುಜೆಂ ಆವಯ್ ಪಣ್ ಜಾಗೆಂ ಜಾಲೆಂ. ತೊಚ್ಚ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವರ್ತೊ ಸಂತೊಸ್. ಹಾಂವೆಂ ಸೊಪ್ಣಾಂತ್ ಸೈತ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ನಾ ಮ್ಹಜೆಂ ಜೆಸ್ಸಿ..... ಮ್ಹಜೆಂ ತೆಂ ಆದ್ಲೆಂ ಜೆಸ್ಸಿ ಇತ್ಲೆಂ ವೆಗ್ಗಿ ಪಾಟಿ ಮೆಳಾತ್ ಮ್ಹಣ್. ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಂತ್ ಪುರ್ತೊ ನಿರಾಸ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ.ಆತಾಂ ತುಕಾ ಏಕ್ ಮಹತ್ವಾಚಿ ಗಜಾಲ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಸಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಮಹತ್ವಾಚಿ? ಮ್ಹಾಕಾ...!

ವಿವಿಯಾನ್: ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಹಪ್ತ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಂಚೆಂ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್. ಆಮೆರಿಕಾ ಥಾವ್ನ್ ದಾಕ್ತೆರ್ ಆಯ್ಲಾ. ತಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆತೆಲಿ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಭರ್ವಸೊ ಆಲೆಕ್ಸಾನ್ ದಿಲಾ. ತೆಂ ಕಶೆಂ ಸಾದ್ಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಮಾತ್ರ್ ತಾಣೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : (ಪ್ರವೇಶ್) ತೆಂ ತುಮ್ಕಾಂ ಖಂಡಿತ್ ಕಳ್ತೆಲೆಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ರಮಾಂತ್ ಥೊಡಿ ತಬ್ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾ. ವಿಲ್ಮಾಂಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಫಾಲ್ಯಾಂಚ್ ಕರ್ಚೆಂ ಪಡ್ಲಾಂ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಪರ್ವಣ್ಗೆ ವಿಣೆಂ ಹಾಂವೆಂ ತಾಕಾ ಆಜ್‌ಚ್ ಎಡ್ಮಿಟ್ ಕರ್ಚೆಂ ಪಡ್ಲೆಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ವಿಲ್ಮಾ ಸರ್ಶಿಂ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಐಡಾ ರಾವ್ಲಾಂ. ತೆಂ ದುಃಖಾಂತ್ ಆಸಾ ತರಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದುವೆಕ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್, ಆಪ್ಲೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾ, ಆಮ್ಚೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಆಯ್ಕಾನಾಸ್ತಾನಾ.... ನೆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಸ್ತುರಾರ್....

ಜೆಸಿಂತಾ : ತಾಚಾ ಧುವೆಚಾ ಮೊರ್ನಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ತುಮಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಎಕ್‌ಚ್ಚ್ ಏಕ್ ಸಬ್ದ್ ಸಾಂಗ್ಲೊನಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಕಾ ಸಾಂಗೊನ್ ಕಿತೆಂ ಪಾಯ್ದೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ವಿವಿಯಾನ್ ತಾಚಾ ಆಫಿಸಾಂತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ರಾಕೊನ್‌ರಾವೊಂಕ್ ತಾಚಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳಿಂ ಲಾಗ್ತಿಲಿಂ ಕೊಣೀ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಮೊರ್ನ್ ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ಮಾತ್ಯೆಕ್ ಪಾಯ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಜೆಸಿಂತಾ ತುಜಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಇತ್ಲಿ ಮೊವ್ಲಾಣ್...?

ವಿವಿಯಾನ್: ಐಡಾಚಾ ಚೆಡ್ವಾನ್ ಜೆಸ್ಸಿಕ್ ಆಜ್ ಬದ್ಲಿಲಾಂ, ತಾಚಾ ಮೊರ್ನಾನ್ ತಾಚೆಂ ಆವಯ್‌ಪಣ್ ಜಾಗೆಂ ಜಾಲಾಂ. ತೆಂ ಕಾಳ್ಚೆಂ ಜೆಸಿಂತಾ ನೈಂ ಆಲೆಕ್ಸ್. ಮಾಂಯ್, ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದ್ಲಿ ತುಜಿ ಸುನ್ ಆಜ್ ತುಕಾ ಪಾಟಿಂ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾ.

विवियान : तर आज कितें घडलें जेस्सी तुवें मन वदुलुंक.

जेसींता : आयडाच्या भुरग्याक पळेल्या उप्रांत म्हजे थंय परिवर्तन जालें. मोर्न निश्चीत म्हण जाणा आसोनी, निमाण्ये घडीये पर्यांत आयडान त्या भुरग्याक मोग दिलो. दिसाक हांगासर विल्मांची सेवा कर्न रातभर त्या चेडवा सर्सी तें रांवचें पळेवन एका आवयक भुरग्यां थंय आम्चें कर्तव्य जागें जालें. त्या चेडवाक इत्लें वेग्गीं मोर्न येंवक नजो आसलें. (रडता)

विवियान : जेस्सी.. (जेस्सी लागीं कर्न ताचें मातें पोशेतां) रडानाकावा मोर्न हर्येकल्याक आसा. थोडयांक आज तर थोडयांक पाल्यां.

जेस्सींता : म्हाका वोग्सीवा विवियान...!

विवियान : (ताचीं दुखां पुसुन) तुज्या दोळयांत थावन देंवल्ल्या ह्या दुखांनी तुजीं सर्व पातकां धुवन गेलीं. तुजें आवयपण जागें जालें. तोच्व म्हाका वर्तो संतोस. हांवें सपणांत सैत चितुंक ना म्हजें जेस्सी म्हजें तें आदलें जेस्सी इतले वेगीं पाटी मेळात म्हण हांव म्हज्या जिर्णायेंत पुर्तो निरास जाल्लो. आतां तुका एक महत्वाची गजाल सांगोंक आसा.

जेसींता : महातवाची! म्हाका...?

विवियान : येंवच्या हफ्तयांत आमच्या विलमाच्या दोळयांचें ओपरेशन. आमेरीका थावन दाकतेर आयला. ताची दीप्ट येतली म्हळो संपूर्ण भर्वासो आलेक्सान दिला. तें कशें साध्य म्हळें मात्र ताणें सांगोंक ना.

आलेक्स : (प्रवेश) तें तुमकां खंडीत कळतलें. पुण म्हज्या कार्याक्रामांत थोडी तवदीली जाल्या. विलमाचें ओपरेशन फाल्यांच कर्चें पडलां. त्या देकुन तुम्चा पर्वण्गे विणें हांवें ताका आजच एडमीट कर्चें पडलें.

सेलीन : विल्मा सर्सीं आस्पत्रेंत आयडा रावलां. तें दुखांत आसा तरी आपल्या धुवेक होगडावन आपलें कितेंच चिंतीनास्ताना आमचें कितेंच आयकानास्ताना व्हेसल्ल्या वसतुरार...

जेसींता : ताचा धुवेंचा मोर्ना विश्यांत तुमीं म्हाका एकच एक सब्द सांगलांना.

आलेक्स : तुका सांगोन कितें फायदो आस्लो. विवियान ताचा आफीसांत नाल्लो. राकोन रावोंक ताचीं म्हळीं लाग्शीलीं कोणी नातल्यान मोर्न वेगींच मात्येक पायलें. पुण जेसींता तुजा काळजांत इतली मोवसाण...?

विवियान : आयडाच्या चेडवान जेस्सीक आज वदलीलां ताचा मोर्नान ताचें आवयपण जागें जालां. तें कालचें जेसींता न्हय आलेक्स. मांय, आट वर्सां आदीं तुजी सुन आज तुका पाटीं मेळळया.



ಜೆಸಿಂತಾ : ಆಲೆಕ್ಸ್ ತುಕಾ ಹಾಂವೆಂ ಉತ್ರಾಂನಿ ಮೊಸ್ತ್ ದುಕೈಲಾಂ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ಪಶ್ಚಾತ್ತಾಪ್ ಪಾವ್ತಾಂ. ಆನಿಂ ಮಾಂಯ್ ಆವಯ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಆವಯ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತುಜೆಂಲಾಗಿಂ ಮಾಫ್ ಮಾಗೊಂಕ್ ಉತ್ರಾಂಚ್ ಮೆಳಾನಾಂತ್.

ಸೆಲಿನ್ : ಪುತಾ ಜೆಸ್ಸಿ........... ಪಶ್ಚಾತ್ತಾಪಾಚಾ ಉಜ್ಯಾಂತ್ ಕೊಣ್ ಜಳ್ತಾ... ತಾಕಾ ಮಾಫಿಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾನಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಖಂಚಾ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ವಿಲ್ಮಾಂಕ್ ಎಡ್ಮಿಟ್ ಕೆಲಾಂಯ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : ವಿವಿ ಆಮಿ ಆತಾಂಚ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಕ್ ಯಾ. ಹಾಂವ್ ವೆಗ್ಗಿಂ ತಯಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಂ. ತುಂ ಗಾಡಿ ತಯಾರ್ ದವರ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ದರ್ವಡ್ನಾಕಾ ಜೆಸಿಂತಾ. ತುಜೆಂ ಥಂಯ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಬದ್ಲಾಪ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವರ್ತೊ ಸಂತೊಸ್ ಜಾಲೊ. ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ, ಅಸಲೊ ದೀಸ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ವೆಗ್ಗಿಂಚ್ ಉದೆತೆಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್. ಪುಣ್ ವತ್ಯಾರ್ ಬೆಜಾರಾಯೆನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಪಡ್ತಾ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಕೊಣೆಂಯ್ ಬೆಟ್ಟೆಂ ನ್ಹಯ್. ತಾಚಾ ತಕ್ಲೆಚಾ ಶಿರಾಂಕ್ ವಿಶೆವಾಂಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ.ಕಸಲ್ಯಾಯ್ ನಮುನ್ಯಾಚೊ ಒತ್ತಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಮಾಂತ್ ಬಾದಾಕ್ ಹಾಂಡುಂಕ್ ಸಕ್ತಾ.ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ತಾಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಜಾತಾ ವರೆಗ್ ವೊರೆ ವಿಂಗಡ್ ಕುಡಾಂತ್ ದವರ್ಲ್ಲಾಂ. ತೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾಚ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಆಸಾ. ಶಾಂತಿಚಾ ಮೊರ್ನಾ ವಿಶ್ರಾಂತೀ ತಾಕಾ ಸಾಂಗುಂಕ್ ನಾ.ತುಮಿ ತಾಚೆ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಖಂತ್ ಕರ್ಚಿ ನಾಕಾ. ತೆಂ ಶಾಭೀತ್ ಹಾತಾನಿ ಆಸಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತುಂ ಮ್ಹಜೆರ್ ಇತ್ಲೊಯ್ ಧಾರುಣ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಲೆಕ್ಸ್? ಮ್ಹಕಾ ತಾಚೆರ್ ಏಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ತರಿ ಘಾಲುಂಕ್ ದಿ. ಮ್ಹಕಾ ಲಾಗ್ತಾ ತುವೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಗ್ಸುಂಕ್ ನಾಂಯ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಂ ಮ್ಹಕಾ ಸಮ್ಜೊಚೆಂ ಪ್ರಯಾತ್ನ್ ಕರ್. ಹೆಂ ಹಾಂವೆಂ ತುಜ್ಯಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ರಾಗಾನ್

जेसींता : आलेक्स तुका हांवें उत्रांनी मोस्त दुखयलां. त्या खातीर हांव पशच्यताप पावतां आनी मांय आवय नातल्या म्हाका आवय जावनस्लया तुजेंलागीं माफ मागोंक उत्रांच मेळानांत.

सेलीन : पुता जेम्मी... पश्चातापाच्या उज्यांत कोण जळता... ताका माफीची गर्ज आसाना.

विवियान : खंचा आस्पत्रेंत विल्माक एडमीट केलांय?

जेसींता : विवि आमी आतांच आस्पत्रेंक या हांव वेगीं तयार जावन येतां तूं गाडी तयार दवर।

आलेक्स : दर्वाडनाका जेसींता. तुजे थंय जाल्लें वदलाप पळेवन म्हाका वर्तो संतोस जालो. हांव जाणा आस्लों. आसलो दीस हया घरांत वेगींच उदेतोलो म्हणोन. पुण व्हरत्या वेजागयेन म्हाका सांगोक पडता विल्माक आयचा दिसा कोणेंय वेट्चें न्हंय. ताचा तकलेचा शिगंक विशेवाची गर्ज आसा. कसलयाय नमुन्याचो ओत्ताड आमचा कामांत वाटाक हांडुक सकता. त्या देकुन ताचें ओपरेशान जाता वरेग वेरे विंगड कुडांत दवरलां. तें आमच्या आसपत्रेंत आसा. शांतीचा मोर्नां विश्यांती ताका सांगुंक ना. तुमी ताचें विश्यांत खंत कर्ची नाका. तें शाभीत हातानी आसा.

जेसींता : तूं म्हजेर इतलोय धारुण कित्याक अलेक्स. म्हाका ताचेर एक दिष्ट तरी घालुंक दी. म्हाका लागता तुवें म्हाका वोग्मुंक नांय?

अलेक्स : तूं म्हाका सम्जोचें प्रयत्न कर. हें हांवें तुज्या वयल्या रागान सांगचें न्हय. तुज्या

ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್. ತುಜಾ ಚೆಡ್ವಾಚೆಂ ಬೊರೆಂಪಣ್ ಆಶೆವ್ನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ. ಚೆಡುಂ ತೆಂ ತುಮ್ಚೆಂ ತರಿ ಬಾಳ್‌ಪಣ್ ಥಾವ್ನ್ ತೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಹಾತಿ ಆಸಾ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ಪಾಲ್ಯಾಂ ವರೇಗ್ ಸೊಸ್ನಿಕ್ ಜಾ.

ಸೆಲಿನ್ : ಜೆಸ್ಸಿ ಆಲೆಕ್ಸಾಕ್ ಪಾತ್ಯೆ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ತುವೆಂ ಸಮಾಧಾನ್ ಘೆಂವ್ಚೆಂ ಪಡ್ತೆಲೆಂ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಐಡಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಆಮಿ ಬೊವ್ ಚಡ್ ಬೆಜಾರ್ ಪಾವ್ತಾಂವ್ ಆಲೆಕ್ಸ್.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮನ್ಶಾಂಚಾ ಹಾತಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ ವಿವಿ. ತೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ದೆವಾಚೆಂ ನಿರ್ಮೊಣೆಂ. ತ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆನ್ ಆಪ್ಲೆಂ ದುಃಖ್ ದಾಂಬುನ್ ಧರ್ಲಾಂ. ಕಿತೆಂಚ್ ಘುಡಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ಬರಿ ವಿಲ್ಮಾಂ ಸಂಗಿ ರಾವ್ಲಾಂ ಬಾಂದುನ್ ಧರ್‌ಲ್ಲೊ ತೊ ದುಃಖಾಚೊ ಕಾಟ್ ಕೆದಾಳಾ ತುಟಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ.
(ದಿವೆ ಸವ್ಕಾಸ್ ಪಲ್ವಾತಾತ್)

ದೃಶ್ಯ್ ತೀನ್

(ಏಕಾ ಹಪ್ತ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚಾರ್ ಸರ್ವ್ ಆಸಾತ್....ಸೊಪಾಚೆರ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಬೊಸೈಲಾಂ. ತಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಬ್ಯಾಂಡೆಜ್ ಬಾಂದ್ಲಾಂ. ದಾಕ್ತೆರ್ ತಾಚಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬೊ ಆಸಾ. ಉರುಲ್ಲಿಂ ತಾಚಾ ಭಂವ್ತಣಿ . ಸರ್ವಾಂಚಾ ತೊಂಡಾರ್ ಆತುರಾಯ್)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಮ್ಹಜಾ ಬಾಯೆ ವಿಲ್ಮಾ. ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ತುಜಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಬ್ಯಾಂಡೆಜ್ ಕಾಡ್ತಾಂ. ಬೆಂಡೇಜ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ತುವೆಂ ದೊಳೆಂ ಉಗ್ತೆ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್..... ಸವ್ಕಾಸ್ ಕಳ್ಳೆಂಮೂ. ತುಂ ತುಜ್ಯಾ ಉಗ್ತ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾನಿಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಕೊಣಾಕ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಆಶೆತಾಯ್..... ಸಾಂಗ್.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ತುಮ್ಕಾಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್..... ತುಮಿ ಸಗ್ಳಿಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಮುಖಾರ್ ಲೈನಿರ್ ಉಬೆ ರಾವಾ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತಶೆಂ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಜಾ ಬಾಳಾ. ಪಯ್ಲೆಂ ತುವೆಂ ಕೊಣಾಯ್ ಏಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಪಳೆವ್ಯೆತ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಉರುಲ್ಯಾಂಕ್ ಕಳ್ಳೆಂಮೂ. ಆತಾಂ ಸಾಂಗ್ ಆಮ್ಚೆ ಪಯ್ಕಿ ತುಕಾ ಕೊಣಾಕ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಖುಶಿ ಆಸಾ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಂಕಲ್ .... ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಮ್ಮಿಕ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಆಶೆತಾಂ. ತಿ ಘರಾ ಆಸಾಗಿ ಆಂಕಲ್.
(ಜೆಸಿಂತಾ ಬಾವುಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರುಂಕ್ ದರ್ವಡ್ತಾನಾ ದಾಕ್ತೆರ್ ಇಶಾರ್ಯಾನಿ ತಾಕಾ ಆಡಾಯ್ತಾ. ತೆಂ ಆಪ್ಲೆಸ್ಥಕಿಂ ಕಸ್ಕಸೊನ್ ರಡ್ತಾ.ಪಾಲ್ವಾನ್ ಆಪ್ಲಿಂ ದುಃಖಾಂ ಪುಸುನ್ ವಿಲ್ಮಾಂಕ್ ಪುಡ್ ಕರ್ನ್ ರಾವ್ತಾ.)

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತುಜಿ ಮಮ್ಮಿ ಹಾಂಗಾಸರ್‌ಚ್ ಆಸಾ ಪುತಾ ಆನಿಂ ತುವೆಂ ತಿಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಶೆವ್ನ್ ರಾವ್ಲ್ಯಾ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಮಮ್ಮಿ ಮ್ಹಜೆಂ ಲಾಗ್ಗಿಂಚ್, ಮ್ಹಜೆ ಮುಖಾರ್ ಆಸಾಗಿ ಆಂಕಲ್?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವ್ಹಯ್ ವಿಲ್ಮಾ. ಪುಣ್ ತುಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಶೆಂ ವಳ್ಕಾತೆಲೆಂಯ್. ತುವೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಕೆದಿಂಚ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ನಾಂಯ್!

चेंडवाचें वरेंपण आशेवन सांगचें. चेंडूं तें तुमचें तरी वाळपण थावन तें म्हजें हातीं आसा. त्या देकुन पाल्यां वरेंग सोसणीक जा.

सेलीन : जेम्सी आलेक्साक पात्ये. आयच्या दिसा तुवें समाधान घेंवचें पडतेलें.

विवियान : आयडा विश्यांत आमी वोव चड वेजार पावतांव आलेक्स.

आलेक्स : मन्शांचा हातांत कितें आसा विवि. तें सगळें देवाचें निर्मोणें. त्या स्त्रियेन आप्लें दुख दांवुन धर्ला. कितेंच घडानातल्ले वरी संगी रावलां वांदुन धरल्लो तो दुखाचो काट केदाळा तुटात म्हळें सांगोंक जायना.
(दिवें सवकास पालवतात)

दृश्य तिन

(एका हप्त्या उप्रांत रंगमंचार सर्व आसात सोपाचेर विल्माक वसयलां. ताच्या दोळयांक व्यांडेज वादलां. दाकतेर ताचा पाटल्यान उबो आसा. उरल्लीं ताचा भंवताणी. सर्वांच्या तोंडार आतुराय.)

आलेक्स : म्हजा वायं विल्मा. आतां हांव तुजा दोळयांचें व्यांडेज काडतां. व्यांडेज काडल्या उपरांत सवकास तुवें दोळें उगतें करुंक जाय. सवकास कळळेंमू? तूं तुज्या उगत्या दोळयांनी पयलें कोणाक पळेंवक आशेताय सांग...

विल्मा : तुम्कां सगळयांक..... तुमी सगळीं मजें मुखार लैनीर उबे रावा.

आलेक्स : तशें जायना महजा वाळा. पयलें तुवें कोणांय एकलयाक पळेव्येत उप्रांत उरल्यांक कळळेंमू. आतां सांग आमचे पयकी तुका कोणाक पळेंवक खुशी आसा.

विल्मा : डॉक्टर अंकल हांव म्हज्या मम्मीक पळेंवक आशेतां. ती घरा आसागी अंकल.
(जेर्मीता वावुक जावन विल्माक पुटलुन धरुंक दर्वाडताना दाकतेर इशर्यानी ताका आडायता. तें आपलेंम्तकी कस्कासान रडता. पाल्वान आपलीं दुखां पुसुन विल्माक पुड कर्न रावता)

आलेक्स : तुजी मम्मी हांगासरच आसा पुता आनी तुवें तिका पळेंवक जाय म्हण आशेवन रावल्या.

विल्मा : मम्मी म्हजें लागींच म्हजें मुखार आसागी अंकल?

आलेक्स : व्हय विल्मा. पुण तूं आमकां कशें वळकातलेंय. तुवें आमकां केदींच पळेंवकनांय।

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಹಾಂವ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ವಳ್ಖೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತರ್ ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ತುಜಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಬೆಂಡೆಜ್ ಕಾಡ್ತಾಂ. ಹಾಂವೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಸಾಮೂ ತುಕಾ. ಸವ್ಕಾಸ್ ದೊಳೆ ಉಗ್ತೆ ಕರ್ನ್ ಪಯ್ಲೆಂ ತುಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಲಾಯ್ ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ತುಜಿ ತಕ್ಲಿ ಉಕಲ್ನ್ ತುಜಾ ಮಮ್ಮಿಕ್ ಪಳೆ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಜಾಯ್ತ್ ಅಂಕಲ್......

(ಆಲೆಕ್ಸ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ಬ್ಯಾಂಡೇಜ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕರ್ತಾ. ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಲಾಯಿಲ್ಲೊ ಕಾಪುಸ್ ಕಾಡ್ತಾ. ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬೊಟಾನಿಂ ತಾಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೆರ್ ಮಾಲಿಶ್ ಕರ್ತಾ. ವಿಲ್ಮಾ ಸವ್ಕಾಸ್ ದೊಳೆ ಉಗ್ತೆ ಕರ್ನ್ ಆಪ್ಲಿ ದೀಷ್ಟ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಲಾವ್ನ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ಉಬಾರ್ತಾ. ತಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ದುಃಖಾಂ ಭರ್ನ್ ಉಬಿ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ಚೆರ್ ಖಂಚ್ತಾ. ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ದುಃಖಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ತೆಂ ಗುಸ್ಪೊಡ್ತಾ. ಡಾಕ್ಟರ್ ಅಂಕಲ್..... ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್ತಾ.... ತುಂ ಮ್ಹಜಿ ಮಮ್ಮಿ? ಹಿ ಮ್ಹಜಿ ಮಮ್ಮಿ ಆನಿಂ ತುಂ ರಡ್ತಾಯ್?

ಜೆಸಿಂತಾ : (ದಾಂವ್ಲೊನ್ ವಚೊನ್ ವಿಲ್ಮಾಂಕ್ ಪೊಟ್ಲುನ್ ದರ್ನ್ ತಾಚಾ ಗಾಲಾಚೆಂ ಉಮೆ ಘೆತಾ.)

ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಜಾ ಬಾಳಾ. ಹಾಂವ್‌ಚ್ ತುಜಿ ನಿರ್ದಾಯಿ ಮಮ್ಮಿ.... ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಗ್ಸಿ ಮ್ಹಜಾ ಬಾಳಾ.

ವಿಲ್ಮಾ : (ಉಟೊನ್ ಉಬೆಂ ರಾವೊನ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚಾರ್ ಏಕ್ ಭಂವಾಡೊ ಕಾಡ್ತಾ ಆನಿ ಆಲೆಕ್ಸಾ ಸರ್ಶಿಂ ಪೊಚೊನ್) ಮ್ಹಜೊ ಮೊಗಾಚೊ ಡಾಕ್ಟರ್ ಅಂಕಲ್.... ಮ್ಹಜೊ ಡ್ಯಾಡಿ.... ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಮ್ಹಜಿ ಮೊಗಾಚಿ ಆಜ್ಜಿಮಾಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ವ್ಹಯ್‌ಗೊ ಮ್ಹಜಾ ಭಾಂಗಾರಾ (ತಾಕಾ ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರ್ನ್ ತಾಚಾ ಕಪಾಲಾಚೊ ಉಮೊ ಘೆತಾ)

ವಿಲ್ಮಾ : ಐಡಾ ಆಂಟಿ....

ಐಡಾ : (ಉಲೈನಾಸ್ತಾನಾ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಲಾಗಿ ಘೆವ್ನ್ ತಾಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್‌ಚ್ಚ್ ಪಳೆತಾ. ತಾಚಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ದುಃಖಾಂ ದೆಂವ್ತಾತ್. ತೆಂ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ಉಕಲ್ನ್ ದರ್ತಾ) ವಿಲ್ಮಾ, ಮ್ಹಜಾ ಬಾಯೆ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಾಯ್.... ತ್ಯಾ ಸೊಭಿತ್ತ್ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಾಯ್.... ಮ್ಹಜಾ ಬಾಳಾಕ್ ತುಜಾ ರುಪಾನ್ ಹಾಂವ್ ದೆಕೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾಂ...

(ಸರ್ವಾಂಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ತಾಚೆರ್ ಖಂಚ್ತಾ)

ವಿವಿಯಾನ್: ಆಲೆಕ್ಸ್ ತುಜೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಕಸೊ ಬಾವ್ಡ್ಂಚೊ ತೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಾನಾ.. ಆಜ್ ತುಜೆಂ ಪರ್ವಿಂ ಮ್ಹಜಾ ಭುಗ್ಯಾಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಆಯ್ಲಿ. ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ಲೆಂ ಸಮಾಧಾನ್ ಪಾಟಿ ಆಯ್ಲೆಂ. ವಿಲ್ಮಾ ಸವೆಂ ದಿಸಾನಾತ್ಲ್ಯಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಸರ್ವಾಂಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಪಾಟಿಂ ಮೆಳ್ಳಿ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವಿವಿಯಾನ್ ಆನಿಂ ಜೆಸಿಂತಾ, ಯೆದೊಳ್ ತುಮ್ಚೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಲಿಪೊನ್ ಆಸ್ಚೊ ಏಕ್ ಘುಟ್ ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ಉಗ್ಡಾಪೊ ಕರ್ತಾಂ. ತುಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಹೊಗೊಳ್ಸಿಲೆಂ....

विल्मा : हांव तुमकां सगळयांक वळकोंक सकता.

आलेक्स : तर आतां हांव तुजा दोळयांचें व्यांडेज काडतां. हांवें सांगल्लो उगडास आसामू तुका. सवकास दोळे उगते कर्न पयलें दिष्ट धर्णीक लाय आनी उप्रांत सवकास तुजी तकली उकलन तुजा मम्मीक पळे.

विल्मा : जायत अंकल...

(आलेक्स सवकास व्यांडेज उगतें कर्ता. दोळयांक लायील्लो कापुस काडता. आपल्या बोटानीं ताचा दोळयांचेर मालीश कर्ता. विल्मा सवकास दोळे उगते कर्न आपली दिष्ट धर्णीक लावन उप्रांत सवकास उवारता. ताची दीष्ट आपल्या दोळयांनी दुखां भर्न उबी आसच्या आपल्या आवयचेर खंचता. आवयच्या दोळयांत दुखां पळेवन तें गुस्पोडता). डॉक्टर अंकल म्हाका दिस्ता ही म्हजी मम्मी? आनी तूं रडताय?

जेसींता : (दांवोन वचोन विल्मांक पोटलुन धर्न ताचा गालाचें उमे घेता)

व्हय म्हजा वाळा. हांवच तुजी निर्दयी मम्मी म्हाका वोगसी म्हजा वाळा.

विल्मा : (उटोन उवें गवोन रंगमंचार एक भंवाडो काडता आनी आलेक्सा सर्शी वचोन) म्हजो मोगाचो डाकटार अंकल म्हजो ड्याडी व्हडलीमांय म्हजी मोगाची आज्जीमांय.

सेलीन : व्हयगो म्हजा भांगार (ताका पोटलुन धर्न ताचा कपालाचो उमो घेता)

विल्मा : आयडा आंटी!

ऐडा : (उलैनासताना विल्माक लागीं घेवन ताच्या दोळयांकच पळेता. ताचया दोळयांतल्यान दुखां देंवतात. तें विल्मांक उकल्न धर्ता)

विल्मा म्हजा वाये तूं म्हाका पळेंवक सकताय त्या सोभीत दोळयांनी म्हाका पळेंवक सकताय...! म्हजा वाळाक तुजा रुपान हांव देकोंक सकतां

(सर्वांचीं दीष्ट ताचेर खंचता.)

विवियान : आलेक्स तुजो उपकार कसो वाव्डुंचो तें म्हाका कळाना. आज तुजें ववीं म्हज्या भुरग्याक दीष्ट आयली. ह्या घरांतलें समाधान पाटी आयलें. विल्मा सवें दिसानातल्या आमकां सर्वांक दीष्ट पाटीं मेळळी.

आलेक्स : विवियान आनी जेसींता, एदोळ तुमचे थावन लिपोन आसचो एक घुट आतां हांव उगडापो कर्ता. तुमी म्हाका होगोळसीलें म्हजो उपकार वावुडलो. पुण ताचो हक्कदार

ಮ್ಹಜೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಬಾವುಡ್ಲೊ.ಪುಣ್ ತಾಚೊ ಹಕ್ಕ್‌ದಾರ್ ಹಾಂವ್ ನ್ಹಂಯ್. ಹಾಂವೆಂ ತುಮ್ಕಾಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ನ್ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ಸಾದ್ಯ್ ನಾ ಮ್ಹಣೊನ್.

ಜೆಸಿಂತಾ : ತರ್ ಹೆಂ ಆಜಾಪ್ ಕಶೆಂ ಜಾಲೆಂ....?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹಾಂತು ಆಜಾಪ್ ಕಾಂಯ್ ನಾ ಜೆಸಿಂತಾ. ಬಗಾರ್ ಎಕಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆನ್ ಹೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ತುಮ್ಚೆರ್ ಕೆಲಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾಚ್ ಭುಗ್ಯಾ್ಚೆ ದೊಳೆ ತಿಣೆಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ವಿಲ್ಮಾಕ್ ದಾನ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್. ಪಳೆಯಾ ತ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆಕ್.... ಆನಿಂ ತಿಚಿ ಪ್ರತಿಕ್ರಿಯಾ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಭುಗ್ಯಾ್ಥಂಯ್!

ಜೆಸಿಂತಾ : ಐಡಾ...!

ವಿವಿಯಾನ್: ಶಾಂತಿ....!

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ವ್ಹಯ್ ಆಜ್ ವಿಲ್ಮಾ ಶಾಂತಿಚಾ ದೊಳ್ಯಾನಿ ಹೊ ಸಂಸಾರ್ ದೆಕೊಂಕ್ ಸಕ್ಲಾಂ.

ಜೆಸಿಂತಾ : (ಐಡಾ ಸರ್ಶಿಂ ವೊಚೊನ್ ತಾಚಾ ಹಾತಾಂಕ್ ಧರ್ನ್) ಐಡಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭಯ್ಣಿಂ.

ಐಡಾ : ನಾಕಾ ಬಾಯೆ... ನಾಕಾ ... ಮ್ಹಜೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಕೊಣೆಂಯ್ ಬಾವ್ಡ್ಂಚೊ ನಾಕಾ. ಆಮಿ ತಾಕಾ ವಾಖಾಣ್ಯಾಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಿ ತಾಚಿ ಮಾಂಡಾವೊಳ್. ಮ್ಹಜಾ ಶಾಂತಿಕ್ ತಾಚಾ ಶೆತಾಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವರ್ತಾನಾ, ವಿಲ್ಮಾ ದ್ವಾರಿಂ ತಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಥಂಯ್ ಜಿವೊ ಉರ್ತೊಲೊ. ಡಾಕ್ಟರ್ ಆಲೆಕ್ಸಾನ್ ಜರ್‌ತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮ್ಜಣಿ ದೀವ್ನ್.... ಹ್ಯಾ ಕಷ್ಟಾಂಚಾ ಸಿರ್ಧಾರಾಕ್ ಪಾಟಿಂಬೊ ದಿಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ಮ್ಹಜಾನ್ ತೆಂ ಜಾತೆಂ ನಾ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಐಡಾ ಆಂಟಿ.... ಶಾಂತಿ ಬಾಯೆಚೆ ದೊಳೆ.... ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಲೆ.... ಶಾಂತಿ ಬಾಯೆಕ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಪುತಾ ವಿಲ್ಮಾ ಶಾಂತಿ ದೆವಾಚಾ ಘರಾ ಗೆಲೆಂ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಶಾಂತಿ ಬಾಯೆಕ್ ಜೆಜುನ್ ಆಪ್ಯೆಲೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್? ಮ್ಹಾಕಾ ತಾಕಾ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಸೆಲಿನ್ : ಜೆಜುಕ್ ತಾಚಾ ಘರಾ ಶಾಂತಿ ಬಾಯೆಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಪುತಾ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಹಿ ಸಂಗತ್ ತುವೆಂ ಆಮ್ಚೆ ಥಾವ್ನ್ ಲಿಪ್ಯೆಲಿ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆಲೆಕ್ಸ್ ? ಜರ್‌ತರ್ ಐಡಾಚಿ ಒಪ್ಪಿಗಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ತುವೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಕಳವ್ಯೆತೆಂ ನ್ಹಯ್‌ವೆ?

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ಹೊ ವಿಷಯ್ ಆಕ್ರೆಚಾ ಕ್ಷಣಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಇತ್ಲೊ ನಾಜೂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ, ಹಾಂವ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಸಾಂಗ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಥಿತೆರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊಂ. ಖಂಚಾಯ್ ವ್ಯಕ್ತಿನ್ ಆಪ್ಲೆ ದೊಳೆ ದಾನ್ ಕೆಲ್ಯಾರಿ, ತಿ ವ್ಯಕ್ತಿ ಜಿವಂತ್ ಆಸ್ತಾನಾ ತಾಚೆ ದೊಳೆಂ ಕಾಡ್ನ್ ದುಸ್ರ್ಯಾಕ್ ದಿಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಐಡಾಚಿ ಮನಸ್ಥಿತಿ ಆಕೇರ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಸ್ಥಿರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಸಹಜ್ ತೆಂ ವಿವಿಯಾನ್. ಜಿವಂತ್ ಆಸ್ತಾನಾ ವಳ್ಖಿಳೆ ಬೊಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಭುಗ್ಯಾ್ಚೆರ್ ಮೊರ್ನ್ ಉಪ್ರಾಂತಿ ತಾಚಾ ಕುಡಿಚಿಂ ಭೆಸಾಂ ಕರುಂಕ್ ಖಂಚೆಯಿ ಆವಯ್ ಸುಲಭಾಯೆನ್ ತಯಾರ್ ಜಾಯ್ನಾ. ತಿಚ್ಚ್ ಪರಿಗತ್ ಐಡಾಚಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿ.

(ಸರ್ವಾಂ ಐಡಾಕ್ ಉಪ್ಕಾರಿ ದಿಸ್ಟಿನ್ ಪಳೆತಾತ್)

ಜೆಸಿಂತಾ : ಬಾಯೆ ವಿಲ್ಮಾ ತುಕಾ ಶಾಂತಿಕ್ ಪಳೆಂವ್ಚೊ ಅವ್ಕಾಸ್ ಲಾಬ್ಲೊನಾ.... ಪುಣ್ ಆಜ್ ತುಂ ಆಮ್ಕಾಂ ತಾಚಾಚ್ಚ್ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಪಳೆತಾಯ್.

हांव न्हय. हांवें तुमकां सांगल्लें ओपरेशान कर्न विल्मांक दिष्ट येंवक साध्य ना म्हणोन.

सींता : तर हें आजाप कशें जालें..?

ालेक्स : हांतु आजाप कांय ना जेसींता. वगार एका स्त्रियेन हो उपकार तुमचेर केला आपल्या एकाच भुग्याचे दोळे तिणें तमच्या विल्माक दान केल्यांत. पळेया त्या स्त्रियेक आनी तिची प्रतीक्रिया तुमच्या भुरग्याथंय!

सींता : आयडा..!

वियान : शांती...!

आलेक्स : व्हय आज विल्मा शांतीच्या दोळयानी हो संसार देकोंक सक्लां.

जेसींता : (आयडा मर्शीन वचोन ताचा हातांक धर्न) आयडा म्हज्या भयणीं.

ड़ा : नाका वाये... नाका... म्हजो उपकार कोणेंय वांवडुंचो नाका. आमी ताका वाखाणयां. कित्याक ही ताची मांडावोळ. म्हज्या शांतीक ताचा शेताक आपवन वरताना विल्माद्वारीं ताचो उगडास म्हजें थंय जिवो उर्तोलो. डॉक्टर आलेक्सान जरतर म्हाका समजणी दोवन ह्या कष्टांचा निर्धारक पार्टीवो दिंवक नातल्लो म्हज्यान तें जातें ना.

विल्मा : आयडा आंटी... शांती वायेचें दोळें म्हाका दिलां... शांती वायेक कितें जालें.

आलेक्स : पुता विल्मा शांती देवाच्या घरा गेलें.

विल्मा : शांती वायेक जेजुन आपेलं कित्याक! म्हाका ताका पळेंवक आसल्लें.

सेलीन : जेजुक ताचा घरा शांती वायेची गर्ज आसल्ली पुता.

विवियान : ही संगत तुवें आमचें थावन लिपयली कित्या आलेक्स. जरतर आयडाची ओर्प्पीर्गी

आस्ली तुवें आमकां पयलें कळव्यतें न्हयवे?

आलेक्स : हो विषय आक्रचाक्षण पर्यान इतलो नाजूक आस्लो, हांव तुमकां सांगच्या स्थितेर नातल्लों. खंय्चाय व्यकतीन आप्ले दोळे दान केल्यारी, ती व्यकती जीवंत आसताना ताचे दोळें काडन दुस्र्याक दिंवक जायना. आयडाची मनस्थीती आखेर पर्यांत स्थिर नातल्ली. म्हाज तें विवियान, जिवत आसताना वळवळें वोगल्यां भुर्गयाचेर मोर्नां उप्रांती ताचा कुडीची भेसां करुंक खंर्चीयी आवय मुलाभायेन तयार जायना. तिच परीगत आयडाची जावन्सली।
(सर्वां आयडाक उपकारी दिष्टीन पळेतात)

जेसींता : वाये विल्मा तुका शांतीक पळेंवचो आवकास लाव्लोना. पुण आज तुं आमकां ताचाचा दोळयांनी पळेताय.

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಐಡಾ ಆಂಟಿ... ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ತುವೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಯ್ ತುಂ ದುಬ್ಳಿ ಆನಿಂ ಹಾಂವ್ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ದೆಕುನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬಾಯೆ ಮ್ಹಣ್ ಆಪೈತಾಲಿಯ್. ಆಜ್ ತುಂ ಆಮ್ಚೆಂ ವರ್ನಿಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಜಾಲಿಯ್.... ಆನಿಂ ಆಮ್ಕಾಂ ದುಬ್ಳಿಂ ಕೆಲಿಂಯ್.

ಸೆಲಿನ್ : ತೆಂ ಕಶೆಂ ಪುತಾ?

ವಿಲ್ಮಾಂ : ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ತುಂ ಮಾತಾರಿ ಜಾಲ್ಯಾಯ್ ತುಕಾ ಸಮ್ಜಾನಾ.

ಸೆಲಿನ್ : ಕಿತೆಂಗೊ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಹಾತ್ ಘಾಲ್ನ್ ಉಲೈತಾಯ್?

ವಿಲ್ಮಾಂ : ಐಡಾ ಆಂಟಿನ್ ತಿಚೆ ಕಡೆನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಲೆಂ. ಮ್ಹಜಿ ದೀಪ್ಟಿ.... ಮ್ಹಜಿ ಮಮ್ಮಿ ಆನಿಂ ಡ್ಯಾಡಿ. ತರ್ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಕೊಣ್?

ಸೆಲಿನ್ : ಸಾರ್ಕೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಯ್ ಪುತಾ ತುವೆಂ. ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಹ್ಯಾ ಘರ್ಚೆಂ ಸಮಾಧಾನ್ ತಾಣೆಂ ಆನಿಂ ತಾಚಾ ಧುವೆನ್ ಪಾಟಿಂ ಹಾಡ್ಲೆಂ. ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ತೆಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಆನಿಂ ಆಮಿಂ ದುಬ್ಳಿಂ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್. ತಾಚಿ ಮಾಯಾಮೊಗಾಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ತಾಣೆಂ ಆಪ್ಲೆಸ್ಥಕಿಂ ದವ್ರಿನಾಸ್ತಾನಾ ಆಮ್ಕಾಂ ವಾಂಟುನ್ ಸೊಡ್ಲಿ.

ವಿವಿಯಾನ್: ಆಲೆಕ್ಸ್ ಮ್ಹಜಾ ಇಷ್ಟಾ ಲಾನ್ಪಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಬಾವಾಂ ಬರಿ ಆಮಿಂ ವಾಡ್ಲ್ಯಾಂವ್, ಸಾಂಗಾತಾ ಆಮಿಂ ಶಿಕ್ಲ್ಯಾಂವ್.ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂನಿಂ ಮ್ಹಜಾ ನಾಪಾಸ್ ವರ್ತನಾ ವರ್ವಿಂ ಆಮ್ಚಾ ಇಷ್ಟಾಗತೆರ್ ಏರ್ ಆಯ್ಲಿ. ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಆಮ್ಚೆ ಮಧೆಂ ಘಡ್ಲಾಂ ತೆಂ ವಿಸ್ರೊನ್ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಆದ್ಲೊ ವಿವಿ ಮ್ಹಣ್ ಅಪ್ಣಾಯ್ತಾಲೊಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾತ್ಯೆತಾಂ.

ಆಲೆಕ್ಸ್ : ತೆಂ ಏಕ್ ಸ್ವಪಾಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಮಿಂ ವಿಸಾರ್ಯಾಂ ಜೆಸ್ಸಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವೊನಿಯೆ... ಎಕ್ ದೀಸ್ ಹಾಂವ್ ಆನಿಂ ಐಡಾ ಉಲವ್ನ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಹಾಂವ್ ತಾಚಾ ಮೊಗಾರ್ ಪೊಡ್ಲಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಆರೊಪ್ ಮಾಂಡ್‌ಲ್ಲೊಯ್. ಪುಣ್ ತ್ಯಾ ವೆಳಿಂ ಆಮ್ಚೆ ಮಧೆಂ ತುಜಾ ಆನಿಂ ತಾಚಾ ಭುಗ್ರ್ಯಾ ವಿಶೆಂತ್ ಉಲೊಣೆಂ ಚಲ್ತಾಲೆಂ, ಚರ್ಚೆಂ ಜಾತಾಲೆ. ಪುಣ್ ಆತಾಂ ನೀಜ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಕಾ ಹಾಂವ್ ಭೊವ್ ಲಾಗಿಂ ಜಾಲಾಂ. ಮ್ಹಜೆಂ ಎಕ್ಸ್ಪರ್‌ಪಣ್ ಪಯ್ಸ್ ಕರುಂಕ್ ಹ್ಯಾ ಪನ್ನಾಸ್ ವರ್ಸಾಂಚಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ಲಗ್ನಾಂತ್ ಎಕ್ವಟೊನ್ ತಾಕಾ ಮ್ಹಜಿ ಜಿಣ್ಯೆ ಸಾಂಗಾತಿಣ್ ಕರುಂಕ್ ಚಿಂತ್ಲಾಂ. ಕಿತೆಂ ತುಮ್ಚಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್. ಮ್ಹಜಿಂ ಲಾಗ್ಸಿಲಿಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ತುಮಿಂಚ್. ಐಡಾನಿ ಯೆದೊಳ್ ಹಾಂ ಮ್ಹಣೊಂಕ್‌ನಾ.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಹ್ಯಾ ಮಾತಾರ್ಯಾಚೊ ಹಂಕಾರ್ ಪಳೆನಾಂಯ್?

ವಿವಿಯಾನ್: ಖರೆಂಚ್ಚ್ ಆಲೆಕ್ಸ್. ತುಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾಯ್, ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಕಾ ಪಾತ್ಯೆಂವ್ಕ್ ಕಷ್ಟ್ ಮಾರ್ತಾ. ಕಾಜಾರ್‌ಚ್ಚ್ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಣ್ ಬೊಸ್‌ಲ್ಲೊ ತುಂ!

ಸೆಲಿನ್ : ಬಾಯೆ ಐಡಾ ಕಸೊ ವಿವಿಯಾನ್ ತಶೆಂ ಆಲೆಕ್ಸ್ ಮ್ಹಾಕಾ.... ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪುತಾ ಸಾರ್ಕೊ. ತಾಣೆಂ ಮೊನ್ ಕೆಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ಟಾಚ್.... ತುಂ ಪಾಟಿಂ ಪಳೆನಾಕಾ...

ಐಡಾ : ಪುಣ್ ಆಂಟಿ...... ಮ್ಹಜೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಸರೊನ್.... ಚಡ್ ದೀಸ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಂತ್... ಹಾಂವೆಂ ವಿದ್ವಿನ್ ಹೆಂ ಮೇಟ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಸಮಾಜ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೋಟ್ ಜೊಕುಂಕ್ ಆಸಾ.

वेल्मा : आयडा आंटी त्या दीस तुवें म्हळेंय तूं दुवळीं आनी हांव ग्रेस्त देकुन म्हाका वाये म्हण आपेतालीय. आज तूं आमचें वर्वी ग्रेस्त जालीय आनी आमकां दुवळीं केलींय.

सेलीन : तें कशें पुता?

विल्मा : व्हडलीमांय तूं म्हातारी जाल्याय तुका समझाना.

सेलीन : कितेंगो मात्यार हात घालन उलैयताय?

विल्मा : आयडा आंटीन तिचें कडेन आसल्लें आम्कां दिलें. म्हजी दिष्ट म्हजी मम्मी आनी ड्याडी. तर ग्रेस्त कोण?

सेलीन : मार्के मांगलेंय पुता तुवें. वयल्यान ह्या घरचें समाधान ताणें आनी ताच्या धुवेन पाटीं हाडलें. खंडीत जावन तें ग्रेस्त आनी आमीं दुवळीं जाल्यांव. ताची मायामोगाची गस्तकाय ताणें आपलें स्थर्की दवरीनासताना आमकां वांटुन सोडली.

विवियान : आलेक्स म्हज्या इष्टा लान्पाणार थावन भाभवां वरी आमीं वाडल्यांव,सांगाता आमी शिकल्यांव. पाटल्या वर्सांनीं म्हजा नापास वर्तांना वर्वी आमचा इष्टागतेर एर आयली. जें कितें आमचें मधें घडलां तें विसरान तू म्हाका आदलो विवि म्हण आपणयतोलोय म्हण पात्येतां.

आलेक्स : तें एक स्वपाण म्हण आमी विसर्यां जेर्स्पी म्हज्या बोनीयें एक दीस हांव आनी आयडा उलवन आसताना हांव ताचा मोगार पोडलां म्हळो आरोप मांडलोय पुण त्या वेळीं आमचें मधें तुजा आनी ताचा भुग्याा विश्यांत उलोणें चलतालें, चर्चे जातालें. पुण आतां निज जावन ताका हांव भाव लागीं जालां. महजें एक्सुरपण पयस करूंक ह्या पन्नास वर्साचा प्रायेर ताचें सर्गी लग्नांत एक्वांटान ताका म्हजी जिण्ये सांगातीण करूंक चिंतलां. कितें तुमचीं आर्भाप्राय.म्हजीं लागस्तीं मन्शां म्हळयार तुमींच. आयडानई एदोळ हां म्हणोंक ना.

जेसींता : ह्या म्हातान्याचो हंकार पळेनांय?

विवियान : खरेंच आलेक्स. तूं काजार जाताय म्हळयार म्हाका पात्येंवक कष्ट मागता. काजारच जायना म्हण वोसल्लो तूं.

सेलीन : वाय आयडा कसो विवियान तशें आलेक्स म्हाका म्हज्या पुता सार्को. ताणें मान केलां महणताच तूं पाटीं पळेनाका.

आयडा : पुण आंटी म्हजें भुर्गें मरान चड दीस जांवक नांत. हांवें विद्यीन हें मेट काडल्यार समाज म्हाका वोट जोकुंक आसा.

ಜೆಸಿಂತಾ : ಸಮಾಜೆಕ್ ಆಮಿಂ ಭಿಯೆವ್ನ್ ಚಲ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಐಡಾ. ಸಮಾಜ್ ಬರೆಂ ಕೆಲ್ಯಾರಿ ಉಲೈತಾ ವಾಯ್ಟ್ ಕೆಲ್ಯಾರಿ ಉಲೈತಾ. ಕೊಣಾಂಯ್ಚೆಂ ಬರೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮೊಸ್ರಾನ್ ಉಲೈತಾತ್. ವಾಯ್ಟ್ ಜಾಲೆಂ ತಾಚೊ ಪಾಯ್ಕೊ ಉಕಲ್ನ್ ಕೆಂಡ್ತಾತ್. ಆಮ್ಚಾ ದಾಕ್ತೆರಾಚೊ ಹಾತ್ ಧರ್ನ್ ತುಜಿ ಜಿಣಿ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ದಾಕ್ಟ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ತಾಂಚಾ ಸೆವೆಕ್ ಅರ್ಪಣ್ ಕರ್.

ಐಡಾ : ತುಮಿಂ ಮ್ಹಕಾ ಧೈರ್ ದಿತಾನಾ,.... ಮ್ಹಜೆಂ ವಿದ್ವಿಚೆಂ ಜೀವನ್ ಉದ್ದಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಮುಖಾರ್ ಸರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾತಾಕಾ ನಾ ಮ್ಹಣ್ಚೆ ತಿತ್ಲಿ ಸಕತ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ನಾ.

ವಿಲ್ಮಾಂ : Congratulations ಡಾ| ಅಂಕಲ್....! ಆತಾಂ ತುಮ್ಚೆಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗಾತ್ ಕೊಣ್ ದಿತೆಲೆಂ... ಡಾ.ಅಂಕಲ್..ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?

(ಸರ್ವ್ ಹಾಸ್ತಾತ್. ಹಾತಾಕ್ ಹಾತ್ ದೀವ್ನ್ ರಂಗ್‌ಮಂಚಾರ್ ಮಧೆಂ ಉಬಿಂ ಜಾತಾತ್. ಕಾಜಾರಾಚೆಂ ಸಂಗೀತ್ ವಾಜ್ತಾ.ದಿವೆ ಸವ್ಕಾಸ್ ಪಾಲ್ವಾತಾತ್)

ಸಂಪೂರ್ಣ್

जेसींता : समाजेक आमी वियेंवन चल्वें न्हय आयडा. समाज वरें केल्यारी उलयता, वायट केल्यारी उलयता. कोणांयचें वरें जाल्यार मोस्त्रान उलैयतात, वायट जालें ताचो फायदो उकलन केंडूतांत. आमचा दाकतेराचो हात धर्न तुजी जीणी दुव्ळया दाक्टयां खातीर तांचा सेवेक आर्पण कर.

ऐडा : तुमीं म्हाका धैर दिताना... म्हजें विद्विचें जीवन उद्धार करुंक मुखार सरल्या ताका ना म्हणचें तितली सकत म्हजेलांगीं ना.

विल्मा : Congratulation डा। अंकल आतां तुम्चें काजार जाल्यार म्हाका कोण आसा? म्हाका सांगत कोण दितलें?. डा। अंकल म्हाका कित्याक दिसाना?

(सर्वां हासतात, हाताक हात दिवन रंगमंचार मधें उवी जातात. काजाराचें संगीत वाजता, दिवे सवकास पल्वातात)

संपूर्ण

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002558

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾ?

महाका कित्याक दिसाना ?

ಲೇಖಕ್: ಪಿಂತಾಮ್, ದೆರೆಬೈಲ್.

लेखाक : पिंताम, देरेबैल

ILLUSTRATED KONKANI WEEKLY

ದಿವೊ

दिवो DIVO

तमसो मा ज्योतिर्गमय

ಹೆಂ ನಹಿಂ ಪತ್ರ್, ಬಗಾರ್ ಜಾಣ್ವಾಯೆಚೆಂ ಖಜಾನ್!
ತಶೆಂಚ್ ದಿತಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಭರ್ಪೂರ್ ಮನೋರಂಜನ್!!

ಆಜ್‌ಚ್ ವರ್ಗಣ್‌ದಾರ್ ಜಾ!

ವರ್ಗಣೆಚಿ ದರ್ Subscription Rate :

ಎಕಾ ವರ್ಸಾಕ್	ರು.	One Year	Rs.	200	
ತೀನ್ ವರ್ಸಾಂಕ್	ರು.	Three Years	Rs.	550	
ಪಾಂಚ್ ವರ್ಸಾಂಕ್	ರು.	Five Years	Rs.	800	&
ವಿದೆಶಾಕ್	ರು.	Abroad one year	Rs.	1200	

The Manager,
'DIVO'
Illustrated Konkani Weekly
99 Perin Nariman Street, First floor,
Fort, Mumbai 400 001, India.

Tel.: 269 3578, 265 4924, 265 8685

Email : secular@vsnl.com
Website : http://www.secularcitizen.com

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

2558
Dr. Dev
PTN

Malaika (TM)
THE SHOP THAT HAS YOU IN MIND

Head Office:

400 072.

R

ice
ards.

A
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ ದಿಸನಾ?
म्हाका कित्याक दिसना?

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

c. No. ______

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK FRESH & CLEAN

ಆಮ್ಚಿ ಮಾಯ್‌ಭಾಸ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ, ತಿಚಿ ಸೊಭಾಯ್
ಆನಿ ಗೊಡ್ಸಾಣ್ ವರ್ಣುಂಕ್ ಅಸಾಧ್ಯ್. ಕೊಂಕ್ಣಿ
ಉಲವ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಏಕ್ ವಿಶೇಸ್ ಮೊವಾಳಾಯ್ ಆನಿ
ಮೊಗಾಳಾಯೆಚೊ ಅನುಭವ್ ಜಾತಾ. ತೊ ಹೆರ್
ಖಂಚೇಯ್ ಭಾಸ್ ಉಲ್ಯೆಲ್ಯಾಂತ್ ಜಾಯ್ನಾ.
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉಲಂವ್ಚಿ ಆನಿ ಸರಸ್ವತಿ ನ್ಹಂಯ್ಚಿ ಸಳ್ಸಳಿ
ಝುರ್ ವ್ಹಾಳ್ಚಿ ದೊನೀ ಏಕ್‌ಚ್.



ಜರ್ ಆಜ್ ಇಂಗ್ಲಿಷಾಚ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಸಂಸಾರಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸ್ ರಾಜ್ ಕರ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಸಂಸಾರ್ ಇತ್ಲೊ ಕಠೋರ್ ಆಸ್ತೊ ನಾ, ಬಗಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ತಿತ್ಲೊ ಕೋಮಲ್ ಜರೂರ್ ಆಸ್ತೊ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ಗೂಂಡ್ ಪಾತ್ಯೆಣಿ.

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆಚೆ ಕಿತ್ಲೆಶೆ ಸಬ್ದ್ ಇಂಗ್ಲಿಷ್ ಯಾ ಹೆರ್ ಭಾಸಾಂನಿ ನಾಂತ್. ಉಲಯ್ ತುಜಿ ಮಾಯ್ ಭಾಸ್ ತಾಂತು ಲಿಪೊನ್ ಆಸಾ ಅಪಾರ್ ಮೊಗ್ ಆನಿ ಮಯ್ಪಾಸ್. ಶೀಕ್ ಉಲೊಂವ್ಕ್ ಸಂಸಾರಾಚಿ ಕಂಚೀಯ್ ಭಾಸ್ ಪುಣ್ ತಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಮಾಯ್ ಭಾಸ್ ತಾಂಚಿಂ, ತುಜಿ ನ್ಹಯ್. ದುಸ್ರ್ಯಾಂಚಿಂ ಮಾಯ್ ಭಾಸ್ ಚೊರುನ್ ಆಪ್ಲಿ ಮ್ಹಣಾನಾಕಾ ಆನಿ ಆಪ್ಲಿ ಮಾಯ್ ಭಾಸ್ ನಾಸ್ ಕರಿನಾಕಾ. ತುಜಾಚ್ ಗಾಂವಾಕ್ ಪರ್ಕಿ ಜಾಯ್ನಾಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತುಂ ದೇಶಾಕ್‌ಯಿ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಘೆಶಿ.

ದೆಕುನ್ ಹಾಂವ್ ದಾಂಗ್ರೊ ಘೆರಾವ್ನ್, ಗುಮಾಟ್ ವ್ಹಾಜವ್ನ್ ಸಾಂಗ್ತಾಂ ಸರ್ವ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಅಭಿಮಾನಿಂಕ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಿಚಾರ್‌ವಂತಾಕ್, ಸಂಸಾರಾಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಶಿಕಯಾ ಆನಿ ಮನ್ಸ್ಯಾಪಣ್ ಉರಯಾ.

ಹೊ ಮಾಂಚ್ಯೆ ವಯ್ಲೊ ನಾಟಕ್ ನ್ಹಯ್ ಬಗಾರ್ ರಣ ಭೂಮಿ ವಯ್ಲೆಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆ ಖಾತಿರ್ ಮಹಾ ಝುಜ್. ಪೈಶ್ಯಾಂ ಆನಿ ಪೊಟಾಚ್ಯಾ ನಿಬಾನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಿಸರ್ಲೆಲ್ಯಾ ನಿರ್ಭಾಗ್ಯಾಂನೊ, ತುಮಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಜಾಲ್ಲೆ ದುಬ್ಳೆ ನಹಿಗಿ?

—ಫ್ರಾನ್ಸಿಸ್ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್ ಕಾಸ್ಸಿಯಾ